मासिक
बिम्ब
कोंकणी समाजाचें पडबिम्ब

फेब्रुवारी २००८

रवीन्द्र केळेकारांक 'पद्मभूषण'

शब्द पुर्रा अभिनंदन

With Best Compliments From :

Dr. T.M.A. PAI FOUNDATION

Dr. T.M.A. PAI FOUNDATION

Syndicate House, Manipal-576 104

Ph. : 2571762 / 2571014

वर्स : ७ अंक २

फेब्रुवारी २००८

मोल १० रुपया

मुखेल संपादक
दिलीप बोरकार

मुद्रक आनी प्रकाशक
दिलीप बोरकार

छापणावळ
सह्याद्री ऑफसेट, खोर्ली-तिसवाडी

मार्केटींग व्यवस्थापन
कामिनी किणी

अक्षर जुळवणी आनी मांडावळ
श्वेता नाईक

वर्गणीचे दर
वर्सुकी २०० रु. / तीन वर्सां ५५० रु.

खंयच्याय म्हयन्या सावन
वर्गणीदार जांव येता, वर्गणीचो चेक
'बिम्ब' ह्या नांवान धाडचो

संपादकीय पत्रवेव्हाराचो पत्तो
जी.एस.बी.-३, हाऊसिंग बोर्ड कॉलनी,
पोस्ट आल्त-पर्वरी,
आल्त बेती - ४०३ ५२१
दूरध्वनी : (०८३२) २४११५९४
E-mail : bimbkonkani@yahoo.com
bimbkonkani@zapak.com

ह्या अंकांत उक्तायल्ले विचार त्या त्या बरोवप्याचे आसात. संपादक मंडळ ताचेकडेन सहमत आसतच अशें ना.

कोंकणी मासिक
बिम्ब

आदले वरींच आकर्शक अजेंडा घेवन परिशदेन मुखार वचचें.

५ – डॉ. तानाजी हळर्णकार

संपादकीय /३
प्रतिबिम्ब /४
नवलिका – नं. ध. बोरकार / ११
कथा – रामनाथ गावडे/ १४
सैम सांगात – हर्षा शेटये / १७
मंथन – रवीन्द्र केळेकार/१९
सुवादीक – /२२
भुरग्यांचें आंगण – दोतोर (मेजर) प्रकाश शेटये, सदानंद तेंडुलकार, आयुषी शेटये, मीना काकोडकार, सुनील पालकार, रमेश भगवंत वेळुस्कार / २३
मनसंवेदना – सुफला रूद्राजी गायतोंडे, दिपा दिलीप खोलकार, इंदू अशोक गेरसप्पे, भरत नायक, आर. एस्. भास्कर, राजश्री सैल, भिकाजी घाणेकार/ ३१
दिका – विन्सी क्वाद्रूस / ३४
पडवेर – कुमूद भिकू नायक /३६
घडामोडी – / ३८
शब्द – फूल – /४०
कोंकणी पॉप – /४१
दिश्टावो – शरतचंद्र शेणै/४२
भलायकी – वंदना धुमे /४६
A
काळचक्र – /४७
संवाद – /४८
उतरकुवाडें – मुकेश थळी/५३
हरयाळी – गोविंद नाईक/५४
अंतर्मनांतले अंतरंग – दिलीप बोरकार/५५

गोंय सरकार

कोंकणी आनी मराठी भाशेचे उदरगती खातीर गोंय सरकार

गोवा कोंकणी अकादमीक

आनी

गोमंतक मराठी अकादमीक

अनुदान दिता तुमच्या लेखन गुणांक पालव मेळपाक

ह्या अकादमीकडेन संपर्क करात

संचालक
राजभाशा संचालनालय
जुन्ता हावस, १ली लिफ्ट, ५ वो माळो,
पणजी - गोंय.

आतां परिशदेची दिका बदलूंक जाय.

अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेचें २६वे अधिवेशन कोचीच्या एर्नाकुलम वाठरांत भरता.

परिशदेच्या निमतान ह्या वाठारांत गोंय, महाराष्ट्र, कर्नाटक आनी केरळ ह्या चार राज्यांतले कोंकणी भक्त एकठांय जावपाचे आसात. वेगवेगळ्या सत्रांतल्यान वेगवेगळ्या विशयांचेर भासाभास जावपाची आसा. आदल्यो वळखी ताज्यो जावपाच्यो आसात. नव्यो वळखी जावपाच्यो आसात.

परिशदेचें अधिवेशन उलगल्या उपरांत जण एकलो आपल्या मूळ गांवांत परतुपाचो आसा. फुडल्या वर्सा परिशदेच्या निमतान परत एकदां मेळपाचें उतर दिवन.

फाटल्या २५ अधिवेशनांत हें अशेंच घडत आयलां. ह्या २६व्या अधिवेशनांतूय वेगळें कितें घडटलें अशांतलो प्रस्न न्हय. पूण तें वेगळें घडचें अशें आमच्या वांगडाच खूब जाणांक दिसता. पूण तें कितें घडूंक जाय हें कोणूच सारकें सांगना.

जेन्ना कोंकणी चळवळी मुखार कांय उद्दिश्टां आशिल्ली तेन्ना हे परिशदेक एक खुमखुमी आसताली. आपूण खडेगांठ ठराव मांडून कितें तरी चैतन्य निर्माण करतलों अशें चिंतून माटवांतलो एकांत एक कोंकणी फुडारी माटवांत येवन बसतालो. आपल्या ठरावाक तितल्याच नेटान, तितल्याच तांकिच्या फुडाऱ्यान अनुमोदन दिवंचें अशें त्या वेळार फुडाऱ्यांक दिसतालें.

ठराव टाळयांच्या कडकडाटांत मंजूर जाताले आनी मागीर फुडल्या अधिवेशनांत त्या थारावांचें कितें जालें हाचेर कोण तरी थोमणें मारून उलयतालो.

आज हे असले थाराव मांडपाचो काळ आनी गरज उरूंक ना. कोंकणी मुखावेलीं सगळीं आव्हांनीं पयस जाल्यांत. तेच पासत आयज खुमखुमी ना जावन पुराय कोंकणी समाज मेंगो जाल्लो दिश्टी पडटा. तोच मेंगो समाज अधिवेशनाच्या दिसांनीं आतां दिश्टी पडटा.

कोंकणी मुखावेले साबार प्रस्न सुटावे जाल्ले दिसले तरी ते सुटावे जाल्ले नात. आयज नवे प्रस्न कोंकणी समाजा मुखार आसात. आज आमी सगळे अधिवेशनाच्या नांवान एकठांय येतात. पूण आमी खरेंच एक आसात काय कितें असो प्रस्न पडले बगर रावना.

जात्रा-फेस्ताच्या निमतान आमी सदांच एकठांय येतात. जात्रा उलगली म्हणटकच खाजें-लाडू घेवन घरा वतात. पूण अधिवेशना फाटली कोंकणी समाजाची मोख वेगळी आसा. आज कोंकणी मुखावेलीं सगळीं आव्हानां सुटावीं जाल्लीं आसलीं तरी कोंकणी समाजा मुखावेलीं आव्हानां पयस जाल्लीं नात. आमी वेगवेगळ्या राज्यांतल्यान कोंकणी मनीस म्हूण अधिवेशनाच्या नांवना एकठांय रावतात. पूण एकमेकाची वळख मात सारकी करून घेनासतना चलूंक लागतात.

आतां परिशदेच्या वावराची मोख मातशी विस्तारूंक जाय. कोंकणी मनशाची एकमेकाक सारखी वळख जावंची ह्या उद्देशान परिशदेचे आयोजन जावपाची गरज आसा. आज आमकां नवे पिळगेची वळख जावंक जाय. हे नवे पिळगेचे प्रस्न आनी तांची कोंकणी कडली लागणूक हाची बारीकसाणेन चर्चा जावंक जाय. परिशद नवे पिळगेचे भुजांर दवरपाचो वेळ आयला. तीच पिळगी सोदपाचो वावर आतां परिशदेच्या नांवान जावंक जाय.

शब्द पुर्सा अभिनंदन

मडगांवांत २५ जानेरा दिसा सांजवेळा लोहिया मैदानाचेर एक व्हड उत्सव चल्लेलो . उत्सव आसलो जाणे गोंयच्या स्वातंत्र्याची मशाल पुर्तुगेज सत्ताकाच्या ह्याच मैदानार १९४६त पेटयल्ली त्या महात्म्याचो पुतळो म्हटल्यार डॉ. लोहियांचो पुतळो अनावरण करपाचो. ते खातीर हजारांनीं लोक तांच्यो फाटल्यो यादी करपाक जमलेलो. साडेसवरांचेर जेन्ना भौमानेस्त मुख्यमंत्री श्री. दिगंबर कामत वचपाक उठले तेन्ना कार्यक्रमाचें सूत्रसंचालन करपी स्वातंत्र्य सैनीक आनी कवी नागेश करमल्यांनी उद्घोष करून सांगलें की भौमानेस्त स्वातंत्र्य सैनीक, गांधी मोगी आनी तशेंच ज्येश्ठ आनी श्रेश्ठ साहित्यिक रवीन्द्रबाब केळेकार हांका भारत सरकारान पद्मभूषण ह्या सन्मानान अलंकृत केल्यात. हें आयकून मैदानभर जमलेल्या लोकांच्या मानसविश्वांत एक खाशेलें ल्हार वीज सळसळून वयची तशें ल्हारेवन गेलें.



रवीन्द्रबाब हे कोंकणी साहित्यिक आनी भारत सरकार ह्या कोंकणी साहित्याचो आनी साहित्यिकाचो थातो मातो करता. ताचे गूण केळयता आनी सवन कोंकणी विश्वाक एक अप्रूप बळगें दिता. एक नवी शक्त दिता तें पळोवन हड्डें मुखार सरलें. आनी याद जाली शणैगोंयबाबांली. ते गोंयाविशीं म्हणटात, ताच्या आंगांतलो कस मोटो. तसो हावेसूय मोटो. आपूण उपाट सुखी जावन सगळो संवसार उपाट सुखी करचो ही ताची मोटी वान्सा. त्या खातीर तें कसलेंय साहस करी. रवीन्द्रबाबांच्या कर्तुबांतल्यान गोंयच आपलें कर्तुब दाखयता तें पळोवन रवीन्द्रबाबान गोंय कशें अंतरांतल्यान समजून घेतलां तें कळटा. रवीन्द्रबाबांक कोंकणीक पद्मभूषण आमच्या देशान दिलें ही सगळ्या कोंकणी मनशांक भौमानास्पद गजाल.

हे आदीं भारत सरकारान बाकीबाब बोरकार आनी डॉ. र. वि. पंडित हांकां पद्मश्री दिवन कोंकणी साहित्याक आनी साहित्यिकांक होरायल्ले, आनी आतां रवीन्द्रबाबांक पद्मभूषण दिवन गौरवायला. भास मनशाक संकुचीत दवरिना हाची ही गवाय. आनी रवीन्द्रबाबांचें साहित्य आमकां एक सारको विचार करपाक लायता. आपल्याच विचारांच्या जाळांत जळून परत एक पावट पावित्र्यांत फुलपाची शक्त दिता. विचारांत घुस्पल्लीं जळमटां पयस करूंक शिकयता, जें चूक आसता तें पयस करूंक शिकयता, चिर सौंदर्याचो आस्वाद घेवंक शिकयता. मुक्त जावंक शिकयता आनी सगळ्या संवसाराक गांभिर्यान पळोवपाचो सल्लो दितात. वाचन, मनन आनी लेखन ह्या तीन गुणांच्या मालवजार तांणीं साहित्य मळबाच्या आसमंतार झोपय घेवन व्हड जैत हातासलां. ''म्हाकां कितें कितें करचेंशें दिसता. म्हाका सुकण्या भशेन उडचेशें दिसता. तें माथ्यावयलें उंच मळब आनी तातूंत मोतयांवरीं ओतिल्लीं तीं नक्षत्रां पळोवन, म्हजो जीव मिटमिट्टा. म्हाकां तीं बचके मारून पुंजावचींशीं दिसतात. हांव जाण्टो जातकूच ल्हवपीक पांखाटे लायतलों आनी घोणी भाशेन उडटलों. हांव ऊंच ऊंच वेतलों. हांव सुर्यावळी, गिरावळी आनी नक्षत्रावळी रांगाशितलों.'' अशें जें शणै गोंयबाबान बरयतलें तें रवीन्द्रबाबा खातीरूच काय कितें असो भास जालो.

कोंकणीच्या शब्द पुरसा, रवीन्द्रा तुमचें अभिनंदन करपाक आमचेकडें उतरां उणीं पडटात. तुमच्या यशाचें तिजन आतां आमच्या शिरंतरांत खेळूंक लागलां. ताका आतां नवीं नवीं अंतराळां सोदपाचो ध्यास लागलो. उर्बेन आनी उर्जेन तीं आतां थपथपून गेल्यांत आनी तुमचें अभिनंदन करीत तीं अंतराळांच्या सोदाक संवकल्यांत. पळयात अभिनंदनाचीं लाख लाख गितां गायत तीं फुडें सरत आसात.

❀❀❀

– रमेश भगवंत वेळुस्कार
पाळें, शिर्दोन – गोंय.

परिशदेसंबंधी समज, अपसमज जायते आसात. तिच्या वावराचे पद्दती संबंधी मतभेद आसात. मतभेदाच्या शापांतल्यान खंयचेच सार्वजनीक संस्थेची सुटका जाल्ली ना. अखिल भारतीय कोंकणी परिशदय ताका आडवाद ना.केन्ना अज्ञानांतल्यान, केन्ना गैरसमजांतल्यान, आनी केन्ना परिशदेच्या तात्वीक धोरणांतल्यान परिशदेचेर टिका जाल्या. जायत आसा. फुडाराकय जातली. इतकें आसूनय एक सत्य सगळ्यांनी मानून घेतलां. परिशदेच्या वावरान तें तांकां मानूंक लायलां. भुगोलीक, राजकीय, धार्मीक, जातीय, लिपीक विचारसरणींनीं वाटून गेल्ल्या कोंकणी समाजाक परिशदेबगर सर्वसामावेशक अशें दुसरें व्यासपीठ ना. राष्ट्रीय पावंड्यावयली, आदान-प्रदानाची दुसरी वेवस्था ना. हाची गवाय फाटल्या आडसस्ट वर्सांत जाल्ल्या पंचवीस अधिवेशनांनीं, आनी अठरा साहित्य संमेलनांनी दिल्या.

आदलेवर्षींच आकर्षक अजेंडा घेवन परिशदेन मुखार वचचें.

– डॉ. तानाजी हळर्णकार

मनीस हो एक सांस्कृतीक प्राणी. तितकोच तो सामाजीक प्राणी. ताका सुसंकृत जीण जितकी प्रिय, तितकोच ताका समुदाय प्रिय. मुळांत मनशाक एकमुळो रावप-भोवप, खावप मानवना. ताका सांगाताक कोण तरी लागता. घरचीं वा भायलीं. तातुंतल्या तातूंत तो आपल्या धर्मांत, जातींत, समाजांतल्या समविचारी लोकांत चड रमता.

एकठांय येवप ही मनशाची बडीची(सैमीक) गरज आसली तरी ह्या एकठांय येवपांतल्यान निर्माण जाल्ल्या सामुदायीक बळग्यान सदांच कसलें ना कसलें उद्दीश्ट नदरे मुखार दवरलां. एकठांय येवन घडिल्ल्या समुदायान, एकचाराच्या नाड्यार कसलें तरी ध्येय सादलां. संवसारांतल्या सगळ्यां संस्थांच्या जल्माच्या मुळाक, सैमीक गरज आनी ध्येयपुर्तीचें उद्दीश्ट हीं दोन तत्वां दिश्टी पडटात.

अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेच्या जल्माच्या मुळाकच कोंकणी मनशांक एकठांय येवपाची आंतरीक गरज आसली. एकठांय येवन कोंकणीची उदरगत सादपाचें उद्दीश्ट आसलें.

त्या काळांत कोंकणीच्या नशिबांत वनवास आयिल्लो. कोणाच्याय नशिबांत वनवास दोन कारणां खातीर येता. ताका परकी पिडटात, हें एक कारण. दुसरें कारण आसता, ताका स्वकीय पयसायतात. अशें घडटा तेन्ना ती व्यक्ती निन्हवता. तिच्या अस्तीत्वाचो भरवंसो ना जाता. अमुकच काळाभितर तिका कोणेन सावरलीना तर तिचो नाश जाता. कोंकणी तेच परिस्थितीक पाविल्ली. गोंय, महाराष्ट्र , कर्नाटक आनी केरळांतल्या कोंकणी लोकांनी तिका पयस केल्ली. त्या त्या प्रदेशांत चलती आशिल्ल्या भासांक ताणी लागीं केल्ली. आपली स्वताची एक भास आसा. हेर भासांसारकीच प्रगत जावपाची तिच्यांत क्षमता आसा, हाचो बोध तांकां जालोना. आपले भाशेक वयर काडपाचें दायीत्व आपणाचेरच आसा हाचें भान दवरलेंना. हाताकडेन आशिल्ल्या परकी भासांचें तांणी आपणाचेर वागरें घालून घेतलें. आपली स्वताची भास ही आपल्या उदरगती खातीरची संजिवनी आसा हाचो साक्षात्कार तांकां कोणेन करून दिलो ना.

शणै गोंयबाबान तसो साक्षात्कारी उलो पयले फावट मारलो. तांच्या पिंडाक लागून तांचो वावर व्यक्तीगत स्वरूपाचो

८-९ जुलय १९३९ कारवारा जाल्लें पयलें अधिवेशन

७ जुलाय १९३९ दिसा सकाळीं ११.०० वरांचेर कार्यक्रम सुरू जालो. माटवांत लोकांखातीर जमखणां घाल्लीं. माचयेर गादयो, लोडां घाल्लीं. काँग्रेसीच्या अधिवेशनाचे पद्दतीची ती वेवस्था आसली. माचयेर दोन रांगांनी मानेस्त बशिल्ले. फुडले रांगेंत परिशदेचे अध्यक्ष विश्वनाथ पांडुरंग प्रभू, मुखेल सोयऱ्यो कृष्णाबाय देवराय पणजीकार, स्वागताध्यक्ष माधव मंजुनाथ शानभाग, मुतकेकार वकील आसले. फाटले रांगेंत कृष्ण राव हळदीपूर, पी. एम्. कामत, बी. एस्. मावीनकुर्वे, सिल्वा वकील बशिल्ले.

११.०० वरांचेर सुरू जाल्ली कार्यावळ दनपरां दोन वरांचेर सोंपली. भायल्या गांवच्यान आयिल्ले एक हजार लोक आनी शंबरेक स्वयंसेवक थंयच जेवले. बाकीचे गांवचे लोक आपल्या घरा जेवणाक गेले. जेवण भितर कुडींत वाडलें. कारण भायर ते दिसा पावस पडटालो. चित्रापूर मठाचे आनंदाश्रम स्वामी अंकोल्याक आयिल्ले कडेन आसले, ते परिशदेक आशिर्वाद दिवंक कारवारा आयले.

उरलो. तो संस्थागत जावंक पावलोना. ताका सार्वजनीक व्यासपीठ लाबलेंना. अशें व्यासपीठ सर्गेस्त माधव मंजुनाथ शानभाग हांचेकडल्यान मेळलें. ८ जुलाय १९३९ दिसा कारवाराक स्थापन केल्ल्या ह्या व्यासपिठाचें नांव आसलें ऑल इंडिया कोंकणी साहित्य परिशद. कोंकणी समाजाच्या इतिहासांतलें, सर्वसामावेशक अशें पयलें अधीकृत सार्वजनीक व्यासपीठ. गोंय, महाराष्ट्र, कर्नाटक आनी केरळ अशा चार प्रदेशांतल्या, हिन्दू, किरिस्तांव आनी मुसलमान अशा तीन धर्मांतल्या, नागरी, रोमी, कन्नड आनी मल्याळम अशा चार लिपींतल्या कोंकणी मनशांक एका माटवांत हाडपाचो पयलो विक्रमी उपक्रम माधव मंजुनाथ शानभाग आनी ताच्या सांगात्यांनी केलो. ताचे पयलीं एका प्रदेशांतल्या कोंकणी मनशाची वळंख दुसऱ्या प्रदेशांतल्या सर्वसादारण मनशाक नासली. एकापरस चड लिपीनी कोंकणी साहित्य-निर्मिती जाता हें सर्वसादारण मनशाक परिशदेच्या माटवानच सांगलें.

परिशदेसंबंधी समज, अपसमज जायते आसात. तिच्या वावराचे पद्दती संबंधी मतभेद आसात. मतभेदाच्या शापांतल्यान

कला अकादमी संकूल, पणजी हांगा भरिल्ल्या अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेच्या रुप्या उत्सवी अधिवेशनाचे येवकार अध्यक्ष राज्यसभा वांगडी शांताराम नायक मुखेलमंत्री प्रतापसिंग राणे हांकां येवकार दितना.

खंयचेच सार्वजनीक संस्थेची सुटका जाल्ली ना. अखिल भारतीय कोंकणी परिशदय ताका आडवाद ना.केन्ना अज्ञानांतल्यान, केन्ना



कोंकणी परिशद ही राजकीय संघटणा वा व्यासपीठ न्हय. इतिहासीक कारणांक लागून भारताचे अस्तंत देगेर, गोंय, महाराष्ट्र, कर्नाटक आनी केरळांत, तशेभशेन देश - विदेशांत हेर कडेन शिंपडिल्ल्या तरेकवार धर्म आनी जातींच्या कोंकणी लोकांचो भाशेच्या आधारान सामाजीक आनी सांस्कृतीक एकवट घडोवन हाडचो आनी ह्या एकवटावरवीं कोंकणी समाजाची जीण समृध्द करता आसतनाच राष्ट्रीय एकचाराक हातभार लावंचो हो हे परिशदेचो हेतू आसा.

शिरसी, (कर्नाटक) हांगां ११-१२ फेब्रुवारी १९९५ वर्सा जाल्ल्या परिशदेच्या विसाव्या अधिवेशनाचे अध्यक्ष डॉ. काशिनाथ महाले हांच्या भाशणाचो एक वांटो.

परिशदेचे पयले अध्यक्ष श्री बिश्वनाथ पांडुरंग प्रभू हाणीं अध्यक्षपदावयल्यान केल्ल्या भाशणाचो एक वांटो.

कोंकणी भास म्हळ्यार इल्लेशें कुस्कूट. तिची व्हडवीक गावंक परिशद कित्याक भरोवंक जाय अशें कांय लोकांक दिसतालें. परंत ती भास कुस्कूट न्हय. ती ल्हान आसल्यारय सोबीत आसा. योरोवपी पंडितानी लेगीत तिची तोखणाय केल्या. चड पुर्विल्ल्या काळापासून ती घोळटेंत आसा. मराठी परस ती आदीं जाल्या. हालींच्या काळांत आवय-बापूय नाशिल्ल्या उबंत पोरावरवीं तिची अवस्था जाल्या. हे भाशेक राजाचो आधार केन्नाच मेळ्ळो ना. ही भास उलयतले लोक बुदवंत आसून, तातुंतल्या जायत्या जाणांनीं विद्वान पंडीत आनी कर्तुत्वी अशी नामना जोडल्या. देखून आमी आमची भास उबंत उडोवंक जायना. तिका आमी माये मोगान लागी करूया आनी वयर उबारूंक वावरूया.

गैरसमजांतल्यान, आनी केन्ना परिशदेच्या तात्वीक धोरणांतल्यान परिशदेचेर टिका जाल्या. जायत आसा. फुडाराकय जातली. इतकें आसूनय एक सत्य सगळ्यांनी मानून घेतलां. परिशदेच्या वावरान तें तांकां मानूंक लायलां. भुगोलीक, राजकीय, धार्मीक, जातीय, लिपीक विचारसरणींनीं वाटून गेल्ल्या कोंकणी समाजाक परिशदेबगर सर्वसामावेशक अशें दुसरें व्यासपीठ ना. राष्ट्रीय पावंड्यावयली, आदान-प्रदानाची दुसरी वेवस्था ना. हाची गवाय फाटल्या आडसस्ट वर्सांत जाल्ल्या पंचवीस अधिवेशनांनीं, आनी अठरा साहित्य संमेलनांनी दिल्या.

कोंकणी भाशेन प्रतिकूल परिस्थितीकडेन केल्लो संघर्श अद्वितीय आसा. हो संघर्श फकत भायल्यां विरोधकांपुरतो नासलो. तो भितरल्या घरभेद्यांकडेनय आसलो. कोंकणी मनशांकडल्यांनच कोंकणीक जावपी विरोध विचित्र आसलो. तर्कविसंगत आसलो आनी म्हणूनच संघर्श तितकोच खर जाल्लो. साध्य तितकेंच कठीण जाल्लें. अशे खर प्रतिकूल परिस्थितींत, वनवासी कोंकणीक मानाचो पाट दिवपाचें काम कोंकणी चळवळीन केलां. तेंय थोड्या काळा भितर. कोंकणी भासच न्ही म्हणप्यांचो आंकडो व्हड आसताना, ह्या आंकड्याफाटल्यान महाराष्ट्रासारकें समर्थ राज्य उबें आसताना, कोंकणीच्या मुळपिठांतल्यान गोंय सरकारान अलिप्ततायेचें धोरण स्विकारलें आसतना, हें घडलें.

हें घडोवन हाडटाना जायत्या जाणांचे हात लागल्यात हें मानून घेवनय एक गजाल स्पश्ट आसा. ह्या जैता फाटल्यान अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेची प्रेरणा आसा. चळवळीच्या सगळ्या उपक्रमांक परिशदेचो आशिर्वाद मेळला. जांव साहित्य अकादेमीची मान्यताय, जांव गोंय राज्याची राजभास, जांव संविधानाच्या आठव्या परिशिश्टांत प्रवेश, जांव आनीक खंयचो विशय, सगळेच प्रस्न पयलीं परिशदेच्या व्यासपिठार आयल्यात. थंय तांचेर विचारमंथन जालां. रणनिती थारल्या. प्रत्यक्षांतलो वावर हेर संस्था-व्यक्तिनी केला आसत. ते खातीर लागपी प्रेरणा, प्रोत्साहन, मार्गदर्शन, नैतीक बळगें, मनीसबळ, नेतृत्व तशे अनुयायी परिशदेच्या व्यासपिठान दिल्यात. प्रत्यक्ष कृती परिशदेन केल्या नासत, ते कृतीचो विचार परिशदेन दिला. हें सत कोणाक नुवाळ करूंक

लिपी न्हय, लिपींचो वाद आमी कोनशाक दवरूंक जाय. कोंकणीची खरी उदरगत जाय म्हळ्ळी अपेक्षा तिच्या भुर्ग्यांक आसातर, लिपीच्या वादांत आमी पडोंक नज, अशी म्हजी खालती अभिप्राय. थोड्यांच वर्सां भितर सर्व कोंकणी प्रदेशांनी नागरी लिपियेचें साहित्य प्रचलीत जावन लोकां मोगाळ जातलें म्हळो भर्वसो आमी दवरूं येत. कन्नड, रोमी आनी मल्ल्याळी लिपींनी धाराळ साहित्य निर्माण जायत आसा. ह्या लिपींनीं बरयतल्यांची आमी सितीमेतां समजोन घेवंक जाय. तांचीं मतां दुकय नासताना, तांच्या साहित्याक प्रोत्साहन दितां दितां, तांकां उणेपण भोगानाशिल्लेपरी आमी देवनागरी लिपीचो प्रचार करूंक जाय. गर्जेभायली सकत वापरून ही लिपी आमी दुसऱ्यांचेर थापूंक पळेल्यार बऱ्यापरस वायट जावंचो संभव चड आसा. ह्या वेळार सोंसचेकायेची गरज आसा.

मडगांव - गोंय हांगां १६-१७ जानेवारी १९९३ वर्सां जाल्ल्या १९व्या अधिवेशनाचे अध्यक्ष श्री. जे. बी. मोरायस हांच्या भाशणांचो एक वांटो.

मणिपाल हांगा जाल्ल्या अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य परिशदेच्या १७व्या अधिवेशनाची येवकार समिती.

येवचेंना.

हें एद्या मोलाचें कार्य केल्ले परिशदेचें, कोंकणी समाज-मनांत, स्थान आसूंक जाय आसलें तितकें ना. कारणां जायतीं आसात. परिशदेन कोंकणी संबंधी खूप सांगलां, स्वताबद्दल खुपूच उणें सांगलां. आयच्या काळांत आपूण जावन दुसऱ्याक समजून घेवपाची वृत्ती पातळ जाल्या. जाचें ताका क्रेडीट दिवपा इतकें प्रामाणीकपण उरूंक ना. ताचे जोडयेक ग्रुपीजम आयलां. आपल्या ग्रुपाभायलें मानप ना ही मानसिकता तयार जाल्या. सेल्समॅनशीप परिशदेक जमलीच ना.

सुर्वेक सावन मार्गदर्शनी कार्यपद्दत आपणायल्ल्यान, परिशद कोंकणी चळवळीच्या संघर्श पर्वांत, कुशीक उरल्या. अधिवेशन ते अधिवेशन अशी तिची कार्यपद्दत जाल्ल्यान, दोन अधिवेशनां मदल्या काळांत ती निश्क्रीय उरल्या. चार राज्यांतल्या कोंकणी मनशांक एकठांय हाडून विचारमंथनाचें व्यासपीठ उपलब्ध करून दिवंचें. प्रत्यक्षांतलो वावर थळाव्यां संलग्न संस्थानी मुखार व्हरचो ही पॉलिसी परिशदेन सुर्वेक सावन आपणायल्ली दिसता. तेच खातीर परिशदेच्या अधिवेशनाचें आयोजन, सदांच थळावे संलग्न संस्थेकडेन दवरलां. (२००६तल्या पंचविसाव्या अधिवेशनाच्या आयोजनाचो एक आडवाद सोडल्यार) होच उद्देश नदरे मुखार दवरून परिशदेच्या फुडाकारान मुंबय, मंगळूर, गोंय, कॅलीकत सारकिल्या वाठारांनी कोंकणी भाशा मंडळां स्थापन जाल्यां. कोंकणी चळवळीचें विकेंद्रीकरण आनी थळाव्या संस्थांचो राष्ट्रीय कोंकणी कार्यावळींत सहभाग अशें दोट्टी ध्येय परिशदेन दवरलें. परिशदेची पॉलिसी लोकांक पटोवपाक परिशद उणी पडली आनी ती समजून घेवंक लोक उणे पडले. हाका लागून परिशद आनी थळाव्यो संलग्न संस्था हांचे मदीं सेंद्रीय (Organic) नातेसंबंध निर्माण जावंक पावले ना.

एका काळार परिशदेकडेन आकर्शक अजेंडा आसलो. साहित्य अकादेमीची मान्यताय, राजभास, आठव्या परिशिश्टांत आस्पाव, रेडियो - टी.वीचेर कोंकणी कार्यावळी. शिक्षणाचें माध्यम हे कोंकणी मनशाच्या



आयजवेर आमी परिशदेचीं एकवीस आनी साहित्य संमेलफनाचीं चौदा मेळून एकूण पस्तीस अधिवेशनां घेतल्यांत. हीं सगळीं अधिवेशनां आमी आमचेखातीरच घेतिल्लीं हें जितकें खरें, तितकेंच हेंवूय खरें, आमी तीं दुसऱ्यांखातीर घेतिल्ली. हे दुसरे म्हळ्यार कोंकणीचे विरोधक. तशें करप ही त्या काळाची गरज आसली. आतां आमी आरमसोद घेवपाची गरज आसा. एका काळार असलीं अधिवेशनां शक्तीप्रदर्शनां आसलीं, तीं आतां आत्मसंशोधनाचीं व्यासपिठां जावंक जाय.

बेळगांव हांगा १५-१७ जानेवारी १९९९क जाल्ल्या बाविसाव्या अधिवेशनाचे अध्यक्ष श्री पुंडलीक नायक हांच्या भाशणांचो एक बांटो.

अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेचे सव्वीस अध्यक्ष

अधिवेशन क्रमांक	अध्यक्ष	वर्स	सुवात
१.	श्री. विश्वनाथ पांडुरंग प्रभू	१९३९	कारवार-कर्नाटक
२.	श्री. जेरोम साल्दाना	१९४०	उडुपी-कर्नाटक
३.	प्रो. आर्मांद मिनेझीस	१९४२	मुंबय-महाराष्ट्र
४.	डॉ. एम्. यू. मास्कारेंन्हास	१९४९	मुंबय-महाराष्ट्र
५.	डॉ. मारियान साल्दाना	१९५२	मुंबय-महाराष्ट्र
६.	डॉ. सुमित्र मंगेश कत्रे	१९५७	मुंबय-महाराष्ट्र
७.	डॉ. बी. एम्. सालेतोरे	१९६०	कारवार-कर्नाटक
८.	डॉ. मनोहरराय सरदेसाय	१९६२	मडगांव-गोंय
९.	श्री. बा. भ. बोरकार (बाकीबाब)	१९६७	मुंबय-महाराष्ट्र
१०.	श्री. के. के. पै	१९७४	पणजी-गोंय
११.	श्री. चंद्रकांत केणी	१९७६	मंगळूर - कर्नाटक
१२.	श्री. रवीन्द्र केळेकार	१९७८	कोची-केरळ
१३.	श्री. एन्. पुरूषोत्तम मल्ल्या	१९८०	मुंबय-महाराष्ट्र
१४.	श्री. व्ही. जे. पी. साल्दाना	१९८२	पणजी-गोंय
१५.	श्री. नागेश सोंदे	१९८४	बेंगळूर-कर्नाटक
१६.	श्री. उदय भेंब्रे	१९८६	कोची-केरळ
१७.	श्री. माधव विठ्ठल कामत	१९८९	मणिपाल-कर्नाटक
१८.	प्रो. आर. के. राव	१९९०	रामनाथी-गोंय
१९.	श्री. जे. बी. मोरायस	१९९३	मडगांव-गोंय
२०.	डॉ. काशिनाथ महाले	१९९५	शिरसी-कर्नाटक
२१.	डॉ. विल्यम माडता	१९९७	मुंबय-महाराष्ट्र
२२.	श्री. पुंडलीक नारायण नायक	१९९९	बेळगांव-कर्नाटक
२३.	डॉ. तानाजी हळर्णकार	२००२	मंगळूर-कर्नाटक
२४.	श्री. बस्ती वामन शणै	२००४	कॅलीकत-केरळ
२५.	श्री. पॉल मोरास	२००६	पणजी-गोंय
२६.	ॲड. शांताराम नायक	२००८	एर्नाकुलम-केरळ

१२-२-१९९५ दिसा परिशदेच्या २०व्या अधिवेशनाची मिरवणूक.

आत्मीयतेचे विशय. ह्या विशयांचें आकर्शण तेन्ना परिशदेकडेन आसलें. दर एका अधिवेशनांत हे विशय गाजताले. कालांतरान हे विशय सोपले. परिशदेन दुसरे तितक्याच आत्मीयतेचे विशय मुखार हाडले ना. कोंकणी भाशीकांचें कोंकणी राज्य, एक भास एक लिपी एक समाज, सक्तीचें कोंकणी शिक्षण हे नवे विशय परिशदेन घेवं येताले. घेतले ना. ह्या विशयांचो संबंध कोंकणी मनशाच्याच प्रादेशीक अस्मितायेकडेन येता म्हणून जावंये वा स्वकियांकडलो संघर्श परक्यांकडल्या संघर्शापरस पेरीग जाता म्हण जावंये. परिशदेन आदली पोट तिडक दाखयली ना.

परिशदेचें अस्तीत्व जाणवतलें तर परिशद वर्सभर कार्यरत उरूंक जाय हो विचार आतां घोळूंक लागला. गोंय, कर्नाटक, महाराष्ट्र आनी केरळांत परिशद थळाव्या संस्थांच्या पालवान कार्यावळी आयोजीत करूंक लागल्या. अधिवेशन ते अधिवेशन ही कार्यपद्दत बदलून परिशद आदले परस चड कार्यरत जावंक लागल्या ही बरी गजाल. आतां आदलेवरींच आकर्शक अजेंडा घेवन परिशदेन मुखार वचचें.

❀❀❀



डॉ. तानाजी हळर्णकार
राजांगण,
पुंडलीक नगर,
पर्वरी - गोंय.
फोन - २४१२०६९

(डॉ. तानाजी हळर्णकार हे कोंकणींतले म्हालगडे फुडारी, विचारवंत, कोंकणी विश्वकोशाचे संपादक आनी अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेच्या २३व्या अधिवेशनाचे संमेलनाध्यक्ष जावन आसात.)

बावकें

पूण आतां मात गजेंद्रान आपले आवयक हिसको दिलो. आवयलें गुपीत आपल्याक खबर आसा हाचो तार्णे तिका पत्तो लागूंक दिलो ना.

गजेंद्राल्या राबीत्याक तेकून, भाड्याच्या घरांत एक शिक्षक रावतालो. हो शिक्षक शारांतल्या हायस्कुलांत शिकयतालो. त्या शिक्षकाक एक शिकिल्ली सवरिल्ली चली आशिल्ली. रंगरूपानय वायट नाशिल्ली. गजेंद्रान तिची आनी तिच्या घराब्याची पुराय खबर काडली. चलयेचो बापूय गजेंद्रा इतलो गिरेस्त नासलो, तरी तो बऱ्या घराब्यांतलो आसलो.

गजेंद्रान आतां चिंतलें. आवयचेर पातयेवन रावल्यार फुडें आपलो सर्वनाश जातलो. तो ताळटलो जाल्यार आवयक आतांच बुद्द शिकयल्ली बरी. तार्णे आनी कळाव केलो ना. आपल्या एका बरे भागत्याक घेवन शिक्षकालें बिराड गाळलें.

आतां फुडें कितें घडटा तें पळोवया -

नं. ध. बोरकार हांची
नवी धारावाहीक नवलिका -
बावकें.

शीला आतां बारावी शिकून कॉलेजाचे पावंडे चडलां. चोवथी मेरेन तें मराठी शाळेंत शिकलें. पांचवी ते धाव्वी मेरेन मडगांवच्या एका कॉनव्हेंन्ट शाळेंत ताचें शिकप जालें. गजेंद्रान ताका कॉनव्हेन्ट हायस्कुलांत घालूं नासलें तर ताच्या जिविताक घडये वेगळें वळण लागपाची शक्यताय आसली. तें वळण मागीर बरेंय आसूंक शकतालें आनी वायटय बी. कारण मनीस चिंतता तें सदांच सादता अशें नासता.

दुर्ग्याक मात आपलें चली शारांतल्या कन्याशाळेंतच गेल्लें जाय आसलें. कारण शारांतली ही कन्या शाळा चल्यांभुरग्यांक बरी देख दिवन आदर्श गृहिणी निर्माण करपा खातीर आशिल्ली. भारतीय संस्कृतायेक चड म्हत्व दिताली ही कन्याशाळा. दुर्गे एका आदर्श शिक्षकाची धूव आशिल्ल्या कारणान, शीलाक तें कॉनव्हेंन्ट स्कुलांत घालपाक फाटीं-फुडें येतालें. तरी आपल्या घोवाक दुखोवचें न्हय म्हण तार्णे मारतें घेतलें. ल्हान वयांतच एका जगांतल्यान दुसऱ्या जगांत दांग मारची पडली शीलाक! अर्थात शीलाच्या शिक्षणाचे बाबतींत आवय-बापायचें एकमत्त जालें ना. आनी ताका लागून शीलाच्या जिविताचेर खुबशे दुशपरिणाम जावंक पावले.

गजेंद्रालो प्रस्ताव मानून घेवपाक दुर्ग्याच्या आवय-बापायन चार दिसांची मुदत मागून घेतिल्ली. तरी गजेंद्राक खात्री आशिल्ली की गुरूजी आपल्याकच जावंय म्हण पसंत करतलो. ताकाय कारण आसलें. गुरूजी कितलोय दुबावलो, कितलोय भोंवलो तरी गजेंद्राक वायट म्हणपी एक लेगीत व्यक्ती त्या शारांत आनी शारा भायर मेळपाक कठीण आसली. ताका लागून गजेंद्र गुरूजीचो जावंय त्याच दिसा पक्को जाल्लो. उरिल्ली ती फक्त 'हां' म्हणपाची फर्मालदाद!

हें खरें आसलें तरी गजेंद्राचें मन मात आयज चडच काचाबूल जाल्लें. ताका बापायच्या उतरांची याद जाली, 'गरिबांतली

गरीब जाल्यार चलता, सुशील चली पळोवन लग्न कर.' हीं तीं उतरां. हीं उतरां गजेंद्राच्या काळजांतल्या खंयच्या तरी कोनशाक कोवडो करून बशिल्लीं. ताकाच लागून ताणे दुर्ग्याची निवड केल्ली. आपली भावी घरकान्न म्हण! ताच्या रंग-रूपाक लागून न्हय, ती गरीब म्हणूनय न्हय तर ती एका सुविद्य शिक्षकाची धूव म्हण! तिजी नमळताय, शालीनताय, उलोवपाची रीत आनी उतरांतली ल्हानवीकाय, ह्या सगळ्या गुणांनी पिसो करून सोडिल्लो गजेंद्राक. ह्या गुणां मुखार ताच्या वाट्याक आयिल्ली पुराय गिरेस्तकाय मातीमोलाची दिसूंक लागली ताका. दुर्ग्याच्या रूपान घरांत सरस्वती प्रवेशची आनी मुळांत वास करून आशिल्ल्या लक्ष्मीच्या आदारान मसणरूपी आशिल्ल्या घराचें रूपांतर स्वर्गांत जावचें, अशें दिसतालें गजेंद्राक. पूण....?

कांय मनीस खूब चिंततात. तांच्यो येवजण्योय हिसबाभायर आसतात. त्यो येवजण्योय नेटान चालीक लागतात. पूण तांकां येश मेळटाच अशें मात नासता. हुशार, प्रामाणीक, कर्तुबी आनी नितळ मनाच्या मनशाच्या नशिबांत लेगीत खुबदां वायट वाडून दवरिल्लें आसता.

हांगा गजेंद्राविशींय तशेंच घडटा. आवयच्या पाड्या सोबावाक लागून ताचो बापूय केन्नाच संवसार सूख भोगूंक पावलो ना. बापायक आजो-आज्जे कडसून मेळिल्ले संस्कार आवयमुखार फिके पडटाले. तरी बापायवटयां मेळिल्ले सुसंस्कार थोडे तरी ताचे गांठीक आशिल्लेच. तांच्या आदारानच फुडें ताचो तिगाव लागसारको आशिल्लो.

आयजमेरेन कजाग आवयच्या चेपणाखाला गेल्ली बापायची जीण गजेंद्रान अणभविल्ली. ह्या अणभवान तो शाणो जाल्लो. ताणे थारायलें, कोणाचीच परवा करिनासतना स्वताक बदलपाचो. आवयन बापायक दिल्ल्या त्रासांचो बदलो घेवपाचें ताणें थारायलें. ते बगर ताका दुसरो पर्यायच नासलो.

गुरूजी गजेंद्राच्या बापायक बरेभसेन वळखतालो. ताचे गिरेस्तकायेची कल्पना ताका थोडीभोव आसली. पूण गुरूजी गिरेस्तकायेपरस चारित्र्याक चड म्हत्व दितालो. तो हेंय जाणा आसलो की बापूय चारित्र्यवान आसलो म्हण पुतय तसोच आसतलो, हें कोणाच्यान सांगूं येत?

गुरूजीन गजेंद्राच्या जिणेची खोलायेन चोवकशी केली. गजेंद्राचे जंय जंय संबंद आसले, थंय थंय गेलो गुरूजी. निमणे मेरेन गजेंद्राक वायट म्हणपी एकय मनीस मेळ्ळोना ताका. गुरूजीचें काळीज खोशेन भल्लें. मनात कसलोच दुबाव बाळगीनासतना आपल्या काळजाचो कुडको - दुर्ग्याक तो गजेंद्राक भेटोवंक एका पांयार तयार जालो.

गुरूजीक दिसलें, सोयरीक पक्की करूंक चार चोवगांक घेवन घरकान्नी सयत गजेंद्रागेर वच्चें. पूण गजेंद्राल्या घरांतली परिस्थिती ताच्या लक्षांत आयली. एकट्या गजेंद्राकडे उलोवपासारकें कांयच नासलें. उलोवप आदींच जाल्लें. आतां दोनय पक्षांचे प्रतिनिधी जावन, सुरांत सूर मेळोवन निमणें उतर पक्कें करपाचें.

आतां गुरूजीन दिल्ली चार दिसांची मुदत सोंपिल्ली. गुरूजीच्या वाटेकडे गजेंद्राचे दोळे लागून आशिल्ले. एकदां हयकाराचीं उतरां आयकून हुस्कोविरयत जावंक सोदतालो गजेंद्र!

ते दिसा आयतार आसलो. बंगल्यावेल्या चाकरमान्याक सुटी आसली. काशीबाय सक्काळींफुडें आपल्या मावसभावाकडे गेल्लें. बंगल्याकुशीचें सोबीत गार्डन गजेंद्राक वावरूंक मेकळें जाल्लें. आठवडोभर भायर कामांत गुंतून आशिल्लो कर्मचारी जसो आयतारा दिसा आपल्या सानुल्यां वांगडा खेळूंक वेळ राखून दवरता तेच परी गजेंद्र आपल्या गार्डनांतल्या फुलांखातीर एक-दोन वरां तरी राखून दवरतालोच. तेच नेमान आजय तो आपल्या आवडिच्या फूलझाडांची फाव तशी काळजी घेतल्या काय ना हाची पारखण करतालो. घरांत वोड-माया लावपा सारखीं मनशां नासतकच कांय मनीस सैम मोगांत पडटात. गजेंद्रालेंय हांगा तशेंच जालां.

फुलझाडांकडे मन गुतिल्लें आसतनाच गजेंद्राचें शितीद अचळय वाटेन येतल्या गुरूजीचेर गेलें. आपल्याक जावंय म्हण गुरूजील्या घराब्यान पसंत केलो, हें कळपाक गजेंद्राक कळाव लागलो ना. ताची मनकळी फुल्ली. तो ताकतीन फुडें गेलो. गुरूजीचे पायें दाराक लागतांच गजेंद्रान नमळतायेन ताका येवकार दिलो. ताचे चरण स्पर्श करून हात आपल्या कपलाक लायलो. मागीर ताका आदरान व्हरून सोफार बसयलो. घरांत वावराडी आसली, तरी ताणे स्वता घरांत वचून उदका पेलो हाडून थंयच्या मेजार थेयलो. मागीर आज्ञाधारी विद्यार्थ्यां प्रमाण, गुरूजीच्या चेऱ्याकडे उत्सुकतायेन पळेत उबो रावलो.

''गजेंद्रबाब, हांव येवपाचें कारण कळ्ळें आसतलें तुमकां.'' हातांतलो रिकामो पेलो मेजार थेयत गुरूजी उलयलो.

''ताची कल्पना आयली म्हाका.'' चेऱ्यावयली खोशी लिपयनासतना गजेंद्रान जाप दिली.

''आमी आमच्या अपुरबायेच्या दुर्ग्याचो हात तुमच्या हातांत सोंपोवपाचें थारायलें.''

''तुमचे धुवेक हांव सुखान दवरतलों. केदेंय व्हडलें संकश्ट आयलें तरी ताचें सांवट हांव दुर्ग्याचेर पडूंक दिवंचो ना.''

''म्हाका ताची पुराय खात्री आसा. पूण म्हजें मन तुमचे आवयकडे दोन उतरां उलोवचीं अशें सांगता.''

''ती घरांत ना गुरूजी. आनी आशिल्ली जाल्यार लेगीत ती म्हज्या लग्नाविशीं तुमचेकडे कांयच उलोवंक तयार जांवंची नासली. ताचें कारण हांवें तुमकां आदींच सांगलां.''

हें सांगता आसतना गजेंद्राचें मन चडच अस्वस्थ जाल्लें. आनी कित्याक जावचें ना? येद्या व्हडल्या गिरेस्त आनी सुशिक्षीत मनशाचेर आपले आवयचेर कोंत्र उलोवपाचो प्रसंग आयिल्लो. हें सगळें ताच्या मनाविरूध्द घडटालें. ताका लागून ताचीं सगळीं गात्रां आतां अथीर जाल्लीं. काळजांत धडधडो भल्लो ताच्या. दोळे तांबशेले. गळो घरघरलो. आवाज कातरलो. तो रडपाक पावलो. तरी ताच्या दोळ्यांतल्यान एकय दुखाथेंबो गळ्ळोना. सगळ्या भावनांचेर नियंत्रण दवरून, गुरूजी सामकारा धिरान उबो रावलो गजेंद्र.

गुरूजी अणभवी आनी प्रशिक्षीत शिक्षक आसलो. ताका ल्हाना-व्हडांचें मानसशास्त्र कळटालें. ताका गजेंद्राची अस्वस्थताय जाणवली. असल्या वेळार आपणे चड उलोवप सम जावचेंना म्हण ताणे गजेंद्राचो निरोप घेवपाचें थारायलें.

''बाबा, आमचें उतर आतां पक्कें जालें अशें मानपाचें न्हय?''

''हय गुरूजी!'' हयकार दितना चेऱ्यावयल्यो सगळ्यो भावना गजेंद्रान खिणात पयस केल्यो.

''तशें जाल्यार आतां हांव वतां. घरच्याकडे उलयतां. भटागेर वचून म्हुर्त खंयचो बरो आसा तो पळेतां. मागीर घरकान्नीक घेवन येतां फुडलीं उलोवणीं करपाक.'' अशें म्हण गुरूजी वचपाक उठलो.

''थांबात गुरूजी, लग्नसुवाळो थारावपाक खासा मेळपाची व्हडलीशी गरज ना आमकां. तुमकां वेळ मेळटा ते प्रमाण रेजिस्त शिविलांत वचून कायदेशीर रेजिस्ट्रेशन करूया. उपरांत दोगांल्याय इश्टमित्रांक आमंत्रीत करून, एका देशेंत सभाघरांत स्वागत समारंभ करूया. तुमी कसलीच काळजी करूं नाकात, सगळें हांव पळेतां.'' गजेंद्र निरागसपणान सगळें उलोवन गेलो.

''तें जायत रे बाबा! पूण मानपान, रीतबात, देणे-घेण्याची उलोवणी वेळार जाल्यार बरीं न्हय?'' गुरूजीन आपली चिंता उलोवन दाखयली.

''गुरूजी, मानपानाचें कितें घेवन बसतात तुमी? आतां काळ बदल्ला.''

''हय रे बाबा, पूण आमच्या घरच्यांची आनी सोयऱ्यां-धायऱ्यांचीं मनां सांबाळपाक जाय न्हय? तुमच्यो अडचणी आयल्यो म्हज्या लक्षांत. उप्रासिल्ल्यो अडचण्यो पयस करून कितें बरें घडटा जाल्यार घडूं दी! कितें म्हणटात?''

''म्हजी कांयच हरकत ना. देण्या-घेण्याविशीं म्हणशात जाल्यार म्हाका तुमचेकडच्यान कांयच नाका. आतां म्हजेकडच्यान तुमची कितें अपेक्षा आसत तर उलयात.''

गुरूजी केदो वेळ गजेंद्राच्या तोंडाकडे पळेत रावलो. आपल्याच लग्नाविशीं कितेंच लिपोवन दवरिनासतना, सडसडीत उलोवपी तरणाटो गुरूजी पयलेच फावट पळेतालो. गुरूजीन भावी जांवयाच्या मनाचो थाव घेतलो. आपल्याक सरळ आनी उकत्या मनाचो जावंय गावता म्हण ताका भोव बरें दिसलें. ईश्वर मनशाचें मन पळोवन धन दिता म्हणटात हाचेर गुरूजिचो विस्वास बसलो.

गुरूजी गजेंद्राकडे उलोवणी करून खोशयेन घरचे वाटेक लागलो. वतना ताणे हेंय थारायलें, लग्न व्हडा दबाज्यान करतलो जाल्यार न्हवरेकाराचीय भुमिका आपल्याकच वटवची पडटली.

सोयरीगत पक्की जाली खरी, गुरूजी खोशयेन गेलो खरो. पूण फाटल्यान गजेंद्राचे अस्वस्ततायेक आतां चडचड भरतें आयलें.

येत्न करूनय ताचें मन कशेंच थाऱ्यार उल्लें ना. धडधाकट तरणाटो तो. तरी ताच्या गात्रांतलें बळ खंयच्या खंय नाच जालें. तो स्वताक सावरूंक शकलो ना. ताकतीकेन सालांत गेलो. थंयच्या गुबगुबीत सोफाचेर ताणे घालून घेतलें.

घडूंक जाय तें घडना, अशें जेन्ना मनशाक दिसता, तेन्ना तो गोंदळटा. ताची विचारशक्त मंदवता. वक्तार आपूण एकटो पडिल्ल्याचो भास ताका जाता. ताका कोणाच्याय तरी आदाराची गरज भासूंक लागता.

तशें पळोवंक गेल्यार गजेंद्र एकटो नासलोच. आतीं, आतेभाव-भयणां, बापोलभाव-भयणां, मामा, मामेभाव, इश्ट-मित्र घेऽ म्हण आसले ताका. उलो मारपाचीच फुरसत. वायट-बऱ्याक फाटलो-फुडलो विचार करिनासतना धांवून यो सारके आसले. पूण आतां ताणे मुजरत सगळ्यांक पयस दवल्ले. कारण ताका खबर आसा, आपल्याहून चड पेजाद आसा ती आपली आवय-काशीबाय! दुडवांनी आनी अधिकारांनी तिचें दालें जड आसाच, ते भायर ती उतरांनीय खर आसा. ताका लागून सट करून कोणय तिचे वाटेक वचूंक भियेतात. आतां ती पुताचेर रागार आसा म्हणटकच तिका सोडून गजेंद्राक लागीं जावप म्हणल्यार व्हड संकश्ट वोडून घेतल्या सारकें जावप. गजेंद्राकय आपल्या आवय आड सोयऱ्याधायऱ्यांची फौज उबी करप नाका आसलें. ताका लागून ताणे आयिल्ल्या प्रसंगाक आपणेच तोंड दिवपाचें थारायलें. मात ताणे फक्त आपलो इश्ट-मंगेशाचो आदार घेवपाचें चिंतलें.

ह्याच मंगेशाक घेवन तो सुर्वेक गुरूजीच्या दारांत गेल्लो, ताचे धुवेक मागणी घालूंक.

कांय मनीस आपले जीणेत थीर आसतात. उतराचे पक्के आसतात आनी असलेच मनीस जल्मभर जबाबदारकेन वागतात. कोणाकय दिल्लें उतर मोडचें म्हणल्यार तांच्या जिवार येता.

गजेंद्रालेंय तशेंच आसलें. गुरूजीक ताणे ताचे धुवेकडे लग्न जावपाचें उतर दिलें, तेन्नाच तो आपलें लग्न जालें अशें समजूंक लागलो. कारण लग्न मोडपा सारकी कसलीच खोट तांच्यांत नासली. गुरूजीचो घराबोय सुशिक्षीत आनी समजीकायेचो. तेन्ना एकामेकाचेर पक्को विस्वास. ह्या विश्वासानच आतां गजेंद्र-दुर्गाचीं मनां एक जाल्लीं. जल्मभर एकठांय रावपा खातीर!

गजेंद्राक आतां आपूण लग्न बंदनांत पडलो हाची पुराय खात्री जाल्ली. ताकाच लागून तो जबाबदार तरणाटो अस्वस्त जाल्लो. आतां देव-धर्माच्या कायद्यान, भट-बामणाचे साक्षेन घरलक्षिमी दारांत येतली. तिजें स्वागत करपाक, तिका येवकार दिवपाक, आपलोसो मायेचो हक्काचो कोणय आसूंक जाय, ही जाणविकाय गजेंद्राक अस्वस्त जावपाक कारणीभूत जाल्ली. बापूय आशिल्लो जाल्यार, ताच्या आशिर्वादान सगळें ठिकठाक जावपाचें. आवयकडल्यान कसल्याच बरेपणाची तो अपेक्षा करूंक शकनासलो. तिच्या मावसभावाच्या चलयेकडे तो लग्न जाल्लो तर मात ती आपल्याकडे आशिल्लें-नाशिल्लें सगळें पुताचेर ओवाळून उडोवपाक एका पांयार आसतली आसली. तिच्या मनात आयिल्ली गजाल पुर्णतायेक व्हेल्याबगर तिका सुशेग लागनासलो. ती एकदां हट्टाक पेट्टकच आपल्या-पेल्यांक सगळ्यांक विसरताली.

गजेंद्राक हेच गजालीचें आतां चड पिकासांव जाल्लें.

साधु-संत आवयांचें व्हडपण गायत आयिल्ले आसात. पूण सगळ्योच आवयो ह्या व्हडपणाक पात्र आसतता अशें मात काशीबायच्या देखीवेल्यान म्हणप सम जावचेंना. कांय आवयांक आपलो सुवार्त आनी हट्ट आपल्या भुरग्यांपरस चड म्हत्वाचो दिसता. काशीबाय तांतली एक आसली.

आवय-बापूय आपल्या भुरग्यांचें हीत लक्षांत घेवन तांकां सुदारपाचो येत्न करतात. तांचें तें कर्तव्य आनी हक्कय आसता. पूण पिशे आनी अशिक्षीत आवय-बापूय जेन्ना शाण्या भुरग्यांचेर आपलीं पिशेपणां लादूंक सोदतात, तेन्ना भुरगीं आवय-बापाय पासून पयस वचूंक सोदतात. हांगांय गजेंद्र आपले हट्टी आनी 'ग'ची पिडा बादिल्ले आवय पसून जाता तितलो पयस रावंक सोदता. तातूंत तो चुकता अशें कशें म्हणू येत?

गजेंद्र आपले आवयक सुदारपाचे भानगडीक केन्नाच पडलोना. गरज आसुनय बी. आनी तसो येत्न केल्लोय जाल्यार ओमथ्या कळशार उदक जातलें, हाची पुराय कल्पना आसली ताका.

गजेंद्राक दिसतालें, कसलेच बाबतींत आपणे आवयक दुखोवची न्हय. ती चुकली तरी ती आवय म्हण तिचे पांय धरचे. तिचें मन वळोवचें आनी कोणायभशेन तिचे आशीर्वाद घेवचे. पूण हें जेन्ना शक्य ना अशें ताका दिसलें, तेन्ना ती ताचे नदरेंतल्यान कायमची उतरली. आवय जेन्ना आवयचीं कर्तव्यां विसरता तेन्ना ती भुरग्यांक शिणूंक शकना.

(चलता)

- नं. ध. बोरकार
मास्कारेन्हस वाडो,
व्हडलें - गोंय
फोन : २२१८१४७

भेसड

सुपाल आनी सांतेमळ ह्या दोन गांवांमदीं एक मसंड आसा. हरशी दोनय गांवांमदीं येवपा-वचपाक बरी सुवात आसा. फकत मदीं एक व्हाळ लागता. पुणून लोक घुवोन पयसुल्लेवाटेन वतात. ती मसंड आसा म्हण न्ही तर मदले शिमेर एक व्हडलो सांतोणाचो रूख आसा. बरोच उंच आनी आंगानय मोठो. लागिसराक तेदें व्हड-मोठें झाड आनी एकूय ना. त्या झाडाक लोक भितातूच, सरकारानूय भियोन लोकांक जाय म्हण रस्तोय वाकडोच केला. कारण तो रूख सांत्यादेवचाराचो. आडेकडेच्या लोकांचो पुराय भावार्त, की त्या सांतोणाचेर देंवचार आसता. तो उमाशे-पुनवेक नकलामी करता. ताज्या आसतेपणाच्यो आनी रागाच्यो गजाली आयज मेरेन लोक भियत, भियत करीत आयल्यात. एकएकदां वांगडाच तिशेक कोनग्यांचे पोळे लांबतात. डब्यानी म्होंव पिकोवन मूस वतात. पुणून कोणूच हात लायना.

फाटल्या शंबर वर्सांत तर ताणेन कितलेशाच जाणांक लिपयल्यात. उपरांत बरें देवस्पण करतकच कांय जाणांक सोडले, कांय जाणांचीं खंयतरी मडीं मेळ्ळी जाल्यार कोण खंय आजुनय मेळुना. असोच देंवचारान लिपयल्लो तो दत्तू सांगता, ताका खंय सात दीस वयर सांतोणाचेर लिपोवन दवरिल्लो. कोणतरी कांबळीकार ताका भरपूर खाण-जेवण हाडून दितालो. सकयल लोक आपल्याक सोदीत भोवतात, हेंय तो पळयतालो. गोरवां, म्हशी सगळें ताका दिसतालें. पुणून तो खंय कोणाकूच दिसनासलो. तो उलो करतालो, पुणून आवाजूच फुटनासलो. सकयल देंवतलो म्हणल्यार हातूच हालनासले.

आनी तो पलतडचो बोमोय अशेंच सांगता. खूब खूब खाल्लें म्हण्टा. पुणून जेन्ना घरा परतले तेन्ना तांची गत पळोवपा सारकी नासली. हाडान हाड दिसतालें.

अशो ह्यो तरेतरेच्यो गजाली. मनशांवरी गोरवांकय लिपयता. ताचेविशीं वांकडे उलयता, ताच्या नांवान लटकी शपत घेता वा कसलेंय मान-पान चुकयता ताका तो ख्यास्त केले बगर रावना. भंयान त्या सातोणाच्या मुळान कोणूच वचना. चुकून नदर लेगीत पडल्यार आपले पोले फोडून घेता असो तो भिरांकूळ सांतोण आनी ताजेवेलो देंवचार. पुणून संकश्टावेळार 'आज्या' म्हण उलो मारल्यार तो पळयतलोच म्हणपाची प्रत्येकाक खात्री आसा.

पुणून सांतेमळार बाबी नांवाचो एक णवी शिकपी भुरगो आसा. ताका हीं सगळीं फकाणां दिसता. ताजो सर सांगता खंय, भूत, देंवचार ह्यो सगळ्यो मनाच्यो कल्पना आनी भित्र्या मनशाच्यो जाणवायो. तो दोन-तिनदां त्या सांतोणाच्या मुळार वचुनय आयला. तेन्ना ताका त्या रूखार वा रूखामुळांत कोणतरी रावता म्हणपाचो भाग मेळ्ळा आनी तोय दुबावला. खरेंच देंवचार थंय आसना मूं? जर तशें आसत जाल्यार आपली चूक पडटली. मागीर किदें जायत तें सांगूं नजो.

तरी तो भिलोना. किदेंतरी येवजून आपल्या एका इश्टाक फुसलोवन तेवटेन घेवन गेलो. पुणून अदमास येतकच तो इश्ट ताका कसलें तरी निमित सांगून पळून आयलो. बाबी तसोच मुखार गेलो. पयलीं पयसुल्ल्यान त्या रूखाक बरो नियाळ्ळो. लांबच्या लांब उंच धव-धवशें झाड. व्हडल्या खोडाक तेक्कून मुळांतसून आनी एक बारीक फाटो वयर मेरेन गेला. वयर चडटलो जाल्यार त्या फाट्यावेल्यान चडपाक सामकें सोपें. इल्लो इल्लो तो लागीं गेलो. सामको मुळांत पावलो. हरशी लोक पयसुल्ल्यान लेगीत ताजेर नदर पडल्यार चूक मागतात आनी हो तर ताळ ते मूळ बारिकसाणेन नियाळटालो.

ताणेन पळयलें, मुळाचें खोड बरेंच मोठें आसा. मुळान घोलिश्यो आसा आनी मदींच खोडांत धोलशी आसा. म्हणजेच झाडार कसली तरी सावदां रावतात. साळ,

मुंगसां, गार वा आनी कोणय. लाग्गी वचून खोडाक लागिल्लीं नाखटां पळयलीं. कोणाची काय? ताणेन खात्री केली, गारूच आसपाक जाय. इतल्यान कुशिंतल्यान कसलो तरी व्हडल्यान 'सोरो सोरो' करून अस्कडी आवाज येवपाक लागलो. ताणेंन वांगडाच आंग काडलें. तसोच धावन दिसना असो लिपलो. पळय जाल्यार दोगां व्हडलीं मानगीं कशीं गारां एकामेकाचे फाटीक लागिल्ल्यावरी धांवत आयलीं आनी एकदम सांतोणार चडलीं. ताका सूऽ जालें. ताणेन चिंतलें, हे सुवातेर तीं गारां आसात म्हणूनच येदीं मोठीं जावपाक पावलीं. नाजाल्यार कोण केन्ना तांकां मारून खातलो आसलो म्हण देव जाणां.

उपरांत ताणेन ही गजाल जायत्या जाणांक सांगली. पुणून कोणूच ताजें सत मानपाक तयार जायनासलो. थंय पांच-स तरी गारां आसात. साळीन मुळार शेण काडिल्लेवरी सामकें निव्वळ केलां. जाय जाल्यार आत्तां तुमकां दाखयतां अशें जायतें ताणेंन सांगलें. पुणून ताणीं ताका वेल्यान पिशांत काडलो.

''आरे शाण्या, तीं गारां-बिरां कोण न्ही, येदीं व्हडलीं गारां कोणेन पळयलां? तीं देवचाराचींच रूपां आसपाक जाय. नाजाल्यार तुकां भुताटकी बी जाल्या आसतली. तुजेर झपाटो घालुना हें तुजें नशीब समज.''

तरी तो भिलो ना.

पयलीं त्या गांवांनी थोडीं-थोडींच घरां आसलीं. म्हणून पयस कशें दिसतालें. पुणून आतां घरां वाडिल्ल्याक दोनयवशीं सांतोणाकडेन पाविल्लीं. हेर झाडांय उणी जाल्लीं.

एक दीस व्हाळाक बंधारे बांदपी कांय कामगार येवन थंय लागिचशे राविल्ले. तांचीं जीं भुरगीं आसलीं, तीं खेळत त्या सांतोणामेरेन पावतालीं. हळशिकय करतालीं. कांय मानाय तर बरी सावळी म्हण दनपारचे मुळांतच न्हिदताले. बाबीन तें पळयलें आनी मेळत ताका आपली बाजू पटोवन सांगपाक लागलो. पुणून वेल्यान ते ताका सांगपाक लागले, ''ते घाटी लोक. तांकां हांगच्या देवा धर्माचें किदें खबर आसा? जेन्ना बादतलें तेन्ना कळटलें.''

उपरांत ते कामगार आपलें काम सोपोवनय गेले. पुणून कोणाकच कसलो बादिकार जाल्लो आयकूंक येवना. उमासूय गेली आनी पुनवूय गेली. पुणून एक मात खरें; जे दिसा ताका देंवचाराचो भंय घातिल्लो, त्या दिसाच्यान मात ते पयस रावपाक लागिल्ले.

बाबीक मात तो प्रस्न आजुनय अस्वस्थ करतालो. तेन्ना लोकानी ताज्या बापायक सांगलें, ''तो झपाट्याक सापडला. तेन्ना कोंबो मारून ताका विबूत लावपाक जाय. त्या बगर तो निवळचो ना.''

तें आयकून तो घराकडल्यांक चडूच विरोध करपाक लागलो. ''हीं सगळीं फकाणां, कुड्डेपणां'' हें त्या अडाण्यांक पटोवन सांगतना जणू काय ताजेर भार येतालो. तो तांकां जाय तशें कांयच करपाक दिनासलो. तेन्ना मात घरचीं भियेलीं. लोक सांगता तें तांकां खरेंच कशें दिसपाक लागलें. घरांत घाडी खुदयलेबगर पर्याय ना अशेंच तांकां दिसलें.

हेवटेन हो आपल्या घरच्यांक फितलायता म्हण चडूच बेजार जालो. निमाणे घासाघीस करतां-करतां तो पैजेचेर पावलो. ताणेन सांगलें, आपूण त्या सांतोणाचेर चडून दाखयतां. तुमी किदें दितले तें सांगात. तेन्ना जायते जाण तयार जाले. तशें ताका उब्या झाडार बरें चडपाक कळनासलें, पुणून पैजेखातीर ताका झाडार चडपाकूच जाय आसलें.

ताणेन किदेंतरी चिंतून पैजेची वस्त बदल्ली आनी आपूण ते पैजेच्या बदला कितेंतरी सादी गजाल करपाक लायतलों, ती करची अशें ठरलें. तेन्ना जायते जाण तयार जाले. कांय जाण ताका पिशेंच लागलां, वारेंच भरलां, ताजें कांयच आयकुनाका अशें म्हणटाले. पुणून पैजेक पेटिल्लो मनीस फाटीं सरता?

दुसरे दिसा इश्कोल सुटल्या उपरांत, चारांक सुमार सगळे जमले. आनी ते सुवातेर वचपाक लागले. थोडे भंयान फाटीं रावले. थोडे ताजे वांगडा गेले. पुणून सांतोणाकडेन पावतकच बाकिचे कुशीक पयसशे रावले. बाबी मात नीट झाडामुळांत गेलो आनी मात्सो भंयानसो वयर सकयल बारीक पळोवपाक लागलो. देंवचाराच्या भंयान न्हय, तर इतल्या उंच झाडार तो केन्नाच चडूंक नासलो. माडारय चडूंक नासलो. मागीर ह्या लागी खांदे नाशिल्ल्या सरळ झाडाचेर आपणाच्यान चडपाक जातलें काय किदें. ह्या दुबावान ताजो जीव मात्सो वयर-सकयल जावपाक लागलो. तरीय ताणेन निश्चेव केल्लो. कितलेय त्रास जाल्यार जाता. वयर चडपाक जाता तितले मेरेन तरी चडटलोंच.

कशें कशें चडपाक सोपें पडटलें हाचो अदमास काडून तो चडत रावलो. पुणून अर्दकाक पावतकच थंयच उरलो. ताज्यान वयरूय चडपाक जायना आनी सकलूय देवपाक जायना. हात-पांय सामके भरून आयिल्ले. बाकिचे सकयल रावन एकामेकाक आबूज जाल्लेवरी पळयताले. बाबी कडकडटा-थरथरता, ताजेर कसलें तरी संकश्ट आयलां, अशें ते उलोवपाक लागले. थोडे ल्हवू-ल्हवू पळपाकय सोदताले. इतल्यान तो परत चडपाक लागलो. हरशी ताज्या पोवटानी, जांगडानी कळ येताली. संवय नाशिल्ल्यान शक्त सोपिल्लेवरीं दिसतालें. तरी तो दम धरून चडत आसलो. कळो सोसू नजो जावन दोळ्यांत दुकां येतालीं. हात-पांय तुटिल्ल्यावरी जाल्लें. पुणून करतलो किदें हात-पांय सदळ सोडल्यार समतो जमनीर पडटलो आनी मागीर परत सगळ्यांक निमित मेळटलें; बाबड्याक देवचारान सोपयलो. तसोच ताणेन नेट केलो आनी एकदाचो लागी आशिल्ल्या खांद्याच्या आदारन त्या खाकोळांत बसलो.

तेन्ना वांगडचे सगळे एकामेकाक पळयत रावले.

बाबी उमेदीन नेट्टान आड्डलो, ''आरे, विठू, शांत्या, सगूण, पळया-पळयात, हांव सांतोणाचेर चडलां. मागीर मात ना म्हणशात.''

''बरें बरें, पुरो. देंव आतां.'' कोणे तरी सांगलें. पांय खूब जड जाल्ले. शिणशिणटाले. चलपाकय जाय नासलें. तें पळोवन दादू उलयलो,

''आतां चार दीस तरी आंग दुखतलें. उब्या झाडार चडपाची संवय नासतकच अशेंच जाता.''

पुणून बाबीक आतां खेरिदूच उमेद जाल्ली. आपणे कसलो तरी व्हड पराक्रम केला, उलयल्लें खरें करून दाखयलां. हे खोशयेन ताजीं दुखखां खंयच्या खंय नाच्च जाल्लीं.

तो पैज जिकिल्लो. तो आतां सांगता तें ताणीं करपाक जाय आसलें. पुणून बाबी जाणा आसलो, पैजी प्रमाण आपूण सांगता तशें ते करचेना, आनी तांच्या मनांतलो देंवचाराचो भंयूय वच्चोना. त्या खातीर ताणेंन तकली लडयली आनी तांका म्हणपाक लागलो-

''तुमकां सांगिल्लें त्या प्रमाण हांव सांतोणार चडून देंवलों, आनी पैज जिकलों. आतां हांव सांगतां तें तुमी करपाक जाय. सांत्या-देंवचाराचो तुमी सोपूत घेतला, तशें करिना जाल्यार परिणाम किदें तो तुमकां खबरूच आसा.''

''बरें बरें, सांग तूं किदें करपाचें तें?'' शांतो नेटान उलयलो.

''हांव जसो सांतोणाचेर चडिल्लों. तशें तुमी चडपाचें.''

तें आयकून सगळे वगीच पडले. वांगडाच तांचीं तोंडां धवीं पडलीं.

तें पळोवन बाबी म्हणपाक लागलो, ''तुमी म्हाकां देंवचाराच्या नांवान उतर दिलां. आतां मुकार किदें करपाचें तें तुमीच थारयात.''

''आरे, हय रे. आमी किदें ना म्हणलां. उब्ब्या नाण्यार चडून पोयें फोडपी मनीस मरे हांव, थंय हो सांतोण खंयचो?'' अशें म्हणून विठू चानी कशी तुरूतुरू चडलो आनी रोखडोच देंवलो.

उपरांत बाकीचेय चार-पांच जाण चडून देंवले.

केन्ना सांतोणाचें मूळ पळोव नाशिल्लें. पुणून आयज पयलेच फावट सगळे ताज्या पोंदा आशिल्ले. साळिचे, गाराचे माग पळोवन गजाली करताले. इतल्यान तांचो बोवाळ आयकून वयर आशिल्लें एक व्हडलें गार सकयल देंवन अस्कडांत नाच्च जालें. सगळ्यांनी धांवपळ केली. पुणून तें अस्कडी शेम्यांत खंय लिपलें तें कोणाकूच दिसलें ना.

उपरांत सगळे गांवांत परतले. आयज जणूं काय ताणीं एक व्हड झूज जिकिल्लें. आनी बाबी त्या पंगडाचें फुडारपण करतालो.

घरा-घरांत एकूच चर्चा. एकूच बोवाळ. कोण भंय घालताले. कोण चूक जाल्या म्हणटाले. कोण तवनासपणां म्हणटाले. बादिकार जातलो. भोगचें पडटलें. गांव त्रासान पडटलो. अशे जायते तरेन भेसडायताले. पुणून थोड्यानी काना-मनार घेतलेंच ना. कांय जाण मात भिले. विबूत बी लावचें पडलें. सगूणाक तर समतोच जोर आयिल्लो. पुणून बाकिच्यांक कोणाकूच कांय जांवना हें कळटकच ताजो जोर आपशींच देंवलो.

करतां करतां सांतोणार देंवचार बी कोण रावना हो विचार मुकार येवपाक लागलो. बाबी जिकतालो. गांवचो हिरो जातालो. नवे पिळगेचो फुडारी जातालो.

अशेंच एका हॉटेलार उलयतना मात्शें कोपाचें घेतिल्लो आनी आदीं देंवचारान लिपयल्लो शाणू उलयलो, ''आरे किदें जालें जाणां; घाटार गेल्लेकडेन एका लफड्यांत घुस्पलो आनी चार दीस पुलिशेंत उरलो. हांव खंय आसलों तें कोणाकच खबर नासलें. पुणून जेन्ना आयलों तेन्ना म्हाकां देंवचारान सोडलो म्हण खोशी मनयताले. हांवय लज नाका म्हण वगीच रावलों. मागीर लोक म्हण्टा तेंच म्हणपाक लागले, देंवचारान लिपयलो...''

❀❀❀

– रामनाथ गावडे
मोलें, व्हाया,
कुळें-गोंय ४०३४१०
फोन : २६१२३१०

एक दीस.....

सावयवेरे - मांडवी न्हंयचे देगेवयलो सैमान नटिल्लो गांव. म्हजे मांवाचो जल्म थंयच जाल्लो. थंय आमचें पोरणें घर आसा. ते दिसा आयतारा सावय भाटांत आमचें पाडप आशिल्लें. आदले दिसा म्हजे भाचयेचे मांव आनी मांय नरेंद्रबाब वागळे आनी माधवीबाय मुंबयच्यान गोंयांत आयिल्लीं. नरेंद्रबाब हे वेवसायान केमीकल टेकनोलोजिस्ट. अखिल भारतीय ग्राहक मार्गदर्शन संस्थेचे ते आसले अध्यक्ष. 'किमत' ह्या म्हयन्याळ्याचे ते सात वर्सा संपादक आशिल्ले. तांचो जल्म सावयवेऱ्या जाल्लो. नात्यान ते मनोहरबाब सरदेसायांचे मामा लागतात. मनोहरबाबाच्या आवयचे ते सख्खे बापोलभाव. मनोहरबाब नरेंद्रबाबापरस १० एक वर्सांनी व्हड पूण ते तांका मामा म्हूण उलो मारताले खंय!

नरेंद्रबाबाच्या बापायचें पणजे महालक्ष्मी देवळालागीं घर आशिल्लें. घरांत खूब कुटुंबां आशिल्लीं. नरेंद्रबाबाचे बापूय ल्हान वयांत गेले. घरच्यांनी तें घर विकलें आनी घरांतलीं कुटुंबां दुसरेकडेन खंय खंय रावपाक गेलीं. ते खातीर नरेंद्रबाबाचें गोंयांत येवपाचें कमी जालें. लागींलागीं बंदच जालें म्हणल्यार जाता.

नरेंद्रबाबाची एक मावळण खंय मनोहरबाबांच्याच घरांत दिल्ली. नरेंद्रबाब पोटांत आसतना तांची आवय सावयवेऱ्यां नणदेगेर रावपाक आयिल्ली. नणदेक एकूच चली. घरांत जल्मल्ले तिचे चले भुरगे वाचू नाशिल्ले. नरेंद्रबाबाच्या जल्माच्या वेळार तिका कितें दिसलें कोण जाणा, आपल्या भावागेर चलो जालो आनी तो वाचलो ना जाल्यार, तिणे नरेंद्रबाबाच्या आवयक शेजारच्या कामेऱ्याल्या खोपींत व्हेली. थंयच तांचो जल्म जालो. ताणी ल्हान आसतना एकदां आवयक विचारलें खंय, आई हांव खंय जल्मल्लों गे? आवयन सांगलें तूं सावयवेऱ्या एके खोपींत जल्मल्लो. मागीर ते बारा वर्साचे आसतना आवय-बापूय तांकां घेवन वेऱ्या सरदेसायांगेर आयली आनी तांकां ती खोप दाखयली. हे खबरेक ६०एक वर्सां जालीं. आतां गोंयांत आयिल्ले आसतना एकदां सावय-वेऱ्या वचून तो जागो पळयन सो दिसता अशें ताणी आपले वेणीक, म्हळ्यार म्हजे नणंदेक सांगलें. जिस्तूच आमचें पाडप आशिल्लें. तेच दिसा ताणीय सावय-वेऱ्यां येवपाचें थारयलें. मनोहरबाबांचें घर पळोवपाक मेळतलें म्हणून हांव भाटांत वचनासतना अनंताच्या देवळाकडेन देवलें. सकाळचीं १०वरां जाल्लीं. देवळाच्या चारी वटेन उदक आसा. देवळांत काळ्या पाशाणाची अनंताची मूर्त. अभिशेक चलतालो. फाटल्यान ल्हान उत्सवमूर्त. देवळांत बसतकीच थंडगार दिसलें. आशीकुशीक कुळगरां. मडगांवच्या रखरखांतल्यान आयिल्ल्यान ही थंडाय चडच जाणवताली. देवळांत लाकडाचे कोरांतिल्ले सोबीत खांबे आसात. एका खांब्यार तर विष्णूचे दशाअवतार कोरातल्यात. देवळाचे कुशीक दोन तळयो. तळयो चिऱ्यांनी बांदल्यात. देवपाक सोपणां. दत्तराजाक घेवन सकयल देवलें. भितर पिट्टोळ बी असलीं बारीक बारीक नुस्तीं भोवतालीं. पायांकडेन हुळहुळूंक लागलीं. वयर येवन पिंपळाच्या पेडार बसलीं. पिंपळ वाऱ्यान सळसळतालो. वाऱ्यान पानां सकयल येवन पडतालीं. सुकिल्लें झिरझिरीत जाळी जाल्लें पान म्हजे पायांकडेन पडलें. पानांचे जाळयेन म्हाका भुरगेपणांत व्हेलें. आमी पिपळाचीं पानां पुस्तकांत घालून दवरतालीं. ताका सुकून जाळी पडली म्हणतकीच एकमेकांक दाखयतालीं. हावें तशें दत्तराजाक सांगलें. ताणें आपल्या पुस्तकांत दवरपाक कितलींशींच पानां एकठांय केलीं. तळयेकुशीक भुरगे क्रिकेट खेळताले. तांचो बॉल परतो परतो तळयेंतल्या उदकांत पडतालो. पूण तळयेंत देवनासतना ते बॉल भायर काडताले. एक एक फातर घेवन ते बॉलाच्या आयल्यान शेवटीताले. उदक हालतालें. बॉल मात्सो फुडें वतालो. मागीर तळयेच्या दुसरे वटेन वचून बॉल बडयेन लागीं हाडटालो. एकदां तर बडीय भितर पडली. पूण ताणी खंयच्यान तरी दुसरी बडी फैदासून हाडली आनी बॉल आनी बडीय काडली. थंयच्या सैमीक वातावरणांत एक वर कशें गेलें ते कळलेंच ना.

नरेंद्रबाब थंय येतकीच आमी सरदेसायांच्या घराकडेन गेलीं. नरेंद्रबाबाचो जल्म जाल्लो ते खोपीचे जाग्यार सिमिटाचें

घर उबें आशिल्लें. सरदेसायांच्या घरांत पावनाफुडें नरेंद्रबाबाच्यो ६० वर्सांपयलींच्यो यादी ताज्यो जाल्यो. हे चवकेर आपूण खेळिल्लों, हे वासरेर बसून आपूण पेज जेविल्लों. हांगा रांदची कूड आशिल्ली. थंय सरदेसायांल्या घराण्याची वंशावळ बरयल्ली दिश्टी पडली. घराण्याचे मूळपुरूस नारायणराव धरून ते मनोहरबाबांच्या नातवामेरेनचीं नांवां वंशावळींत बरयल्लीं पळोवपाक मेळलीं. घरांतल्यान भायर सरतना आपूण आनी हांगा परतो पावत सो आपणे केन्ना धरू नाशिल्लें. नरेंद्रबाबान भितर पळयत म्हणलें.

वेरेच्यान आमी सावय आयलीं आनी आमच्या भाटामुखार आशिल्ल्या दत्तमंदीरांत गेलीं. कुळागरांत मदीं आशिल्लें हें सुपुल्लें देवूळ आनी देवळांतली बाल दत्तात्रयाची मूर्त: म्हणूनच हें देवूळ गोंयच्या हेर दत्तमंदिरापरस वेगळें दिसता. देवळाच्या भायर रंगयल्लीं चित्रां. अनुसुयान ब्रह्मा, विष्णू आनी महेश हांचें ल्हान भुरग्यांत रूपांतर केल्लें तें चित्र, अनुसुया बाळकांक दूद पिवयता तें चित्र. चित्रांचें वर्णन करपी संस्कृत श्लोक मन प्रसन्न करता. रस्तो क्रॉस करून सकयल देवलीं. भाटांत पाडप सुरू आशिल्लें. कुशीक मांडवी न्हंय मंद व्हांवताली. ताचे देगेर बसून आडसराचें उदक पियेलीं. कातली खाली न्हंयतल्यान बार्जी वतात त्यो पळयल्यो. दत्तराजान नाल्लाचे बोणे उदकांत शेवटून शेवटून आपली उमेद भागोवन घेतली.

दनपरां जेवपाक आमी कुर्टी, फोंड्या हांगा आशिल्ल्या सहकारी स्पायस फार्मात गेलीं. थंय कपलाक तिबो लावन आनी गळ्यांत फुलांचो हार घालून हेर पर्यटकांबशेन आमकांय बी घसघशीत येवकार दिलो. आडसराचें शीतळ उदक पिवपाक दिलें. मदल्यान व्हाळ व्हांवताले. ताचेवयल्यान वचपाक सुपुल्ले पूल. जेवपाक बसपाच्यो जागा - वयर पारवे बसपाक लाकडाचे लांब बांक, ताका सोबसारकें लांब मेज. ताचेर कोंड्याचे स्टॅन्ड - पेपर नेपकीन दवरपाक. मातयेचे ॲश ट्रे. सगळे इको फ्रॅन्डली. हांव थंय बसपाक वतालें थंय पयलींच ५०-६० जाणांचो एक ग्रूप बशिल्लो आशिल्लो. भितर सरतनाच म्हाका श्रीमती सरदेसाय मेळली. आमच्या काव्यमैफीलीचो २४वो वर्धापनदीस आमी साळावले मनयलेलो थंय तांचेकडेन म्हजी वळख जाल्ली. त्यो मनोहरबाब सरदेसाय हांच्यो भावजय. तांचे धाकले भाव प्रा. शशिकांत सरदेसाय हांची घरकान्न. दिसलें, आतांच आमी हांचें घर पळोवन आयल्यां आनी योगायोगान रोखडीच तांची भेट जाली. हांवें तांकां तशें सांगलें आनी मुंबयचे नरेंद्रबाब वागळे आमचेबराबर आसात. तांकां तुमच्या घरकाराक मेळपाक आवडतलें. ताणें शशीकांतबाबाक आफोवन हाडलें.

'कोण, नरेंऽऽऽद्र मामा.' ताणी अजापान म्हळें. म्हजी आई... तांकां नवेंऽऽऽद्र म्हूण उलो मारताली. मामा वळखलो? ताणी फुडें येत म्हणलें? आरे, शशी मरे, अजूनय तसोच आसा मरे तूं? मामी तूं इतली बारीक कशी जाली? मामा आनी भाचो तीस-पस्तीस वर्सांनी अचकीत मेळले आनी पयलींच्या यादींनी गुल्ल जाले. ''थॅंक्स टू धीस लेडी'' दोगांनीय म्हाका परतें परतें म्हळें. आनी म्हाका ओगीच आंगार मूठभर मांस चडिल्लेवरी जालें. आतां सगळ्यांकच भूख लागिल्ली. देगपदराच्यो साडयो न्हेशिल्ल्यो गोंयकान्नी मेजार जेवण हाडून दवरपाक लागल्यो. जेवण दवरपाक कुयणी आनी मायट्यो. उकडें शीत, सूरय शीत, दुदयाची भाजी, कोबीची भाजी, अळसांद्याचें तोंडाक, सुंगटांचें हुमण, रोस, चिकन शाकुती, तिसऱ्यांचें सुकें, बांगड्याची किसमूर, तळिल्लीं सुंगटां, विसवणाची पोस्तां, चणकाचे कुडके, तोरांचें लोणचें, पापड, साखरभात, कडी... जेवण पळोवनच हांव धादोशी जालें. गोंयच्या जेवणाच्या गिरेस्तकायेचें दर्शन घडलें. जेवपाक सुपारेच्या पोयेपासून तयार केल्ल्यो प्लेटी. निजाचें गोयचें जेवण. फाटी हांव केरळांत गेल्लें तेन्ना खासा केरळीय जेवण पळोवन आमी गोंयचें जेवण पर्यटकांक उपलब्ध करून दिना म्हणून म्हाका खंत जाल्ली. हें जेवण पळोवन ती कमी जाली. जेवण सामकें रूच्चीक आनी घरगुती कशें.

भरिल्ले पोटार आमी फार्मान पासय मारून आयलीं. तरेकवार मसाल्यांच्या झाडांची थंय लागवड केल्या. जायफळ, दालचिनी, लवंग, वेलची, वॅनीला, कॉफी, हळद, ओखदी वनस्पत. लवंगाच्या झाडाक पाचवे पाचवे कळे कशीं लवंगां लागिल्लीं. कॉफयेच्या झोपांतल्यान पोपटी पोपटी मणी भायर सरिल्ले वेलचेच्या मुळांतल्यान व्हड देठ कसो येता. ताका एक एक वेलची लागना. हांवें कुर्गाक, मुन्नार गेल्लेकडेन वेलचेचीं रोपां पळयलेलीं पूण तेन्ना सिझन नाशिल्ल्यान वेलची लागिल्ली पळोवंक नाशिल्ली. ती म्हाका म्हजे गोंयांतच दिश्टी पडली. मदल्यान व्हडलो व्हाळ व्हांवतालो. फार्माचे फाटले वटेन गोबर गॅस. प्लान्ट गोठो बी आसा. सामके फाटले रस्त्यार तीन हत्ती उबे आशिल्ले. तांकां व्हाळार व्हरून जाय जाल्यार न्हांणोवंक मेळटा. तांचेर बसून पासय मारूंक मेळटा. थंय तांचेखातीर जोंधळे आनी बाजरी दवरल्या तांकां खांवोवंक मेळता. दत्तराज आनी आध्या धावत तांका खावोवंक म्हण गेलीं.. पूण हतयान सोंड फुडें काडल्याबराबर भिवून फाटीं सरलीं. हतयान सोंडेत घाल्लें धान्य तोंडांत घालें आनी व्हडल्यान ठांऽऽऽ कू (थेंक्यू) म्हूण आड्डी मारली... परतीं दुसरे वटेन सकयल आयलीं. फार्माचे मालक माधवबाब आनी अनील भावोजीकडेन खबऱ्यो मारल्यो. हुनहुनीत च्या पियेलीं आनी परत एकदां हांगा पासय मारपाचें येवजून वचपाक भायर सरलीं... आयच्या दिसाच्यो सुरबूस यादी काळजा पोशांत गुठलायत....

❀❀❀

- हर्षा शेटये
'दामबाब',
बर्नाड कोश्ता रोड,
मडगांव.
फोन - २७३०६८६

सरसमाना मदलो आगलो वेगलो

वर्ध्याच्या म्हज्या राबित्यांत एका फुडले एक चक्रम पळेले. इतले चक्रम एकेच सुवातेर जमले कशे असो म्हाका प्रस्न पडिल्लो. काकावाडींत म्हजे कुडी शेजरा महेन्द्र कुमार जैन रावताले. जैन वाङ्मयाचे एक जाणकार. मात्शे 'नोर्माल'. हांवें तांचे मुखार हो प्रस्न दवरलो. तांणीं जाप दिली, 'हांगा एकलो चक्रमांतलो चक्रम, विक्षिपांतलो विक्षिप्त म्हापुरूस रावतालो. गांधी, ताचे ओडीन हे सगळे हांगां पाविल्ले. तो गेलो. हे उरल्यात.'

हांव वर्ध्याक पावलां त्या काळांत गांधी नाशिल्ले. तांकां वचून सुमार दोन वर्सां जाल्लीं. पुणून विनोबा आशिल्ले. तेवूय चक्रम म्हण नामना जोडिल्ले. म्हाका तांच्या म्हऱ्यांत वचपाचो केन्ना धिरूय जालो ना. कितें म्हूण कोण जाणा, वैरागी लोकां पसून हांव सदां पयसूच रावलां. इतलेंय आसून कुन्दर दिवाणा सारकेल्या तांगेल्या एका विद्यार्थ्यालागीं म्हजी तार जुळिल्ली. पिरायेन म्हजे परस धा-एक वर्सांनीं जाणटे. आश्रमी जिविताचीं सगलीं कामां निष्ठेन करपी. पायखिळे निवळ करप, चरख्यार सूत काडप, दोन वेळचीं पार्थना करप, सगळीं म्हळ्यार सगळीं. पुणून उसरपत जायनाफुडें पुस्तकां घेवन बसताले. एक व्यासंगी. धर्मशास्त्रां सगळीं कोळून पियेल्ले. तांकां कुन्दरशास्त्रीय म्हूण पाचारपी लोक थंय आशिल्ले. कांय दिसां पयलीं तांगेलो 'धम्मपदा'चो मराठी समश्लोकी अणकार उजवाडून आयिल्लो. हो अणकार हांवें वाचिल्लो. अणकारा परस चड ताणीं 'परिशिष्टां'त जीं टिपणां जोडल्यांत तीं तांगेल्या व्यासंगाचो अदमास येवपाक पुरो आशिल्लीं. काकासायब वर्ध्याक आयले म्हूण कळळ्यार पुरो, ते तांकां मेळपाक येताले आनी सुमार वरभर तांचे लागीं बसून 'ज्ञानचर्चा' करताले. तेन्ना हांव म्हऱ्यांतूच बसून ती आयकतालों. खूब कितें कितें जाणा जावंक मेळटालें. वळख वाडत गेली. तशीं तशीं तांच्या जिविताचीं कांय आगळीं वेगळीं आंगां लक्षांत येवंक लागलीं आनी तांचेविशींची म्हजी ओड वाडतूच गेली.

मनोहर, कुन्दर, प्रभाकर आनी मधुकर ह्या चार पुतांक घेवन आवय विनोबाच्या पवनार आश्रमांत येवन रावली. मनोहर आनी कुन्दर तरणेपणांत पाविल्ले. प्रभाकर ल्हान आनी मधुकर ताच्याकूय ल्हान. पयल्या दोगांनीय जल्मभर नैष्ठिक ब्रह्मचर्याक पाळो दिवन रावतले. असो सोपूत घेतिल्लो. प्रभाकर ल्हान आशिल्ल्यान ह्या 'प्रसंगां'तल्यान वाटावल्लो. मधुकर खूब ल्हान. विनोबाचे अपुर्बायेचो जाल्लो. अचकीत एक दीस टायफोयड जोरांत भायर पडलो. विनोबाचें लेगीत काळीज विलापून आयलें. जिस्त त्या अदमासाक विनोबांच्या कांय निबंधांचो एक झेलो उजवाडा येवपाचो आशिल्लो. ताका तांणीं ह्या भुरग्याच्या उगडासाक 'मधुकर' हें नांव दवरिल्लें. कुन्दरजीन ब्रह्मचर्याचो सोपूत घेतिल्लो. चाळीस वर्सांची पिराय जायसर ताका तांणीं पाळो दिलो. उपरांत एक बायल मनीस आपणाल्या जिवितांत आसूंक जाय अशें तांकां दिसपाक लागलें. ही इत्सा आळाबंदा हाडपाची ताणी खूब येत्न केलो. एक दीस तांणीं विनोबांक वचून सांगलें, 'खूब यत्न केलो. तरूय स्त्री सहवासाची भूक आळाबंदा येना. हांव आतां ब्रह्मचर्य सोडून लग्न जावपाचो विचार करतां.' विनोबांक आकांताचो धसको बसलो. ते कितें कितें उलयले जातले. तें आयकून कुन्दरजीनी म्हळें, 'म्हज्यान तुमकां फटोवं येता. पुणून म्हज्या काळजांत एक विनोबा आसात. तांकां कसो फटयतलों?' विनोबांचो विरोध आसुनूय ते लग्न जाले. एके विधवे कडेन. गांधींक लेगीत ह्या लग्नाची खबर आयकून धसको बशिल्लो. 'तुम्हारी शादी की बात सुनकर बडा दुःख

हुआ।' अशें ताणी कुन्दरजींक बरयिल्लें. तांकांय कुन्दरजीन तीच जाप बरयल्ली, 'हांव तुमकां फटयन पुणून म्हज्या काळजांत जे एक बापू बसल्यात तांकां कसो फटोवं?' म्हत्वाचें म्हळ्यार कुन्दरजींचो दोगांयनी 'त्याग' केलो ना. 'सांबाळून' घेतले. म्हाका जेन्ना ही खबर कळ्ळी तेन्ना कुन्दरजीं विशींचो म्हजो भौमान खूब वाडलो.

ह्याच अदमासाक तांणीं एक दीस म्हाका म्हळें, 'चला, तुम्हाला मनोहरजींचा 'कुष्टधाम आश्रम' दाखवतो!' आनी आपणाले सायकलीच्या दांड्यार बसोवन ते म्हाका घेवन गेले. वर्धा पवनार वाटेर चार-पांच मैलांच्या अंतरार हो आश्रम आसा. काकावाडी पसून एक मैल उणो. आश्रम पळोवन म्हजें आंग शिरशिरून आयलें. सुमार तिनशें कुष्टरोगी थंय येवन राविल्ले. कोणाचीं नाकां गळ्ळ्यांत, कोणाचे कान, कोणाचे ओंठ, कोणाचीं बोटां वाकडीं जाल्यांत.... शी शी शी जालें. आश्रम सुरू जावन सोळा वर्सां जाल्लीं. सोळा वर्सां पयलीं मनोहरजींत जी उर्बा आशिल्ली ती अजून जिवी तट्टटीत उरिल्ली. हेर आश्रमां सारको हो एक आश्रम. दोन वेळची प्रार्थना. शेतकाम, कताई, बुनाई, रसोई सगळें सेवाग्राम वा पवनाराक चलता. तेंच तरेचें. कोण एकल्याक लेगीत आपूण लाचार वा परावलंभी दिसूंक जाय ना हाची जतनाय घेतिल्ली. सगळे कुष्ठरोगी आपआपल्या कामांत दंग. जिवितांत निराशेची निष्क्रियतेची सुवात उत्साहान घेतिल्ली. आश्रमांत एक गोशाळा आशिल्ली. अन्न, वस्त्र, दूद सगळ्याच आंगांनीं कुष्ठरोगी आत्म-निर्भर आशिल्ले. कुष्ठरोग्यांचें हें एकेतरेचें 'सोवेरैन रिपब्लीक' कशें दिसतालें. मनोहरजी आनी तांगेली आवय ह्या कुष्ठरोग्यां सांगातांत रावनूच तांची सेवा करताली. एक खेपे गांधी हो आश्रम पळोवपाक आयिल्ले. 'हें एक तीर्थस्थळ' म्हूण ताचें वर्णन ताणीं केल्लें. आनी मनोहरजींक 'महात्मा' म्हळ्ळें.

मनोहरजींक कुष्ठसेवेची प्रेरणा कशी जाली? पुलगांवचे न्हंयेक हुंवार आयिल्लो आनी सावली नांवाचो एक पुराय गांव तातूंत व्हांवन गेल्लो. पूरग्रस्तांक आधार दिवपा खातीर जे लोक धांवन गेल्ले तांचे मजगतीं पवनार आश्रमाचे



मनोहर दिवाण एक आशिल्ले. थय एका दोंगरार दत्त महाराजाचें एक देवूळ आसा. मनोहरजी हें देवूळ पळोवपाक दोंगर चडून गेले. देवळाच्यो एक-दोन पायऱ्यो चडल्यात जातले, तांकां एक कुष्ठरोगी भीक मागूंक बशिल्लो दिश्टी पडलो. मनोहरजी देवळांत वचपाचें सोडून ताकाच पळयत उबे रावले. 'हो मनीस ह्या दोंगरार कसो पावलो? ताका पांय नात. कापल्यात. नाक गळ्ळां, कान गळ्ळ्यात. हो दोंगर कसो चडून आयला जातलो?' वासपूस केली तेन्ना तांकां धसको दिवपी एक गजाल कळ्ळी. एक घटमूट मनीस सकाळचो ताका खांदार घेवन चडून येता आनी ताका हांगा दवरून वता. सांजचो परतो येता आनी ताका तसोच खांदार घेवन वता. भिकेचे जे पयशे तो जमयता तांतले अर्दे ताका दवरता आनी अर्दे आपणालें 'कमिशन' म्हूण आपणाकडेन दवरता. मनोहरजीचें मन खेदान भरून आयलें. विद्रोहानूय पेटले. मनशाचे लाचारेचो गैरलाव घेवपी दृश्ट लोक संवसारांत आसचे? शी शी शी. 'ह्या लोकां खातीर कितेंय तरी आपणें करूंक जाय' असो तांणीं त्याच खिणाक निर्णय केलो. कुष्ठरोगी पळोवन जे पयलीं शिरशिरून येताले ते देवळा भायर भीक मागूंक बशिल्ल्या ह्या 'दत्तम्हाराजाच्या' दर्शनान खंयचे खंय ना जाले.

मनोहरान कुष्टरोग्यांचे सेवेक जिवीत ओंपपाचें थारायलां म्हणपाचें ताचे आवयक कळ्ळें तेन्ना ती विनोबासरीं गेली. विनोबांनी तिका म्हळें, 'धर, हो रोग तुकां जाल्लो जाल्यार तुजी सेवा ताणें करची न्हय अशें तूं म्हणटली आशिल्ली व्हय?' आवय खीणभर येवजूंक पडली. दुसऱ्याच खिणाक तिणें म्हळें, 'ना, ताका म्हजे आशिर्वाद दितलीं.'

बोला फुलाक गांठ म्हणटात तशी त्याच अदमासाक परचुरे शास्त्री सेवाग्राम आश्रमांत पाविल्ले. ते कुष्ठरोगी आशिल्ले. आनी गांधी आपणा हातांत तांचे घाय पुसतात ते मनोहरजीन पळेल्लें. मनोहरजींचो नित्शय पक्को जाल्लो.

पुणून सेवा कशी करप? कांय ज्ञान आसूं नाकां? मनोहरजी रायपुराक गेले. थंय एक ख्रिस्ती मिशनरी 'लेपर एसायलम' चलयतालो. मनोहरजींनीं स म्हयने थंय रावन गरजेचें प्रशिक्षण घेतलें. तें परवडना अशें धरून कलकत्त्याच्या 'स्कूल ऑफ ट्रॉपिकल मेडिसीना'त भर्ती जाले. कोणाकूय ह्या स्कुलांत भर्ती जावंक मेळना. पुणून मनोहरजींची तळमळ आनी नित्शय पळोवन संस्थेन तांकां कसलेंच क्वालिफिकेशन नासतना ऍड्मीट केले. गरजेचें ज्ञान पदरांत घालून मनोहर जी वर्ध्याक परतले. 'महारोगी सेवा मंडळ' नांवाची एक संस्था सुरू केली आनी हे कुष्ठधाम चलोवंक लागले. सुवातेक नांव तांणीं 'दत्तपूर' दवरलें. 'दत्तम्हाराजाच्या दर्शना'च्या उगडासान.

कुष्ठरोग ही पिडा ह्या देशांत वेदांच्या काळा सावन लोकांक जायत आयल्या. 'घोषा' नांवाची एक ब्रह्मचारिणी वेदांचे मुस्तींत कुष्ठरोगी आशिल्ली म्हणटात. इतलेंय आसून कोणेंच तो ना करपाचो यत्न करूंक ना हें आमचें 'उज्जवल आनी प्राचीन' सांस्कृतायेचे एक लक्षण म्हणूंक जाय. यत्न केला तो ख्रिस्ती मिशनऱ्यांनीं. तांणीं तळमळीन हें काम केलां. मनोहरजी पयले वा म्हणुंया पयल्या दोगां मदले एक कुष्ठरोगी लोकांली सेवा करपी. दुसरे अमरावतीचे शिवाजीराव पटवर्धन. राजेन्द्रबाबू मनोहरजींक वळखताले. तांचे सेवेची कदर करपी लोकां मदले एक आशिल्ले. राष्ट्रपती जाले उपरांत पयलेच जे पद्मपुरस्कार जाहीर जाल्ले तातूंत मनोहरजींक तांणीं आसपावन घेतिल्ले. मनोहरजीन खबरे पत्रांनी तें वाचलें तेन्ना तांणीं राजेन्द्रबाबूंक एक चीट बरयली, 'तुमींच म्हजें नांव हे वळेरेंत घालां जातलें. म्हज्यान 'म्हाका नाका' म्हणूंक जांवचें ना. पुणून म्हजे सेवेन म्हाका जो संतोस मेळ्ळा तो पुरस्कार म्हाका पुरो आशिल्लो. तुमचो आग्रह आसत जाल्यार पद्म पुरस्कार घेतां. पुणून म्हजें नांव तुमकां गाळूंक आयलें जाल्यार म्हाका खोस भोगतली.' राजेन्द्रबाबून मनोहरजींचे इत्सेक मान दिवन नांव गाळ्ळें.

सांगल्यार वाचप्यांक अजाप जातलें – आयज जांची कुष्ठरोग्यांचे सेवे खातीर देशांत खूब नामना जाल्या आनी हे सेवेक लागून जांकां जे व्हडले व्हडले पुरस्कार मेळ्ळ्यात ते बाबा आमटे मनोहरजींच्याच कुष्ठधामांत रावन प्रशिक्षण घेतिल्ले एक 'कार्यकर्ते'. आमचें रासवळ जिवीत इतलें पडमूर जालां की बाबा आमट्यांच्या चाहत्यां मदल्या एकल्याच्याय तोंडांतल्यान मनोहरजींचें नांव घेतिल्लें आयकूंक येना.

त्या दिसा कुष्ठधाम आश्रमांत मनोहरजींसरीं बसून खूब खबरी आयकल्यो. तांणीं आपजीण बरयल्ली जाल्यार ती आगळी वेगळीच थरतली आशिल्ली अशें दिसलें. पुणून मनोहर दिवाण ते. विनोबांचे शिष्य. म्हाका कुन्दनजींची



जितली ओड आशिल्ली तितलीच आतां मनोरजींची दिसपाक लागली. पुणून मनोहरजींचें खरें व्हडपण पळेलें तें तांगेल्या जिविताचें दुसरें एक आंग दिश्ठी पडलें तेन्ना.

स्वराज्य आयलें आनी सगळ्या सेवाक्षेत्रांचें राष्ट्रीयकरण जालें. तशें कुष्ठसेवेचेंय जालें. कुष्ठसेवेचें तंत्रूय बदल्लें. पयलीं कुष्ठरोग्यांक एकेकडेन हाडून तांकां एका आश्रमांत वा कॉलनींत दवरून तांची सेवा करप, उपचार करप ही चाल चलताली. आतां ही चाल पोरणी थरिल्ली. तिचे बदला गांवांतल्या गांवांत कुष्ठरोगाच्यो गुळयो दिवन जंय ताची 'ब्रिडींग ग्राऊंड' आसता थंयच तो थांबोवपाची नवी चाल सुरू जाल्ली. मनोहरजींची तार हे नवे चालीकडेन जुळना जाली. जे नवे लोक ह्या मळार देंवले तांचे लागीं तांकां जुळोवन घेवंक आयलें ना. मनोहरजी संबंदान सगळ्यांक आदर. पुणून तेवूय बदल्लेल्यान तांचे मतभेद सुरू जाले. नवे लोक विनोबांसरीं गेले. खरें म्हळ्यार विनोबांनी मनोहरजींची कड घेवपाची. पुणून विनोबा ते. तांणीं मनोहरजींक सेवेचे 'गुलामीं'तल्यान सोडोवपाचें थारायलें. तांकां आपोवन घेतले आनी विचारलें, 'मनोहर, तूं मरणार नाहींस का रे?'

'मरणार कीं!'

'मग तुझ्या त्या दत्तपुरचे काय होणार?'

'नवीन लोक येऊन चालवतील.'

'मग आजच मरून घे ना. देऊन टाक ती संस्था नवीन लोकांच्या हातांत.'

मनोहरज़ीं एक खीण लेगीत थंय रावले नात. नीट उठून कुष्ठधामांत गेले. आपले कपडे एके बेगेंत घाले आनी आवयक घेवन पवनारच्या आश्रमांत विनोबांसरीं येवन रावपाक लागले. इतलीं वर्सां मनोहर दिवाण म्हूण जो कोण कुष्ठसेवा करतालो तो आपूण न्हयच हे भावनेन रावले. कर्तुत्वाचो अभिमान सदांकाळा खातीर मनांतलो ना केल्लो.

असल्या एका आगळ्या वेगळ्या मनशाक हांव वळखूंक पावलों हें म्हजें व्हडलें भाग्य मानतां. असलेच आनी कांय चक्रम लोक हांवें पळेल्यात. तांची खबर फुडें केन्नाय.

❋❋❋

– रवीन्द्र केळेकार
नगर, प्रियोळ – गोंय.



सद्या बाजारांत तोरां विकूंक येवंक लागल्यांत. आंबल्यो-तोरां म्हणटकच तांचें लोणचें करपाक हात मुखार सरतात.

आंबल्या फोडीचें लोणचें

साहित्य : ४ वाटयो आबले फोडी, १ कुलेर सासवां, १ कुलेर हळदी पिठो, १/२ वाटी मिरसांगे पिठो, नाखूटभर शंकरछाप हिंग, १/२ कुलेर मेथयो, २ व्हडलीं कुलेरां तिळां तेल, एक व्हडलें कुलेर सासवां दाळ, १/२ वाटी मीठ.

कृती : आंबलेच्यो बारीक फोडी करच्यो. आदले राती आंबल्यांच्या फोडींक मीठ सारोवन चेपणाक दवरच्यो. दुसरे दिसा कायलींत एक कुलेर तेल घालून गरम करचे. तातूंत हिंग, मेथयो, सासवां घालून तळून काडचें. उजो बंद करून तापिल्ले कायलींत मिरसांग आनी हळदी पिठो गरम करून काडचो. हींग, मेथी आनी सासवांची पूड करची. मागीर सासवांची दाळ आनी सगळो मसालो एकठांय करचो. चेपणाक घाल्ल्यो फोडी घेवंच्यो. तातुंतलो खळ कुशीक काडचो. मागीर सगळो मसालो आनी सासवांची दाळ आंबल्यांच्या फोडींक लावची. खळ गरम करून थंड जातकच लोणच्यांत घालचो. लोणचें सदांच काचेचे वो चिनी मातयेच्या भरणेंत घालचें. प्लास्टिकचो जार टाळचो. उरिल्लें तेल गरम करून न्हिवतकच लोणच्याचेर घालून भरणी बंद करची.

शेवट्यांचें हुमण

साहित्य : १० शेवट्यांचे कुडके, १ व्हडलें कुलेर मिरसांगे पिठो, १ ल्हान कुलेर हळदी पिठो, १ मध्यम कांदो, १ वाटी सोय, १ व्हडलें कुलेर तेल, नाखटा येदी आंबटाण, रूची पुरतें मीठ.

कृती : शेवट्यांच्या कुडक्यांक अर्दकुलेर मीठ लावन सुमार १५ मिनटांनीं धुवचें. सोय, मिरसांग, हळद, आंबटाण बारीक वाटची. कांदो बारीक चिरचो. तोपांत तेल गरम करून चिरिल्लो कांदो घालून तांबसार जायसर परतून घेवंचो. वाटिल्ल्या मसाल्यांत ४ वाटयो उदक घालून परतिल्ल्या कांद्यान घालचें. मागीर मीठ घालचें. एक खतखतो येतकच हुमणांत शेवट्याचे कुडके घालचे.

सद्या गांवां गांवांनीं आगर मारपाचें काम चलता. आगरांतलें म्हत्वाचें नुस्तें म्हळ्यार शेवटे. शेवटो हो गोंयकारांचें सुवादीक नुस्तें. आज आमी शेवट्याचें जिन्नस रांदुया.

कांद्याची कापी



श्रावण म्हयन्याचे दीस आसले. ह्या म्हयन्यात व्हनीबाय सामकी शिवराक. शिवराक म्हळ्यार इतकी, जेवणात कांदो लेगीत चलना. घरांत उरिल्ले कांदे व्हनिबायन काडून कोनशाक मारले. तांकां कोण हात लेगीत लायना जालो.

कांद्याची ही दशा पळोवन पावसान मेळपी हेर भाज्ज्यो ताचीं फकांडां करूंक लागली. ताचेकडे पळोवन फिदी फिदी हासूंक लागली. कांदो आपलो कोनशाक ओगी.

तवशें म्हणूंक लागलें "आतां आमचे दीस. पळय आतां व्हनीबायचीं भुरगीं खातलीं म्हाका कुरकुरीत."

घोसाळें म्हणूंक लागलें "सणा परबे दीस. म्हजी भाजी हाडटा रूच."

पडवळें म्हणूंक लागलें "म्हाका आतां लोक सोदून व्हरतले."

भेंडो, कारातीं, चिटकी, तेंडली सगळीं लागलीं कांद्याक उणें लेखूंक. म्हसकाची, तायखिळ्याची, कुडुकाची, तेरें, आळू, सुरण सगळींच एकठांय जावन कांद्याक म्हणटात कशीं "घाटावयल्यान आयला जोगी कोनशाक पडला ओगी."

कांदो बाबडो सामको बेजार जालो. ताच्या दोळ्यांत दुखां आयलीं.

फुडें चार-आठ दीस पावस पडलोच ना. बाजारांत भाजयो जाल्यो म्हारग. भाजयांचे दर आयकून एक दीस व्हनीबायक आयली घुंवळ. जीव-वाचा सामकी गेली. घरचीं सगळीं काचाबूल जालीं. जीव काडूंक कांदो सोदूंक लागलीं. हेर भाजयांचो पाटलो मारलो कोनशाक. कोनशाक एक कांदो मेळळो. चेंचून व्हनीबायच्या नाकाक लायलो. व्हनीबायक जीव आयलो.

घरच्यांनी म्हळें, "जांव कांदो आसलो म्हूण व्हनीबाय वाटावली." कांदो मनांतल्यान हांसलो. ❋❋❋

- दोतोर (मेजर) प्रकाश शेटये
देवळाय - खांडोळ
मो.: ९४२०२९७३०८



चानी आनी माजर

एक आशिल्ली चानी बाय
झाडांवेली पेरां खाय
थंय पावलें बिलू बाय
मिशयांवेल्यान हात भोवडांय
पेरीपोंदा असुदाय
पळेतालें कोण दिसता काय
नदरेक पडली चानीबाय
ताणें केली मागीर घाय
झाडार आपल्याक चडूंक जाय
आनी चानयेक धरूंक जाय
चानी पेरी झाडार आसली
पेरां काडून खाताली
बिलूबायन उडी घाली
तयारी चानयेक धरचेली
तिची ताचेर नदर पडली
चानयेन थंयच्यान धांव माल्ली
दुसऱ्या पेरीची खांदी धरली
बिलूक उडी जमना जाली
चानयेन भरपूर पेरां खाल्लीं
बिलूबायक लज जाली

- सदानंद तेंडुलकार
खोडयें, सत्तरी.

बॉब – ए – जॉब

आयज सरकारी हायस्कुलांत बोवाळच बोवाळ आसलो. सगळीं भुरगीं, बॉब – ए – जॉबाच्या निमण्या दिसाच्या एका खासा सुवाळ्या जमिल्लीं.

"शूऽऽ सायलंट प्लीज... नमस्कार भुरग्यांनो, आयज बॉब – ए – जॉबाच्या निमण्या दिसा, हो सुवाळो दवरला. आयज तुमी भुरग्यांनी जमा केल्ल्या पयशांनी, खंयच्या भुरग्यांनी सगळ्यान जास्त पयशे एकठांय केल्या ताका बक्षीस दिवंक हो सुवाळो आयोजीत केला. आतां चड वेळ वगडायनासतना हांव, तुमचो सामंत सर आमच्या स्कुलाच्या हेडमास्टराक स्टॅजीर आपयता."

असो हो प्रोग्रेम चालू आशिल्लो. सगळ्या अतिथींचीं उलोवणी जातकूच सामंत सर परत मायका मुखार आयले....

"भुरग्यांनो, आमकां खबर आसा की तुमी हें जाणूंक खूब उत्सूक आसात कीं हें प्रायज कोणाक मेळटलें तें. तर आयज बॉब – ए – जॉबाचें मॅनी मनी प्रायज वीनर इज,



विशाखा नायक आनी सोनी कामत. ह्या दोगांय भुरग्यांनी २५० रुपया जमा केल्या. हांव तांच्या ग्रूप लिडराक विनंती करतां की तार्णी हें बक्षीस स्विकारचें आनी आपले कांय अणभव सांगचे."

सोनीन बक्षीस घेतलें आनी तें मायका – मुखार उबें रावलें. इतल्यान ताका आपल्या एका अणभवाची याद जाली.

"इश्टांनो, नमस्कार हांव सोनी तुमकां म्हजो एक असो अणभव सांगूंक वतां जातुंतल्यान हांव खूब कितें शिकलें. त्या दिसा आमी दोगांय कामाच्या सोदाक एके जाण्टे बायलेगेर पावलीं. ती आंधळी आसली. आमचेर भरवंसो करून तिणें आमकां तांदूळ वेचपाचें काम दिलें. कुड्डी बायल कितें पळयतली? हें चितून आमी दोगांयनी कशाय कशे तांदूळ वेचले. पूण मागीर पयशे घेतना आमकां आमचें मन त्रास दिवंक लागलें. आमी तिचे कडेन माफी मागली आनी परत तांदूळ वेचतां अशें सांगून सारके मन लावन तांदूळ वेचले. ते बायलेन आमकां धा रुपयांच्या जाग्यार ५० रुपया काडून दिले. खरेंच आमी जर तें काम तेन्नाच करूंक नासलें जाल्यार आमी आमकांच फटयतलीं आसलीं, न्हय ते बायलेक. इश्टांनो तुमकां सांगतां, काम करतात तें मन लावन करात. आमचे बशेन तुमीय असली चूक केन्नाच करचे नात अशी हांव आस्त बाळगितां...."

सोनीचीं हीं मोलादीक उतरां आयकून सगळ्या भुरग्यांनी ताळयांचो शिंवर केलो. ताळयांचो आवाज आयकून सोनी आनी विशाखाचें एक फीत चडलें.

❀❀❀

– आयुषी शेटये
यत्ता – आठवी
शाळा – शारदा ई. हाय स्कूल
माशेल.

सर्वश्रेष्ठ न्हवरो



शरयू न्हंयचे देगेर एक मांत्रीक आनी ताजी बायल रावतालीं. तीं एके ल्हानशे खोपींत रावतालीं आनी गांवांतले लोक जें कितें दियी, ताजेर दीस सारतालीं. घरांत भोव गरिबी आशिल्ली.

तांकां भुरगें नाशिल्ल्यान मांत्रिकाची बायल कश्टी जाताली आनी कोणाल्याय भुरग्याक पोसकें तरी घे म्हूण घोवाच्या फाटी लागताली. पूण तांचे गरिबीक लागून कोणच आपल्यालें भुरगें तांका दिवंक तयार नाशिल्लो.

मांत्रीक गरीब आशिल्लो खरो, पूण मंत्र विद्येंत भोव पारंगत आशिल्लो. एक दीस दोगांय खोपीच्या दारांत बशिल्लीं आसतना उडत वचपी एका कावळ्याचे चोंचींतल्यान एक हुंदीर सकला पडलो. मंत्रिकाचे बायलेन ताका उबारून सांसपीत घोवाक म्हळें, ''आमकां काय कोण भुरगें दिवचो ना. म्हणटकीर तुमच्या मंत्राच्या बळान ह्या हुंदराचें तुमी भुरगें कित्याक करिनात?''

मांत्रिकान हांसून मंत्र म्हळे आनी कमंडुलांतलें तिर्थ हुंदराचेर फापुडलें मात, हुंदराची एक सानुली, सोबीत चली जाली.

मांत्रिकाचे बायलेक उपाट खोस जाली. ते चलयेक खंय दवरूं आनी खंय नाका अशें तिका जालें. जें कितें ताका मेळटा तातुंतलें बरें तिणें ताका खावोवचें. अपुरबायेन तांणी तिका 'हुंदुल्ली' अशें नांव दवरलें.

दिशीं माशीं हुंदुल्ली व्हड जाली. मांत्रिकान आनी ताचे बायलेन तिका सुखांत वाडयलें, बरें शिक्षण दिलें. हुंदुल्ली सगल्या कलांनीं पारंगत जाली. आतां ती व्हंकल जाल्ली. मांत्रिकान तिजे खातीर न्हवरो सोदचेलें थारायलें. बायलेन ताका म्हळें, ''तुमच्या मंत्रानी तुमी सुपुल्ल्या हुंदराची सोबीत चली केली; आतां त्याच मंत्राच्या बळार तुमी तुमचे धुवे खातीर तिका सोब सारको न्हवरोय सोदून काडूंक जाय.''

'बरे भाशेन' मंत्रिकान म्हळें, ''म्हज्या उतरांक मान दिवन सुर्या लेगीत आमचे धुवे वांगडा लग्न जावंक तयार जातलो.''

''खऱ्यानीच तुमी इतले बळिश्ट? तशें जाल्यार सुर्याक म्हजो जांवय करूंक म्हाका भोव खोस भोगतली. तुमी सांगलां तें खरें करून दाखयात.''

''बरें आसा.'' मंत्रिकान दोळे धांपून घेतले आनी तो ध्यानस्थ बसलो. अचकीत सुर्य थंय प्रगट जालो. मांत्रिकान ताका आपले धुवे वांगडा लग्न जावंक सांगलें. सुर्यान म्हळें, ''म्हजी कांय हरकत ना. पूण तुजी चली म्हज्या वांगडा लग्न जावंक तयार आसा?''

मांत्रिकान आपले धुवेक आपोवन विचारलें तेन्ना तिणें म्हळें, ''बाबा, हो न्हवरो एकदम बरो आसा, पूण हाजो ताप म्हज्यान कसोच सोसूंक जावचो ना. हाजे परस बरो आनी बळीश्ट दुसरो कोणय पळय.'' सुर्यान म्हळें, ''म्हाका दिसता, म्हजेपरस बळीश्ट ढग. तो म्हजो पर्जळ उणो करता आनी केन्ना केन्ना म्हाका धर्तरेचे लेगीत सावळी करता.''

हें सांगून सुर्य थंयसून

कडसरलो. रोकडोच ढग थंय हजर जालो.

हे खेपेक मांत्रिकान धुवेकच, ती ढगा वांगडा लग्न जावंक तयार आसा काय कितें हें पयलीं विचारलें. तिणें म्हळें, ''न्हवरो तसो बरो आसा बाबा, पूण तो रंगान बरोच काळो आसा. हाजेपरस बरो आनी बळीश्ट दुसरो न्हवरो ना?''

मांत्रिकान प्रश्नार्थक नदरेन ढगाक पळयलें. ढगान म्हळें, ''वारो म्हजेपरस बळीश्ट. म्हाका तो मळबाच्या ह्या पोंतारसून त्या पोंतार पावयता.''

ढग गेलो आनी दुसऱ्याच खिणाक वारो थंय आयलो. हुंदुल्लेन ताका पळोवन म्हळें, ''बाबा हो सामकोच चंचल. म्हाजेपरस बरो आनी बळीश्ट दुसरो कोण ना?''

मांत्रिकान काचाबूल जावन हेवटेन तेवटेन पळयलें. वाऱ्यान म्हळें, ''हुस्को करूं नाका. पर्वत म्हजेपरस व्हड आनी बळीश्ट आसा. ताजेमुखार म्हजी शक्त कांयच न्हय. हांव ताका जाग्यावयल्यान मातय हालोवंक शकना. तुजे चलयेक तो शेर्त मानवतलो.

वारो वतकीर फाटोफाट पर्वत थंय आयलो. ताजेकडेन पळोवन हुंदुल्लेन म्हळें, ''बाबा, हो पळोवंक शिटूक दिसना. हाजेपरस बरो आनी बळीश्ट आनी कोणच ना?''

पर्वतान रोखडीच जाप दिली, ''आसा तर! हुंदीर हो एकच असो प्राणी आसा, जो म्हज्या आंगाक बिळां करपा इतलो धीट आसा. तुजे धुवेक जोडीदार म्हणून तो बरो सोबतलो.''

पर्वत थंयच्यान गेलो आनी रोखडोच हुंदीर आयलो. हुंदुल्लेन ताका पळयला मात, खोशेन मुरूगुटून तिणें बापायक म्हळें, ''बाबा, हो न्हवरो खऱ्यानीच बळीश्ट आनी शूर जावन आसा. इतलो बरो आनी म्हान न्हवरो तुज्या दोळ्यांमुखार आसतना तूं सुर्य, वारो, पर्वत हांकां सो हांगा आपयतालो? पूण तें आसूं आतां आनीक कळाव लायनासतना म्हजें ह्या सगल्यां परस श्रेष्ठ न्हवऱ्या वांगडा लग्न लावन दी.''

अशे तरे हुंदुल्लेचें लग्न हुंदराकडेन जालें आनी ती आपलें कुळार सोडून ताज्या वांगडा रावंक गेली.

हें जें कितें घडलें तें सगलें मांत्रिकाचे बायलेक भोव आजापाचें दिसलें. तिणें घोवाक म्हळें, ''सगले वटेन श्रेश्ठ आनी बळिश्ठ न्हवरो हुंदुल्लेक मेळचो अशें म्हाका दिसतालें. पूण हुंदुल्लेक श्रेश्ठ आनी बळिश्ठ दिसलो तो एक सादो हुंदीर. नशीब तिजें!''

❀❀❀

मूळ काणी : मनोज दास
कोंकणी अणकार : मीना काकोडकार

सपनांत

बायून केली ताता
पडलें एक सपन
सपनांत तें उंच गेलें
कापसावरीं हुबून

सारकें वचून पडलें तें
गादयेर कुपांचे
आपोल एक दिसलो
फांदयेर झाडाचे

आपोल पळोवन आपशींच
पोटाक लागली भूक
फळ दिवंक म्हऱ्यांत ताच्या
चलून आयलो रूख

फळ खावन बायुचे
झेमूंक लागले दोळे
मळबांत तेन्ना चमकले
नखेत्रांचे कळे

– सुनील पालकार
नावशी
पोस्ट: गोवा युनिवरसिटी
पीन : ४०३ २०६

सुमानाक नवी बायल

काश्मीरच्या ल्हानश्या गावांत एक दुकानदार रावतालो. ताचो पसरो होच ताचो जोडपाचो एकच मार्ग आशिल्लो. ताका एक लग्नाच्या वयाचो भुरगो आशिल्लो. सियाब्र हो नम्र आनी मायेस्त आशिल्लो. पूण स्वत:चे स्वतंत्र निर्णय घेवपाक अजून पक्को जावंक नाशिल्लो. दुकानदाराक बायल नाशिल्ली. सियाब्र जातकच ती रोखडीच देवागेर गेली.



दुकानदार जाण्टो जाल्लो. आपूण कितले दीस जगतलों हाची ताका खात्री नाशिल्ली. एक दीस ताणें पुताक म्हज्यान आपयलो आनी सांगलें ''सियाब्र, पोरा हांव आतां चड दीस उरचो ना. तेन्ना तुका दुकानावयलें काम पळोवचें पडटलें. तुवें जर भरपूर कश्ट केले ना जाल्यार तुका खर्चापुरतेय पयशे कमोवपाक येवचे ना. तूं सुखान रावचो अशें म्हाका दिसता. म्हाका तूं तीन उतरां दी. दिता मरे?''

''हय दितां, बाबा. हावें कितें करचें अशें तुमका दिसता?'' सियाब्रान मायेन विचारलें.

''पयली गजाल घरांतल्यान दुकानार वतना वतानसून वचूं नाका, दुसरी गजाल, जेवणांत तूं फकत शीत जेव, आनी तिसरी गजाल जेन्ना तूं लग्न करतलो, तेन्ना दर सुमानाक तुका नवी बायल जाय!'' बापायन अपुरबायेन सांगलें.

सियाब्र उतर पाळपी आनी कर्तव्य करपी भुरगो आशिल्लो. ताणें तीनय गजाली करपाचें उतर दिलें, पूण तो मात्सो गोंदळलो.

''बाबा तुमी सांगता ते भाशेन हांव वागतां. पूण ताची म्हाका कशी मदत जातली कोण जाणा!''

''आतां तूं चिंता करूं नाका वेळ येतकच सगळें सारकें जातलें.'' बापायन म्हणलें.

उपरांत तो दुकानदार चड दीस जगलोना. तो मरतकच सियाब्राक बापायक दिल्या उतरांची याद जाली.

''घरांतल्यान दुकानार वतना वतांतल्यान वचूं नाका.'' बापायच्या ह्या उतरांचो अर्थ सियाब्राक कळूंक नाशिल्लो.

ताचें दुकान घराकडल्यान लागींच आशिल्लें. सियाब्रान त्या ल्हानश्या रस्त्याक एक माटव घालो. दिसाचो केन्नाय येतना वतना रस्त्यार वत लागना जालें.

त्या माटवा खातीर सियाब्राक बरोच खर्च आयलो आनी हो फालतू खर्च केला म्हणून ताचे मित्र ताचीं फकाणां मारूंक लागले. पूण सियाब्रान तांकां इतलेंच सांगलें कीं, 'आपणें बापायक उतर दिल्लें!'



ताका दुसऱ्याय उतराची याद जाली. 'जेवतना तूं फकत शीत जेव.' हें उतर खरें करपाक ताका व्हडले त्रास नाशिल्ले. पूण थोडे दिसांनी ताका साद्या शिताचो कंटाळो आयलो.

केन्ना केन्नाय ताचे मित्र ताका आपल्यागेर जेवपाक आपयताले. पूण तो नम्रतायेन तांचीं आमंत्रणा घेना आशिल्लो. किद्याक तर, जर तांगेर शिता बरोबर दुसरे नग वाडले जाल्यार, ते खातकच बापायक दिल्लें उतर मोडटलें आसलें. पूण बापायक दिल्ल्या उतरांचें ताणे मित्राक कांय सांगलें ना.

लग्नाच्यो चलयो आशिल्ले बापूय सियाब्राकडे लग्नाचो प्रस्ताव घेवन वचूंक लागले. पूण ताची अट आयकून ते चकीत जाताले.

"हांव तुमचे चलये बरोबर लग्न करतां, पूण ती फकत एक सुमानच म्हजी बायल आसतली!" चलयांचे बापूय परत वताले, वतना आपलो राग आनी निर्शेणी व्यक्त करूनच फुडें वताले.

सियाब्राच्या जगावेगळ्या अटींखातीर चलयांचे बापूय ताचेकडे येना जाले. सियाब्राचें लग्न हो लोकांक एक विषय जालो.

सिरियाक, सियाब्राची विचित्र अट कळली, आनी ताच्या चिकाटेचो सभाव आवडलो. तिणें ताचेबरोबर लग्न करपाचें थारायलें आनी तिणें तशें आपल्या आवय-बापायक सांगलें.

तांकां धक्कोच बसलो. "आगो, ताणें तुका एका सुमानान परत धाडलें जाल्यार? तुजें कितें जातलें? सिरिया, तूं असलीं पिशेपणां करूं नाका, आमी तुज्या खातीर दुसरो बरो भुरगो पळेतां!" आवय-बापायन सांगलें.

"तो म्हाका परतो धाडचो ना. तुमी पळेतलींच." सिरियान निक्षून सांगलें. सिरियाचे आवय बापूय सियाब्रागेर गेले. ताणीं ताका सिरियाक घरा येवन मेळपाक सांगलें. सिरियाक पळेतकच तिचें रूप पळोवन ती ताका खूब आवडली. तो तिच्या रूपार भाळलो. प्रामाणीक सियाब्रान तिका आपणे बापायक कशें उतर दिल्लें तें सांगलें.

''आनी म्हाका बापायक दिल्लें उतर पाळपाकच जाय.''

''म्हाका तें सगळें खबर आसा. तुमी ते खातीर हुसको करूं नाका'' तिणें हांसत हांसत सांगलें. सियाब्राचें सिरियाबरोबर मोठ्या थाटान लग्न जालें. सियाब्राचे सगळे मित्र लग्नाक आयिल्ले. सिरियाच्या घरच्यानी रिसेप्शन दवरलेलें. रितीप्रमाणें जेवणावळ जातकच सियाब्र सिरियाक आपल्या घरा घेवन आयलो. ताचे मित्रय ताका घरापर्यंत पावन गेले.

''आतां हिका जर सुमानाभितर कायमची कुळारा धाडली जाल्यार हाजें सारखें दुर्देव ना.'' अशें ताचे मित्र आपसान उलयताले. सिरियान सियाब्राचेर सुमानभर खूब माया केली. सातव्या दिसा जेन्ना तो दुकानांतल्यान घरा आयलो तेन्ना खूब अस्वस्त दिसूंक लागलो. सिरियाच्या तें ध्यानान आयलें. पूण कांयच जावंक ना अशे तरेन ती घरांतलें काम करपाक लागली.

''फाल्यां हिका आतां परत कुळारा धाडूंक जाय. बापायक दिल्लें उतर कशें मोडूं?'' हो विचार मनान येवन रातभर सियाब्र हातुणार तळमळलो.

सकाळ जाली आनी तो दुकानार वचपाक तयार जालो. ''सिरया तूं आजून तयार जावंक ना?''

''म्हाका आयज खंय भायर वचपाचें ना!'' ताणें कांय न्हय कशें सांगलें.

''म्हाका तुका कुळारा पावोंक जाय, म्हज्या बापायक हांवें कितें उतर दिल्लें तें तुका खबर आसा न्हय? आनी दिल्लें उतर म्हाका पाळूंक जाय!'' सियाब्रान गंभीरपणान सांगलें.

''तुमी कितले सादे भोळे! तुमचो बापूय खूप दिलदार आनी हुशार आसलो! तुमकां गांवचे लोक हांसचे तुमचीं फकाणां करचीं अशें केन्नातरी तांकां दिसतलें आशिल्लें?'' सिरियान घोवाक विचारलें.

''तुका कितें म्हणपाचें आसा सिरिया?'' तिका कितें सांगपाचें आसा हें सियाब्राक कळलें ना. कित्याक तर तो ल्हानपणासून सादो भोळोच आशिल्लो.

''म्हणजे बापायक हांवें तांकां उतरां दिल्लीं तें,....''

सिरियाकान मदींच म्हणलें, ''आं तें हांव तुमकां सांगपाचेंच. जेन्ना मामाजीन सांगलेलें की घरानसून दुकानार वतना वतानसून वचूं नाका, तेन्ना तांकां तुमकां सुचोवपाचें आसलें, कीं सुर्य उदेचे पयलीं दुकानार वचचें आनी सुर्य मावळतकच घरा येवचें. अशी ताची इच्छा आसली. पूण तुमी कितें केलें. घराकडल्यान दुकानामेरेन माटव घालो आनी ताचेर बरोच पयसो खर्च केलो! कितलीं पिशेपणां हीं!''

थोडोवेळ थांबून सिरियान फुडें म्हणलें, ''ताणीं तुमकां शीतच जेव अशें सांगिल्लें. हाचो अर्थ तुमी ओगीच जेवणार चड खर्च करचो न्हय, असो जाता. म्हणून मित्रानी जेवणाक आपयलें तरीय बापायक उतर दिलां देखून सगळीं आमंत्रणां नाकारताले! फकत बापायखातीर! तांच्या आत्म्याक शांती मेळ्ळी आसतली!''

सियाब्र तिचेकडे पळेत रावलो. आतां तिसऱ्या उतरांबद्दल ती कितें सांगतली हाची ताका उत्सुकता आशिल्ली. सियारान खुलासो केलो ''तुमच्या बापायचो हेतू इतलोच आशिल्लो कीं तुमी तुमच्या बायलेक प्रेमान आनी मायेन वागवचें. तुमी जर तुमच्या बायलेकडे पयलींच पळेल्ले प्रेमळ नजरेन जर सदांच पळेत तर ती तुमकां सदांच नवी कशी दिसतली!''

सियाब्र तिचेकडे पळोवन दिलखुलास हांसलो. ''सिरियाक तूं इतलें हुशार आसतलें, अशें हांवें चितूंक पासून नाशिल्लें. ना, ना, हांव तुका केन्नाच तुज्या कुळार धाडचो ना. म्हजी आवडती बायल म्हणून हांगा कायमचें तुवें रावूंक जाय आं!'' ताणें म्हणलें. त्या उपरांत सियाब्र आनी सिरियाक दोगांय आठव्या दिसा पासून आनंदान संवसार करपाक लागलीं.

❀❀❀

– लक्ष्मीकांत कामत
खोर्ली, म्हापुसा.

गोंय सरकार

भारतीय भासांचे उदरगती खातीर
सगळे तरेची उर्बा दिता

गोंय हें कोंकणीचें मूळ पीठ
आनी
देशांतलें एकमेव कोंकणी राज्य

ह्या राज्याची राजभास आशिल्ल्या
कोंकणी भाशेच्या राष्ट्रीय पावंड्यावेल्या

अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेच्या
२६ व्या अधिवेशनाक
हुनहुनीत परबीं

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें
गोंय सरकार



हारसो

म्हजे आलमारीचो हारसो
काल नकळत फुटलो
सामको फुटिल्लो
कुडक्या कुडक्यांनीं फुटिल्लो
एकावाटेन वायट दिसलें
तोंड पळोवपाक
म्हजेकडेन आनीक हारसोच ना
इतल्या वर्सांचो
हो हारसो
आयज कुडक्यां कुडक्यांनी फुटिल्लो
बेल वाजली
म्हूण दार उगडलें
तूं दारांत उबो
बरें दिसलें
कांय खिणाक दिसलें
हारसो फुटलो तो बरो जालो
तुच्या दोळ्यांत पळोवंक मेळ्ळें
हांवें म्हाका तुच्या दोळ्यांत पळयलें

– सुफला रूद्राजी गायतोंडे
मिरामार – पणजे.
मो. – ९८२३१११९१७

फुल भेटयतात

फुल भेटयतात
देवळांतल्या देवाक
वेदीवयल्या सोयऱ्यांक

फूल भेटयतात
व्हंकल–न्हवऱ्याक
लग्न – समारंभाक

फूल भेटयतात
शाळेंतलीं भुरगीं
शिक्षकांक

फूल भेटयतात
येवकाराक आनी
अंतसंस्काराक

– सौ. दिपा दिलिप खोलकार
दिकरपाली मडगांव
फोन – २७६६००३

उलो

कोणे उलो केलो?
आयज कोणे साद घालो?
निश्ठूर काळा न्हंयी व्हाळांत
वर्सां व्हांवोन गेलीं
भरल्या घरांत उबो हांव
भरती भारां यादी
पयसुल्ल्यान सांकवावैल्यान
कोणे करू केलो?
कोणे उलो माल्लो?
आयज कोणे साद घालो?
मायभुमी कुकुममात्येंत
घोळून घोळून वाडलीं
पिवन अमृत उदक वारें
पाळांमुळां रूजलीं
आयज गांव दूर जालो
तरी जीव थंयच जडलो
कोणे उलो केलो?
आयज कोणे साद घालो?
आंबे पणसा काण्णा रूचीन
जीव रंगी जांभूळ
भाटभूंय पयस आतां
जीव आकूळ पिकूळ
काळजांत कळ आयली
आयकून बांदावैली हळी
कोणे उलो केलो?
आयज कोणे साद घालो?
उत्सव परब खंयचो आयज
खंयचो सण सुवाळो
देवळा दारांत झडली इशारद
घडलो सुख सुगुरवो
आयज अचरयां खंयच्यान कोणे
सूरमेळ सादलो?
कोणे उलो केलो?
आयज कोणे साद घालो?

– इंदू अशोक गेरसप्पे
बेंगलोर

कांयच कळना

नवडून येता कसो
मंत्री जाता कसो
खावपाक शिकता कसो
कांयच कळना

हात कसो मारता
गिरेस्त कसो जाता
दुडू खंय पुरता
कांयच कळना

मारूंक जाणा आसलो
मोडूंक जाणा आसलो
ओडूंक केन्ना शिकलो
कांयच कळना

देव मनीस बाबडो
घोटाळ्यांत कसो फसलो
कोर्टांत कसो सुटलो
कांयच कळना

शिंगां फुट्टात मंत्र्याक
पुताक, जांवयांक, मेवण्यांक
पाखां कशीं फुट्टात
कांयच कळना

पूत एकदम बरो
चेडवांक पळय नासलो
बलात्कार कसो जालो
कांयच कळना

शिकपाक एकदम गड्डो
गुंडांचो आसलो अड्डो
इतलो केन्ना शिकलो
कांयच कळना

बापायन केलें राजकारण
पुतान केलें अर्थकारण
तिकेट कशी मेळना
कांयच कळना

आमदार जाता जाणा
मंत्री जाता जाणा
स्मगलर कसो जाता
कांयच कळना

सगलें धर्मान चलतालें
एका-मेकाक तारतालो
काडी कोणें लायली
कांयच कळना

वाचूंक नकळ कांय
बरोवंक नकळ कांय
सरकार कसो चलयता
कांयच कळना

गरीब बरे शिकतात
इंटरव्यू बरे दितात
नोकरी कशी मेळना
कांयच कळना

कांयच नकळ आसलो
फेल जाता तसलो
जॉब कसो मेळटा
कांयच कळना

कोणा हाताक लायतात
कोणा बोल्सां भरतात
पोस्ट कसो घेतात
कांयच कळना

चोराक करतात साव
सावाक करतात चोर
हें कसलें राजकारण
कांयच कळना

थुंकयो लेगीत चाटल्यो
पोटां जालीं मडक्यो तरी
कित्याक मारतात उडक्यो
कांयच कळना

मनीसपणा केली होळी
सगलेच घालता गाळी
मतां दिता कोण
कांयच कळना

देश गरीब आमचो
मंत्री गिरेस्त कसो
जादू जाता कसो
कांयच कळना

इतलीं करून शोशणां
सफाईचीं भाशणां
खंयच्या तोंडान करतात
कांयच कळना

गांवचो बरो इश्ट
एके रातीन दुश्ट
कसो जाता भ्रश्ट
कांयच कळना

गांधीजीक पडटात पायां
स्वातंत्र सैनिकांक ओपतात फुलां
तरी कशे सुदरनात
कांयच कळना



– भरत नायक
रेगो बाग,
आल्तो सांताक्रूज

हांव धर्तरेचो उपासक

धर्तरेचेर मोग दवर म्होण
केन्ना म्हजा अंतस्कर्णनान म्हळ्ळें
तेन्ना सावन हांव कवी जालों
आनी धर्तरेचो उपासक जालों
धर्तरेकडेचो मोग म्हजो
उपाट भरून व्हांवलो

काव्याचें अदृश्य हातांनीं
धर्तरेक हात लावन दोळ्यांक लायलें
काव्याचें अदृश्य दृश्टेंतल्यान
धर्तरेक पळेवंन काळजांत प्रतिष्टायली
हांव कवी जालों
धर्तरेचो उपासक जालों

काव्याचें अद्रश्य शब्दांनीं
धर्तरेविशीं तुस्त गायलें
अदृश्य पावलाच्या मृदळ स्पर्सांनी
धर्तरेक त्रास दिनांशीं चलो
हांव कवी जालों
धर्तरेचो उपासक जालों

धर्तर मिजेर प्रसन्न जाल्या
परत मोग परगटायता
फुलांच्या निसर्गीक परमळांतल्यान
अदृश्य शब्दांच्या संवेदनातल्यान
धर्तर मोग परगटायता
हांव तिजो उपासक आसा

– आर. एस्. भास्कर
१०/५३९ अमरावती, कोची – ६८२००१
फोन : ९३८७५०५९५१



दिगंत मापणी

अशी ती दिगंत मापणी
म्हज्या जिविताची
अशी मापणी
म्हज्या भावनाची
म्हज्या रंगाची
म्हज्या लांबायेची
काळजांतल्या खोलायेची
खोलायेंतल्या काळखी हुंवाराची
दोळ्यांतल्या दुकां भरते भाराची
तिरश्या, घारश्या, काळश्या दोळ्यांच्या
बुबूळांतल्यान
ही म्हजी मापणी चल्ल्या
लग्नाच्या भरिल्ल्या बाजारांत
जोखून, तोलून, मोलून, मापून
अशीं युगां आरततात, परततात
मापणीचें माप बदलता
रूपां बदलतात
पूण तीच दिगंत मापणी
चलता अजुनय म्हज्या
लाृबायेचो, रंगाचो
थाव घेत

– राजश्री सैल
मडगांव – गोंय.

संगीतमय

फांतोडेर उठलो कोंबो
गायत राग भुपाळी
चिमण्यानी साथ दिली
सुंदर इंद्रधनूवरी
गाय गोठ्यांत हांबेता
धूप राग रंगला
पाडकाची जुगलबंदी
दुदा घोंटार सजला
पावसाची शिरी शिरी
गायत मेघमल्हार
त्याच सुरार त्याच तालार
गांव असो धुंद जाला
तिनसांजच्या वेळार
सैम गायता केदार
उमळशीक ओपतां
निरंजना धार
यमन गायत गायत
सोबीतकाये रंगलें सपन
सपन धुंदजावन
रचलें नवें कवन
कवीच गायता भैरवी
जिवीता वाट सारतना
मनामना, खिणाखिणांत
जग संगीतमय जालां

– भिकाजी घाणेकार
लिदिया गार्डन,
सांत इनेज, पणजी
फोन : २४३१३६५

पाकिस्तानांतले परिस्थितींतलो धडो

पाकिस्तान देस हो आकांतवादी मनशांक पोसपी देस म्हण पुराय संवसार मानता. कितल्योच आकांतवादी संघटना थंय वावुरतात आनी निश्पाप लोकांक मारून उडयतात. ना जाल्यार तांचें जिणें हराम करून उडयतात. हो आकांतवाद फक्त पाकिस्तानातच न्हय तर पुराय संवसारांत फांकारून पडिल्ल्या आकांतवादाक मेळून आसा. मागीर तो श्रिलंकेचो जावं वो चिनाचो जावं वो अमेरिकेचो जावं. विनाकारण आनी सूडभावनेन देवान रचिल्ल्या मोगाळ मनशांक बळी जावंचे पडटा. पाकिस्तानांतल्या आकांतवाद्यांची मुळां खंय-खंय आसात तें भारताबरोबर अमेरिकेक लेगीत खबर आसा. फक्त आंतरराष्ट्रीय समजोते आनी सोयरीगत इबाडची न्हय ह्या खातीर गरजे भायर कोण तरी देशभक्त जाता, कोण तरी सती वता ना जाल्यार कोण तरी आत्मदहन करता.

ह्या विचारांक विरोध करपी मनीस नांत पाकिस्तानांत? आसात. खूब लोक आसात. तांकां पाकिस्तानचें धोरण मानवना. परराष्ट्र खात्याचें ध्येय आवडनांत. 'जिहाद' म्हण जगपी कांय लोक आपल्या शेजारच्या भावंडांक वळखनांत, सोयऱ्यांक वळखनांत. बारीक पळोवंक गेल्यार तांचे राजकी सत्तेचें मूळच वेगळें आसा. देखून सामान्य मनीस फक्त सहन करीत आसा. मूठभर लोक एका देसाक पांगळो करून उडयतात. भिरांत आनी आकांत हाडून लोकांक बेंकडायतात, रगत वारोवन भुरग्यां-बाळांची न्हीद चोरून व्हरतात. हातूंत कोणाचो फायदो आसा? अशें वातावरण आसतना सवस्तकाय आनी शांती खंयतरी जळखता?

पाकिस्तानांत वेंचणूक प्रक्रिया सुरू जावन अर्ध्यारच बंद पडून आसा. प्रत्येक पक्षाच्या फुडाऱ्या मुखार आपलो देस संवसारीक नकाशार कसो जळखतलो हो मुखेल विचार अजूनय आसा. थोड्यांक भारता भशेन लोकशाय जाय जाल्यार थोड्यांक परवेज मुशर्रफाची गुलामगिरी जाय. नवाज शरीफ आनी इम्रान खान खंय तरी मदीं पडटात आसत पूण तांकाय दहशदवाद आनी आकांतवाद आपल्या देसांत जाल्लो नाका. अशे परिस्थितींत अकस्मात २७/१२/२००७ दिसा सांजेच्या वेळार पाकिस्तानाची आदली प्रधानमंत्री बेनझीर भुत्तो हिका गुळयो घालून फारान मारली म्हण आयकले उपरांत पाकिस्तान हो कसलो देस हें थावे जालें. वेंचणूक प्रक्रिया चालू आसतना अशें घडप म्हळ्यार आमच्या राजीव गांधीक मारपी आत्मघाती जित्या बॉम्बरांची याद जाली. भिवकूरपणा आनी लजेची गजाल ही.

पाकिस्तानांत लोकशाय रूजूंक शकना आनी ती थारूंक शकना म्हण ह्या आकांतवाद्यानी दाखोवन दिलें. हें सांगपाक ताका बॉम्बस्फोट करचे पडले, लोकांचे कान फुटपा इतलो बोवाळ करचो पडलो. दोन फावट प्रधानमंत्री जाल्ल्या बेनझीराक पाकिस्तानान हद्दपार केल्ली. आठ वर्सांनी ती परत आयिल्ली. अमेरिकेच्या मध्यस्तीन परवेज मुशर्रफान तिका पाकिस्तानांत येवंक परवानगी दिल्ली, आनी नाका नाका म्हणत वेंचणुकेंत वांटो घेवंक दिल्लो. हद्दपारी उपरांत पाकिस्तान भुंयेर पांय दवरता त्याच दिसा (१८/१०/२००७) तिच्या येवकाराक काडिल्ले मिरवणुकेक तिका बॉम्ब घालून मारपाचो अयशस्वी यत्न जाल्लो. तेदे वेळार बेनझीरान उदगार काडिल्ले 'ते म्हाका मारूंक सोदिनांत, बगर हांव ज्या लोकशाय आनी उदारमतवादी विचारांचे प्रतिनिधीत्व करतां. त्या विचारांक ते मारूंक सोदतात. म्हाका खबर आसा म्हाका कोण मारूंक सोदतात ते.' पयले फावट ती चुकली पूण दुसरे फावट आकांतवाद्यांक यश आयलेंच.

१९५१ वर्साक तेन्नाचे प्रधानमंत्री लियाखत अली खान हांका

फारान मारिल्लो. कारण तो मानपाक तयार नाशिल्लो पाकिस्तान म्हळ्यार इज्लामीक देस म्हण. जेन्ना ताचेर पाळी आयली पाकिस्तान इज्लामीक देस म्हण, तेन्ना ताणी न्हयकार दिलो. ह्या रागान ताचेर फार सोडून जिवोच मारून उडयल्लो. ह्याच लुगाराचेर म्हळ्यार रावळीपिंडीत लियाखत बागेंत बेंनझीराची हत्या करून पाकिस्तानांत मनीसपणा भायल्यो गजाली घडटात म्हण दाखोवन दिलें.

उपरांत १९७९ वर्साक बेनझीराचो बजूय झुल्फीकार अली भुत्तोक फांशी दिवन मारून उडयल्लो. ही फांशी दिवपी आशिल्लो तेन्नाचो प्रधानमंत्री झिया-उल-हक. ह्यो आगळ्यो घडणुको कितें दाखयतात? मनीसपण? मोग? शांती? एकचार? हाचो आमचो खंयतरी संबंद आसा?

आता मुशर्रफ आपली कात लिपोवंक, आकांतवादी संघटनांनी तिका मारल्या अशें दाखोवंक सोदता आनी अल-कायदा ही आकांतवादी संघटणा दाखय-लिपय करता. ते म्हणटात 'पाकिस्तानाची ही परिस्थिती जाल्या ती फक्त मिलिटरी सुदारूंक शकता. बेनझीराक जाय आशिल्लो राष्ट्रीय सरकार. आकांतवादी मानतात तो धोक्याचो थारतलो आनी तो पाकिस्तानाक इज्लामापासून पयस व्हरतलो. प्रांत विस्कळीत जातले. ह्या सरकारांत मुशर्रफाक खंयच सुवात ना. बेनझीराचे मिलीटरी कडेन आनी देसाच्या मुखेल क्षेत्राकडेन संबंद नाशिल्ल्यान ती देसाक भारता सारखी करूंक शकता जें आमकां नाका. हांगा जहांगीरदारीचे नेम चलूंक जाय, लोकशाय न्हय. आकांतवाद वाडला जाल्यार तो आमकां लागून न्हय, तर ताका राजकी परिस्थिती जबाबदार आसा. सरळ आनी नितळ वेंचणूक जाली जाल्यार आमकां हांगाच्यान पळून वचचें पडटलें.....' अशे साबार वाखे दिवन आकांतवादी संघटना आपली बाजू घट आशिल्ल्याचें दाखयतात. पूण सत गजाल जावन आशिल्ली बेनझीराक वेंचणुकेपासून आनी सत्तेपासून पयस दवरप तशेंच पाकिस्तानांत लोकशाय हाडप ना. तिच्या मरणावयर सरकार पुराय संवसाराकडेन 'डबल गेम' खेळत आयल्ले आसात. अमेरिकेक आनी भारताक हाचो चड अणभव आसा. पूण एकच अजाप दिसता अमेरिका आजून पासून पाकिस्तानाक आकांतवादी देस म्हण कित्याक जाहीर करिना? आतां तरी....

भारतांत पसरिल्ल्या आकांतवादाक पाकिस्तान कितलो जबाबदार आसा हें लोकांनी सांगूंक जाय? भारतान एक धडो शिकपाची गरज आसा. ह्या ना त्या नात्यान पाकिस्तान आमचे कडेन झगडीं-झुजां मांडीत आसा. काश्मीर हो एक बरो विशय तांचे कडेन आसा. ह्याच काश्मीराच्या नांवान ते भारताच्या सगळ्या राज्यांनी आपलें जाळें विणत आसात. कितले फावट गोंयांत लेगीत सतर्कताय बाळगिल्या. आपल्याच देसाच्या फुडाऱ्यांक जर ते जिवेशी मारपाक शकतात जाल्यार दुस्मान देसांच्या फुडाऱ्यांक बऱ्यान सोडटले?

भारतान, भारतीय फुडाऱ्यांनी आनी भारतीय जनतेन पाकिस्तानापासून चतूर रावपाची गरज आसा. आमच्यो शिमो, आमचे वाठार, आमची भूंय, आमचीं सादनां शाबूत दवरपाक आमी विचार करपाची गरज आसा. आंतरराष्ट्रीय संघटनांक विस्वासांत घेवन हो कश्मीराचो प्रश्न एकदांचो काबार करून 'चायना वॉल' सारखी आमचीय एक वॉल घालपाची गरज आसा. ते सरळ भाशा समजनांत, मोगाळ उतरां वळखनांत आमी तांचे पसून वेवस्थीत पयस सरले नांत जाल्यार मुखावयल्या काळांत आमकां ताची किम्मत मेजची पडटली. आमच्या राजकी मनशांनी ताचेकडेन प्रामाणीक रावतले हाची शास्वती कोणच दिवंक शकना. तांचें सरकार सोडूच, तांचे फुडारी लेगीत हेरांच्या दोळ्यांक पाना पुसतले देखून, आमीच शिटूक आसूंक जाय आनी आमची दिशा बदलून आमच्या विचारांक वळण दिवंक जाय.एका देसाचे विचार व्हांवून वचून आमचेर गदा येवंचे पयलीं आमीच गदेक प्रतिकार करूंक आमीच तयार जावंया आनी पाकिस्तानाक आनी ताच्या आकांतवादाक भारताचेर नदर घालूंक मेळचिना अशीं पावलां उखलुया. देशभक्ती हीच राजकारणाक आनी आकांतवादाक दुखनाशिल्ली जाप आसा.

❀❀❀

-विन्सी क्वाद्रूस
'स्नोज कृपा'
आर्लेम राय,
साल्सेत गोंय.
मो : ९८२२५८७४९८

मावशेलो बंगलो

भुरग्यांक स्कुलाक सुटी पडिल्ली म्हणून हांवूय तांचेखातीर चार दीस सुटी घेवन कुळारा रावपाक गेल्लें. कुळारा बी गेलें म्हणटकूच चार दीस बी रावचें पडटा. म्हाका मात खंयूय गेल्यार चड दीस बी रावपाक मेळना. रावपाक वचप म्हळ्यार घर बंद करून वच्चें पडटा न्हय! एकटांय फॅमिलीत रावत जाल्यार तें एक बरें जाता. फाटल्यान हुस्को जायना. बिनदास्त रावपाक मेळटा. आवयगेर म्हूण कितें चार दीस रावलें जाल्यार, आयलें आनी गेलें तें.... खूप तेपान आयलें म्हूण चार दीस रावता. बेटेंच आवयच्या दोळ्यांक उदक लावपाक येता. अशें आयकुचें पडटा. वचना जाल्यार ताका आनी आमची याद जाता.... हेंवूय आयकुचें पडटा. तरी पूण कशेंय करून चार दिसांखातीर हांव भुरग्यांक घेवन वतांच.

कुळारा गेल्या उपरांत सगळ्या इश्टिणींची, सोयऱ्यांची याद जाता. मागीर हांव लागीं-लागीं आशिल्ल्या इश्टिणीगेर वचून बी येतां. बारीक जालें, मोटे जालें हेंवूय सगळें आयकुपाक मेळटा.

एक दीस कितें जालें, हांव आवयगेर आसतनाची खबर, म्हजो धाकटो भाव दिनेश आपूण पळोळे वचून येतां म्हूण भायर सल्लो. हांवूय येतां मरे तुज्या बरोबर अशें म्हणीत ताचे बरोबर हांवूय भायर सरलें.

''तूं कित्याक वता गो?'' म्हजे आवयन म्हाका म्हळें.

''खूब तेप जालो न्हय गे पळोळे गेल्यार. तो वताच न्हय, बेश्टेंच वतां गे ताजेबरोबर.''

''आगो, तूं वताच जाल्यार आशागेर मात्शें वचून यो.''

हें आनी आशा कोण? हांव चिंतपाक पडलें. मागीर तिणेंच सांगलें, ''आगो म्हजी मावसभयण. तें तुजी सदांच याद काडटा. तांणी पळोळे व्हडलो बंगलो बांदला. रावपाक लागल्यार आतां स म्हयने जातले. म्हाका सांगतालें तें. रूपा आयलें जाल्यार आमगेर धाड हां म्हण.''

''मागीर घरप्रवेशाक म्हाका तिणें सांगूंक ना मगे.''

''आगो सामकें गडबडीत केला गो ताणी. म्हण्टालें तें रूपाक सांगूंक ना म्हण. पूण तूं आयलांच न्हय गो. वचून यो. ताकाय बरें दिसतलें.''

म्हाका मात तिडकूच मारली. गडबडीत जाल्यार कितें जालें, म्हाका सांगप ना. फोन करपाक जायना आशिल्लो? ताका बरें दिसतलें खंय?

आगो, सांगूंक ना ते बरें जालें म्हण. आपयलां म्हणटकूच तुका मुद्दाम येवचें पडटलें आशिल्लें. आनी बरेशें गिफ्टय व्हरचें पडटलें आशिल्लें, भावानूय म्हजीं फकाणां केलीं.

बरें आसा, वतांच थंय, तिचेर इल्लो राग काडून येतां. अशें म्हणत भावाबरोबर हांव भायर सल्लें. वतना वाटेर म्हाका जायत्यो आदल्यो इश्टिणी मेळ्ळ्यो. मात्शें रावत-रावत गेलें. तांच्यो बऱ्यो वायट खबरोय आयकुपाक मेळ्ळ्यो. इतले म्हणसर मावशेल्या घराकडेन पावलें.

खरेंच, आई सांगताली तशेंच आशिल्लें. इतलो व्हडलो बंगलो.... पयलीं भावाकूच हांवें मुखार धाडलो आनी हांव फाटल्यान गेलें. भावान दारार वचून मावशे-मावशे म्हूण उलो मारलो. पूण मावशेन दार उगडलें ना. मागीर हांवेंच भावाक म्हळें,

''खरेंच मरे हें मावशेचें घर?...''

''हय गो. आमी आयिल्ली घरप्रवेशाक.''

''आतां हांव पळयतां.'' अशें म्हणत हांवें दाराची बॅल वाजयली आनी दार दुखळ्ळें. इतल्यान दार उगडून फॉरेनर दादलो आनी बायल भायर आयलीं. घडये तीं घोव-बायलूय आसत, हांव तांकां पळोवपाकूच पडलें. ''आवयस! मावशी अशी कशी जाली.....?''

भावान म्हाका हळूच चिमटो काडलो आनी ओगी राव म्हळें. भावानूच तांकां विचारलें, आशा म्हणटात तें खंय रावता? तांकां आशाचें नांव घेतकच रोखडेंच कळ्ळें. तांणी दावेसायडीन बोट दाखयलें. आमीय तेवटेन पळयलें. कुशीक एक चुडटांची खोप आशिल्ली. ते खोपीक

वेल्यान पत्रे घातिल्ले आनी सायडीन चुडटां बांदून काडिल्लीं. दार सुध्दा चुडटांचेंच आशिल्लें. पूण भायर मात कोणूच नाशिल्लो. फकत एक लाकडाची खुर्ची आशिल्ली.

एदो व्हडलो बंगलो आनी कुशीक चुडटांची खोप, कितें बाये ही अवदीसा. ल्हान भुरग्यांक दिश्ट लागपाक जायना म्हूण खंय इल्लोसो काळो तिबो लायतात, तशेंच कशें दिसलें म्हाका.!

''मावशेन दिश्ट लागपाक जायना म्हूण बंगल्या कुशीक ही चुडटांची खोप बांदल्या काय कितें रे....?'' हांवेय मात्शे मोट्यानूच म्हळें. भावान म्हाका परतून ओगी राव गो मात्शे, म्हणत हळूच चिमटो काडलो.

भावान कितें केलें, खोपीकडेन गेलो. भितर कोण दिसता कांय म्हूण बावगोन पळयलें. पूण ताका कोणूच दिसलोना. मागीर तांणी एक लांब बडी घेतली आनी खोपीचेर वयर घेतिल्ल्या पत्र्याचेर मारून आवाज केलो आनी मोट्ट्यान ''ओ... घरा....'' म्हूण उलो मारलो. मावशे म्हणपाकूय भंय. हांवें ताका पयलींच सांगून दवरिल्लें, त्या खोपीकडेन वचून मावशे म्हूण उलो मारूं नाका हा.... तातुंतल्यान फॉरेनरबी भायर सरत..... हांगां पळयत जाल्यार सगळें वेगळेंच कशें दिसता. कोण रावतात तें तरी कशें कळटलें? पूण त्या पत्र्याच्या आवाजान मात मावशी भायर आयली.

मावशेन म्हाका पळयलें आनी 'बाय' म्हूण घट्ट वेंग मारली. केन्ना आयलें गो तूं...? कशें आसा गो.... एकटेंच आयलां...? अशे जायते प्रश्न तिणें म्हाका भायरूच विचारले. म्हाका म्हजी आवय-बापूय, भाव-भयणां सगळीं बाय म्हूणच उलो मारतालीं. ताका लागून मावशीय म्हाका बाय म्हूण उलो मारताली. बाय म्हणना बरोबर म्हाकाय मात्शें आपलेंपण कशें दिसलें.

''आगो तुमकां भितूर आपोवपाचें साणून हांव भायरूच उलयत रावलें, यो मुगो भितूर.'' अशें म्हणत तिणें आमकां भितर व्हेलें. आमी दोगांय भितर गेलीं. भावाक बसपाक भायली लाकडाची खुर्ची हाडून दिली आनी म्हाका शेंदरी घालून दिली. हांव ते शेंदरेर बसलें. मावशीय म्हजे बरोबर शेंदरेर बसली.

म्हाका सामके चिमटे येवपाक लागले. कितें करूं, मावशेक आतां कितें विचारूं, मावशे तुमची ही कसली गे दशा जाल्या अशें म्हणू....? कांयच कळना जालें. भावूय म्हऱ्यांत नाशिल्लो.

''मावशे, ...आई म्हण्टाली, आशा मावशेन व्हडलो बंगलो बांदला म्हूण. पूण तुमी हे चुडटांचे खोपीतशीं रावतात. बंगलो विकलो काय कितें गे?'' अशें म्हणना बरोबर मावशी खो... करून हासपाक लागली.

''आगो बाय, हांवें बंगलो विकूंक ना. तो फोरेनराक भाड्याक दिला. दिसाक दोन हजार रूपया म्हाका ते फारीक करतात. धा दीस रावल्यार वीस हजार रूपया दितात. मागीर इतले पयशे मेळटात जाल्यार थोडे दीस हे खोपींत रावपाक कितें जालां?''

आवयस! हें आयकून म्हाका कितें जालें म्हूण सांगू.

''मावशे तुमचें सामान गे ?.....''

''आगो तातुंतले दोन रूम हांवें दवरल्यात. तातूंत सोफा, खुर्च्यो, आलमारी, खाटी,.... सगळें त्या दोनूय रूमांत भरून दवरल्यात.''

मनांत म्हळें, येदे व्हडलें घर बांदून सुध्दां ह्या सगळ्या सामानाक एक-मेकाचेरूच रावचें पडलें तर. चुरचुरे... त्या सामानाचे.!

'चुरचुरें' हें उतर मावशेच्या कानार पडलें.

''कितें गो बाय....?'' मावशेन म्हळें.

''काय ना गे मावशे..... हांव चित्तालें, तुमी आतां कितलो तेप हे खोपीन रावतलीं काय म्हूण.''

''आगो होच सिजन गो तो, मार्च, एप्रील आनी मे हे तीन म्हयनेच जोडपाचे, मागीर पावसाचे दीस न्हय गो. आगो हे सगळे बंगले दिसतात न्हय त्या सगळ्या बंगल्यांत कोण रावतात म्हूण जाणा तूं? सगळ्यांनी त्यो फॉरेनराक भाड्यांनी दिल्यात. भरपूर भाडेंय मेळटा तांकां. बंगल्या कुशीक त्यो इल्यो इल्यो खोपी दिसतात न्हय तातूंत त्या बंगल्याचे मालक रावतात. तें पळोवन म्हाकाय दिसलें हांवे कित्याक करचें न्हय, म्हूण हांवेय म्हजो बंगलो भाड्याक दिला.''

''हय गे, तें खरें तुजें. पूण सोयऱ्यां धायऱ्यां कोणूय आयलीं जाल्यार हे खोपींतूच दवरतलीं?''

''आगो, आतां कोण कोणागेर रावता? येतात आनी वतात....'' अशें म्हणून मावशेनूय म्हाका एक थोमणो माल्लो.

''बसात हां, च्या करतां.'' म्हूण सांगून मावशी भितर गेली.

''मावशे, नाका गे च्या, काळोख जालो... आईन बेगीन यो म्हळां.''

''आगो तूं पयलेच फावट आयलां आनी कांय घेनासतना वता? म्हजो बंगलो तुका दाखयतलीं आशिल्लीं. पूण दाराक चावी केल्या. आत्ताच भायर सल्ल्यां आसतलीं तीं!''

हांवेंय मनात म्हळें, वीस - पंचवीस लाख मोडून बंगलो बांदप आनी मालकीण जावन दुसऱ्यान रावप?

❀❀❀

- कुमूद भिकू नायक
खोर्ली, तिसवाडी-गोंय

साहित्य अकादेमी आनी मंगळुरच्या राकणो नेमाळ्याच्या जोडपालवान १२ आनी १३ जानेवारी २००८ ह्या दिसा मंगळुरच्या कोडियाळ बैल हांगच्या बिस्पाच्या घरच्या सालांत साहित्याचे उदरगतीक नेमाळ्यांचें योगदान ह्या विशयाचेर २ दिसांचें चर्चासत्र जालें. ताचें उक्तावण करतना सुनापरान्ताचे संपादक संदेश प्रभूदेसाय, साहित्य अकादेमीचे कोंकणीचे प्रतिनिधी नामनेचे लेखक दामोदर मावजो आनी साहित्य अकादेमीचे डॉ. खुर्शीद आलम.

साहित्याचे उदरगतीक बिम्ब नेमाळ्याचें योगदान ह्या विशयाचेर बिम्ब मासिकाचें योगदान आनी तें दितना आयिल्ल्यो आर्थिक, राजकीय, साहित्यिक आडखळी हाची विस्कटावणी करतना बिम्ब मासिकाच्यो वेवस्थापिका कामिनी किणी. माचयेर बिम्ब मासिकाचे संपादक दिलीप बोरकार, राकणो सातोळ्याचे आदले संपादक फा. मार्क वाल्डर आनी वावराड्यांचो इश्ट नेमाळ्याचे संपादक फा. उबाल्दू फेर्नान्डीस.

दोन दिसांच्या चर्चासत्राचो समारोह सुवाळो. माचयेर साहित्य अकादेमीचे कोंकणीचे प्रतिनीधी दामोदर मावजो, डॉ. खुशीद आलम, राकणो सातोळ्याचे संपादक फा. फ्रान्सीस रोद्रीगीश, ओंदू वर्साचो साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार प्राप्त जाल्ले लेखक देविदास कदम आनी मुखेल सोयरे.



मंगळुरांत बस्ती वामन शेणै हांच्या मुखेलपणा खाल कोंकणी भास आनी संस्कृती प्रतिश्ठान हांचे वतीन तयार जाता विश्व कोंकणी संकूल. ह्या संकुलाचो बांधकामाचो वावर सुरू आसा. मुखेल प्रवेश दाराचें हें चित्र. पुराय संवसारांत पातळिल्ली कोंकणी संस्कृताय नोंद करपाचो वावर ह्या संकुलांत जावपाचो आसा.

कोंकणी भास आनी संस्कृती प्रतिश्ठानच्या विश्व कोंकणी संकुलाच्या उबारणेची म्हायती दितना बस्ती वामन शेणै.साहित्य अकादेमी आनी राकणो नेमाळ्याच्या जोड पालवान मंगळुराक हालींच एक चर्चासत्र जालें. त्या निमतान थंय हाजीर जाल्ल्या वेगळ्या वेगळ्या राज्यांतल्या प्रतिनिधींक मुद्दाम आफोवन व्हरून बस्ति वामन शेणै हाणीं वावराची म्हायती दिली.

कुरपणो हो विन्सी क्राद्रूस हांचो कथा झेलो. विन्सीक चडशे वळखतात स्थंभ लेखक म्हणून. दिसाळ्यांनी आपणाल्या स्तंभांवरवीं दिसपट्टे जिणेंतल्या विंगड विंगड प्रस्नांचेर प्रहर झोत घालपी एक युवा लेखक म्हूण ताची वळख. विन्सी कथाय बरयता. कुरपणो हो ताचो पयलो कथा झेलो.

ह्या झेल्यांतल्या कथांनीं विशयांची विविधताय आसा ती नदरेंत भरपा सारकी. चडशे विशय सामाजीक आशयाचे. लेखकाचीं समाजीक बांदीलकी ह्या कथांतल्यान स्पश्ट जाता. समाजांतल्यो अनीश्ठ परंपरा, बायलांचेर जावपी अन्याय आनी अत्याचार, सोऱ्याचे दुशपरिणाम, राजकारणांतले सुवार्ती फुडारी अशे अनेक विशय ताणें बेसबरे हाताळ्यात.

१३८ पानांच्या ह्या कथाझेल्यांत १६ कथा आसात. ह्या पुस्तकाक कोंकणींतले नामनेचे जेश्ठ कथाकार दामोदर मावजो हांची प्रस्तावनां आसा. प्रकाशक : स्नोज प्रकाशन, मुखचित्र : विली गोयश, मोल : १०० रुपया.

दांडी, मालवणचे रूजारिओ पास्कॉल पिंटो हे एक नामनेचे उद्योजक आनी समाज सेवक. नुस्त्याचो वेवसाय मोठ्या प्रमाणांत करता आसतनाच रूजारिओबाबान आपले भितरलो कवी अजून जिवो दवरला. माऊली हो तांचो मालवणी कोंकणी आनी मराठींतलो कविता संग्रह उजवाडाक आयिल्लो आसा. पुणेच्या अनुबंध प्रकाशनान उजवाडाक हाडिल्लो हो कविता संग्रह १२० पानांचो आसा.पुस्तकाचें मुखचित्र - सेलेस्तीन शिरोडकार हाणी काडिल्लें आसा आनी प्रस्तावनां गंगाधर महांबरे हांणीं बरयलीं आसा. रूजारिओ पिंटो हांचो आनीक एक कोंकणी कविता संग्रह रोखडोच उजवाडाक येवपाचो आसा.



ता ता तिंगण हो संतोषकुमार गुल्वाडि हांची कन्नड आनी देवनागरी कोंकणी लिपयेंतलें भुरग्यांच्या ओवयांचो संग्रह. ह्या पुस्तकांत १११ ओवयो आस्पावतात. आमकां खेळयतना, पायण्यान घालतना, जेवतना, खातना, तेल लायतना, न्हातना भुरगेपणार जीं पदां म्हणटात आनी जीं हळूहळू काळा भायरीं जायत वतात तांचो संग्रह करून तो वेगवेगळ्या विभागांत हांगां संग्रहीत केल्लो आसा. पुस्तकाचें प्रकाशन : बस्ति वामन शेणै हाणी बस्ति प्रकाशना वतीन तें उजवाडाक हाडलां. एकूण पानां : २६०, मोल : १०० रुपया.

कालची कडी

ल्हान आसताना हांव आखुडटां म्हूण थंडयेन
मांय म्हाका गुठलायताली आपले होंठयेन
भोवोंक व्हरोऽ म्हाका घोड्याचे गाडयेन

मांय म्हुजी पळोवंक सोबीत दिसो साडयेन
पाय बरी पासयेक वेताली जोडयेन
सोदांच म्हाकाऽ वाडटाली कालचे कोडयेन

कालचे कोडयेन शितूय बोरें लागतालें
कुळण्यांत जेवीत जाल्यार अदीक रूचतालें
कुळण्या बगर म्हज्यान जेवंक जायनासलें
निस्तें तोंडाक लायना जाल्यार चोलतालें

पाय म्हजो हें पळोवन म्हाका म्होणटालो
काजाराक पुता तुज्या पावस पडटलो
उतरां आयकोन, जीव म्हजो मुरगट्टालो

ह्या आचारांची पर्वा करून थोडी
शितार सदांच घेतालों कालची कोडी
पूण चोड कोरून तें शीत हांव कुळण्यात काडी

व्हडलो जातोच बोमोय येवंक धल्ली गाडी
बोमोय येवन हांव कुडाची चडलों शिडी
कुडान पावतच, मेवली ना कालची कोडी

पायची म्हजी बोमोय एक कोटरी आसली
शिर्वीस मेवतच मांयक रोखडीच बोमय हाडली
येतना दोन कुळणीं हाड म्हूण चीट धाडली
मांय येतोच जिबेची म्हुजी रूच वाडली

कालचे कोडयेची रूच साबार गोंयकारांक
कुळण्यांत शीत जेवंक गोंयच्या गांवकारांक
कालची कोडी, रूच हाडटा पेज जेवणारांक

पाय म्हाका काजार करूंक फुडें सल्लो
ओपन एअर हॉलांत व्होर भितोर काडलो
पोयल्याच नाचाक, कसलो गडगडो मारलो

आवय नाचतां नाचतां कसलो सायबा पावस पडलो
काजाराक आयलेलो लोक म्हुणोंक लागलो
न्होवरो मिस्ता, सोदांच कुळण्यान जेवतालो

लोक पोयता हासोंक मेवता जाल्यार रस्तो
मायाच्या म्हयन्याक तो पावस पडलो नस्तो
पावसाच्या दिसांनीं पावस जेरूल पडटो
पूण हांव कुळण्यान जेवतालों म्हूण बोबाव बेश्टो

असल्या आचारांची पर्वा थोडी
रूच काडी नेजो एक पावट लागोत तोर गोडी
सगळ्यांच रूचता, कालच्या सांबाराची कोडी

काव्यकैरळी

(मलयाळम भाषेचे काव्यचरित्रांतुल्यान)

मलयाळम ही द्राविड वर्गांतली एक मुख्य भास. व्याकरण आनी उतरावळ पळयल्यार हे भाषेक लागीचें नातें आसा तें तामिळ भाषेकडे. पूण संस्कृत भाषेचोय म्हत्वाचो प्रभाव हिचेर पडला. णवव्या शतका पासून एक स्वतंत्र भास म्हणून मलयाळमाचो परामर्श आसा तरीय साहित्याचो उदय केवल बाराव्या शतकांतूच दिसून येता. ते उपरांत मागीर प्रति एक शतकांतूय ह्या हिच्या साहित्यांत कितलेशेच परिणाम, अभिवृध्दी जायत आयल्या. बारा ते पंदरा शतमानांनी गीतकाव्यां मणिप्रवाळ आनी 'चम्बू' उपजलीं. चंबू आनी मणिप्रवाळ कृतींनी संस्कृत भास अर्दाक अर्द पर्यंत वापरल्या. मागीर गीताची मणिप्रवाळाची शैली जुळोवन 'कण्णश' कृति भायर सरल्यो. पंद्राव्या शतमानांतल्याच चेरुश्शेरी नम्पूतिरीन रचलेल्या 'कृष्णगाथा' काव्यांत मात स्वल्प नवी एक शैली आनी उतरावळ मेळटा.

सोळाव्या शतकाच्या दुसऱ्या अर्दाक लागून मलयाळम साहित्याच्या मळबार एक तेजिष्ठ नखेत्र उदेलें. ***तुंजत्त रामानुजन एपुत्तच्छन*** ह्या महापुरूषान

'अध्यात्म रामायण' रचून आधुनिक साहित्याक बलिष्ट आनी वरिष्ट बुनयाद घाली. चम्बू, मणिप्रवाळ शैल्यां थाकून एक वेगळीच शैली ताणे आपणायल्ली. संस्कृत भाषेचो तिरस्कार करीनास्तना, द्राविड शैलीची प्रौढ ताणे घेतली. शैली समन्वयाचो तो चमत्कार ताचीच वाट पळोवन राबिल्लो सो भासता. तो वेळ पर्यंत जावन आशिल्या उपरिप्ळव कशा साहित्यां थाकून व्यत्यस्त जावन तागेले कृतींनी ताचो आत्मो प्रति बिंबित जाता पळोवंक मेळ्ळो. भक्ति-भावांत लयलीन एके दार्शनिकतेचें युग ताणे रचलें. पोरण्यां थाकून बरीचशी वेगळी, हे केरळाची आपली अशी एक शैली, एक भास ताचे लिखणेवेल्यान जन्मली. मलयाळी जन ताका आपल्या साहित्यिक नवोत्थानाचो पितामह म्हूण वळखतात. मलयाळम साहित्यिकांक केरळ सरकारान दिवंच्या सर्वोच्च पुरस्काराक ताचें नांव दवरल्यां. ताच्या जन्मगांवांत (तिरूर) ताचे यादीक रिसर्च सेंटर आनी लिटररी म्यूसियम उबारल्यां.

एषुत्तच्छन व्हड विद्वान आशिल्लो जाल्यार 'पूंतानम' पूर्णतया एक सामान्य मनीश. पूण तो आपल्या एकच काव्यान (ज्ञानप्पाना) सुप्रसिध्द जालो. सरळ शैलीच्या, सोप्या चालंत उतरांच्या ह्या लघुकाव्यान ताणे जनसामान्याचें काळीज जिखलें. उत्कट भक्तिचे बराबर खोल तत्वदर्शन हांच्या सुविदग्ध मिश्रणाची प्रस्तुती अत्यंत सरळ भास वापरून गेयरूपाच्या लघुछंदान केलेली कृति ही. (हिचे तीन भाषांतर कोंकणींतूय आयल्यात) तागेली भक्ति आनी दर्शन केवल ग्रांथिक वा यांत्रिक न्हय. वास्तविक जीवितांतल्यान उपजल्ले आत्मार्थते निमित्तीं तागेलें प्रति उतर भांगार जाल्यां.

पूण ह्या दोगांक सोडल्यार ते कालखंडाच्यो चडावत कृति म्हळ्यार कथकळी साहित्य वा 'आट्टकथा'. ह्या क्षेत्रांत नांवाक पाविल्ले कवि आसा 'नळचचरितम' ही मौलिक कृति रचलेलो 'उण्णाथि वारियर'. त्या कालाक प्रचलित आशिल्लीं जायतीं लोकगितां आनी गीतचरितां. 'वडक्कन पाटू' सारक्या ताळबद्ध गेय काव्यांनी धीर शूर पराक्रम भरलेल्यो काण्यो मेळतात.

थंयच्यान अठरावें शतक उदेलें म्हण्टना

काव्यकैरळीक नवेंच एक आयाम भेटोवपी एक कवि जन्मलो - ***कुंजन नंबियार***! ताची आशिल्ली एक बहुमुखी प्रतिभा. 'तुळळल' ह्या एकाभिनय नाट्य शैलीक ताणे जन्म दिलो, आनी 'तुळळल काव्य' नांवांचें एक नवेंच साहित्यरूप निर्मिलें. शिक्षितांक मात्र न्हय, अशिक्षितांक लेगित आस्वाद सुसाध्य करपी एक सरळ भाषेचो प्रयोग ताणे केलो. ताणे थारायल्लें म्हळ्यार मलयाळम साहित्याक संस्कृताच्या चपक्यांतल्यान खंडितच मोचन मेळूंक जाय म्हूण! ताच्या तुळळल काव्यांचो मुखेल विषय पुराणाख्यान. जाल्यार समकालिक सभावाचो विनोद, परिहास, समाजवेवस्थेची दांभिकपणाची टिका इत्यादीय बेसोवन ताणे फिशालकायेन तीं समृध्द केलीं, आनी शंबर प्रतिशत आस्वाद्यय केलीं. ताणे निर्मिल्ली नाट्य शैली आनी काव्यशैली खूब वाढली म्हळ्यार जाता. (कोंकणींतूय तुळळल शैलीन एक काव्य मेळता.)

जाल्यार मलयाळम साहित्य सगळेय आंगान फुलूंक लागलें तें एकूणिसाव्या शतकांत, जेन्ना 'स्वाति तिरूनाळ' तिरूवितांकूर राज्याचो राय जालो. तेन्ना संगीत कला साहित्यांची खूब म्हळ्यार खूब पुष्टी जाली. खुद्द एक कवि, संगीतज्ञ आनी भाषा विशारद आसून ताणे भारत भरच्या विख्यात कलाकारांक आपोवन हाडून भोवमान केलो. ह्या संपर्काचो फायदोय काव्यकैरळीक मेळ्ळो. केरळांत ब्रिटीषांलें आधिपत्य आयलेलेंय ह्याच काळाक. ताका लागून थंय थंय संथ संथ इंग्लीष भाषेचो आनी साहित्याचो संपर्कूय मलयाळमाक मेळ्ळो. तशी मेळ्ळोलो तो गतिवेग मागीर निवलोना! मलयाळम भास आनी साहित्य सगळ्याय आंगान वाडलें. व्याकरण, शब्दकोश, पाठ्यपुस्तकां धरून पत्रिकोद्यम आनी

वैज्ञानिक साहित्य पर्यंत समृध्द जालें. कथा, नवलकथा, नाटकां आदी जन्माक आयलीं. त्या शतकाचे दोन प्रभवी कवि आशिल्ले वेणमणी महन नंपूतिरी संशुद्ध मलयाळमांत जाल्ल्यो तांच्यो कृती आनी ती शैली फुडें जायत्यांनी स्वीकारली.

पूण त्या संक्रमणाच्या काळांत कवीं मदीं मतभेद उठले - साहित्यिक (प्रासवाद आदी) तशीच साहित्या भायलेय! साहित्याची समीक्षा आनी टिका जावंक लागली. कवींचे, साहित्यिकांचे थंय थंय पक्ष पंगड जन्मले. एकामेकांकडे झगडीं, गाळी दिवप लेगित शुरू जालें. पुण साहित्यांत खूब भर पडली - हेंवय खरें!

तशें तें एक मंथन जावन १९०७ वर्षा ***कुमारन आशान*** ह्या प्रतिभावंतालें 'वीण पूव' नांवांचें खंड काव्य उजवाडाक आयलें, आनी ताचे ओटू काव्यकैरळीचें काल्पनिक युग फुललें. समाजसुधारक म्हणूय नांवांक पावलेल्या ह्या महाकवीन 'नळिनी', 'लिला', 'चिंताविष्टयाय सीता', 'करुणा' आदी उज्वल काव्याख्यानांनी तीक्ष्ण अंत:संघर्षांचो आविष्कार केलो. समाजसुधाराचे उत्कट इच्छेंतल्यान जन्मल्ल्या 'चंडाल भिक्षुकी', 'दुरावस्था' आदी काव्यशिल्पांनी ह्या महामनशान एक नवें युग रचलें. ज्या श्रीनारायण गुरूंक केरळच्या सांस्कृतिक नवोत्थानाचे नायक म्हूण वळखतात तांचो हो शिष्य आशिल्लो. गुरूल्या आदर्शांचो खूब प्रभाव ह्या कवीले जिणेचेर आनी कृतींचेर पडलो. कुमारन आशान हांचें नांव भावात्मक कवितेचे फुडारी म्हणूय हांगा उल्लेखनीय आसा.

वळळत्तोळ नारायण मेनोन हांणी वळख काल्पनिक युगाचो आनी एक महारथी म्हणूच न्हय, 'कथाकळी' ह्या विशिष्ट नाटचकला रूपाचो उध्दारक म्हणूय दिवंची पडटा. प्रायेचे चौधा वर्सारीच ताणे काव्य रचनेक प्रारंभ घालो. जाल्यार १९१० वर्षा उजावाडाक आयलेल्या ताच्या बधिरविलापम काव्याक लागुनूच ताचें नांव खर्यानच गाजलें. अनुभवजन्य, आत्मकथात्मक रूपाच्या त्या काव्यांत विषादांतल्यान लेगित प्रत्याशा बाळगुपी तांची तेजिष्ट आत्मसत्ता बरीच थळथळेता. 'बंधनस्थनाय अनिरूध्दन', 'ओरू कत्तू', 'मग्दलन मरियम' आदी जायत्या विख्यात कृतींनी कवीन तें काल्पनिक युग बरेंच सजयलें. तागेलीं खूब फघुकाव्यां 'साहित्य मंजरी' नांवान इकरा खंडांनी उजवाडाक आयल्यां. देशाभिमान, परोगामी नदर, संवसारिक समस्यांची जाणविकाय आदी तांच्या काव्यांनी पडबिंबित जाल्यां.

ह्या दोगां लागी महाकवि ***उळ्ळूर परमेश्वर अय्यर*** हांकांय मेळोवन काव्य कैरळीचे 'महाकवित्रय' जाता! संस्कृत महाकाव्यांच्या लक्षणांचें वर्णनात्मक 'उमाकेरळम' आनी तशेंच काल्पनिक शैलींचीं खण्डकाव्यां 'कर्णभूषणम', 'पिंगळ', 'भक्तिदीपिका' अशी तांच्यो साबार कृती विख्यात आसात. नामनेचो संशोधक आनी साहित्य चरित्रकार म्हणूय ताची वळख आसा. पांच खंडाचें तागेलें 'केरळ साहित्य चरित्रम' केरळ विश्वविद्यालयान उजवाडायल्या. जन्मान तामिळ भाषिक आसून मलयाळम भाषेची साहित्याची येद्दी. इतली सेवा करपी दुसरो कोण ना.

ह्या तेगां नंतर कीर्ति जोडिल्लो कवि

जी. **शंकर कुरुप्प**, आनी ताची तर कीर्ति भारतभर पसरली. प्रतिभावंत प्राध्यापक, प्रभावशाली प्रभाषक, अनुपम गद्यकार, अप्रतिम भाषांतकार आनी ज्ञानपील पुरस्कृत कवि म्हूण ते काव्यकैरळीचे सदांचे अभिमान-भाजन. मनशांल्या सुख दु:खांनी एकच वरी वांटो घेवपी, विचार विकारांचें संतुलन सादपी अशा हांच्या काव्य भांडारांत कितें ना म्हणपच कठिन. काल्पनिक, भावात्मक, प्रतीकात्मक, क्रांतिकारी, देशाभिमानी, मिस्टिक, सार्वदेशिक अशी तांच्या काव्याचीं कितलींच व्यत्यस्त आंजां समीक्षकांनी रसिकांनी चर्चेक विषय केल्यात.

पूण हांच्या काव्यांत कितें ना हें दाखोवन दिवूंक पाविल्ले वरी जिस्त त्याच कालाक उदेले दोग कवि मित्र - ***इडापळ्ळी राघवन पिळ्ळा आनी चंडाम्पुषा कृष्ण पिळ्ळा***.



आजून कोणेच पळोवंक नाशिल्लें, आयकूंक नाशिल्लें, येवजूंक लेगित नाशिल्लें कविता माधुर्य तांणी दोगांनी रसिकांचे सुवादीन करून दिलें. येद्दोळ जंय कवींचे रसिकांचे मदीं एक अंतर जें आशिल्लें तें तांणी नाच्च केलें. पुण ह्या दोगांल्या निज जीवितांत चड वांटो आशिल्लो तो दु:खाचो. इतर जायते कवि केवल इतरांलीं दु:खां चितारताले जाल्यार हांगेल्या कृतींनी आत्मानुभवाची तीक्ष्णताय जाणवली. संवसाराचें कापट्य, निर्दयत्व आनी जिणेची निरर्थताय हे हांगेले मुख्य विषय. पुण हो असो विषादवर्ष हांणी एक खास रूपान केलो. भावतीव्रतेचें आनी लळित कोमळ पदावलीचें जें संगीतमय संयोजन हांणी

सादलें, ताका रोखडींच अजापाचो, अभूतपूर्वकयेवकार मेळ्ळो. जाल्यार दोन वशीन जळयल्ले मेणावाती वरी खीण भितर तांची जीण वाडवली.

जे तांचे समकालिक कवि आशिल्ले तांणी तर काव्यकैरळीक दोळे दिपकावपा सारखें योगदान दिलें. १९६५ वर्सा प्रथम ज्ञानपीठ पुरस्कार जी शंकर कुरूप्प हांकां मेळ्ळो. बिडला फौंडेषनालो अखिल भारतीय तलावेलो 'सरस्वती पुरस्कार' नालप्पाट बालामणि अम्मा हांगेल्या 'निवेद्यम' झेल्याक मेळ्ळो. हांची कविता म्हळ्यार मातृभावाचीं, वात्सल्याचीं चमत्कारी चित्रां सजोवपी.

विसाव्या शतकाचो माध्यायू दांटवलो म्हण्टना एक भावपरिवर्तन घेवन आयलो वैलोप्पिल्ली श्रीधर मेनोन. दीर्घ कवितांनी श्रद्धेय जाल्लोलो. एन. वी कृष्ण वारियर तर भाषेचे इतर क्षेत्रांनीय सक्रिय आशिल्लो.

इडाशेरी गोविंदन नायर आनी पी कुंजिरामन नायर हे समकालिक आसूनूच तांच्या काव्यां मदलो फरक उठून दिसता. इडाशेरी समाजांत जियेवपी आनी समाजसेवेंत श्रध्दालू जाल्यार 'पी' निसर्गाचो मोगी आनी भावार्ती.

बोधेश्वरन, पाला नारायणन नायर, एम. पी. अप्पन, ओळप्पमण्णा, वेण्णिकुळम गोपाल कुरुप्प, आनी अक्कित्तम अच्युतन नंपूतिरी ह्या कवीनींय वीसाव्या शतकांत काव्यकैरळीक उल्लेखनीय योगदान दिलां. हातूं अक्कित्तम नंपूतिरील्या कवितांची (इरुपदां नूटांडिंडे इतिहासम) चर्चा आजीय खूब जाता आसा.

एन. एन. कक्काड हांगेल्या कवितांनी मध्यम वर्गाच्यांलीं धर्मसंकटां आनी दुःखां अनुतापपूर्वक चितारल्यांत. आर्द्र आनी करुणापूरित तांच्या 'सफलमी यात्रा' झेल्याक खूब म्हूण पुरस्कार एका फाटल्यान एक म्हूण मेळत आसतना रोगग्रस्त जावन निधन जाले.

काव्यकैरळीचें आतांचें रूप आनी भाव म्हय्यार फांदळून राबिल्ले एक फलवृक्षा समान! एक वशीन पळयल्यार, ज्येष्ट कवि ओ. एन. वी. कुरुप्प, सुगतकुमारी आनी तरणे प्रत्येचे वी. मधुसूदनन नायर. हे पोरने शैलीचे तरीय विषय आनी भाव आयचेच. आनी एक वशीन आसात आनी एक ज्येष्ट कवि दो. आयप्पा पणिक्कर, सच्चिदानन्दन आनी नवे पिळगेचे बालचंद्रन चुळ्ळिक्काड. नवीनतेचे प्रमुख प्रवक्ते आनी प्रयोक्ते. पुण 'चंगपुषा'चे नंतर ते वरी सट करून जनप्रीति जोडिल्लो कवि म्हळ्यार 'कडम्मनिट्टा रामकृष्णन' ग्रामजिविताचीं स्पंदनां, उतरावळ आनी विषय ताणे 'पडयणिप्पाटू' ह्या लोक (अनुष्टान) कलेच्या ताळलयांनी प्रस्तुत करून एक नूतन आयाम काव्यकैरळीक भेटयलें. जिवाण्यान कात सोडचे वरी पोरनी काव्य भास मेकळून पयस उडोवन भावविष्कारांनी एक नवें सावळें सौन्दर्य घेवन येवपी तांची कविता. डि. विनयचंद्रन ह्याय कवीले कवितांनी द्राविडी लोककलेचें वातावरण बरेंच आसा. ह्या दोगांचो परामर्श 'आधुनिक' म्हूण करूं येता तरी हांच्या काव्याचें नवेंपण हेच मात्येंत किरलेल्लें.

अश्या काळारीय पोरन्या पध्दतीनच काव्य रचीत आयिल्ले कवि ते हे - विष्णुनारायणन नंपूतिरी, चेम्मनम चाको, आर रामचन्द्रन, आटूर रवि वर्मा, चेरूकाड, कुञ्जुण्णी आदी. पुण आयच्या काळाचो जीवांश तांच्याय कृतींनी आयले बगर रावलो ना. आनी मागीर नवे कवि, नव्यो शैली आयल्यो म्हणून पोरन्या कोणाचो तिरस्कार बी जावंक ना.

आतांचे ज्येष्ट कवीं मदें विशेष रूपान उल्लेखनीय आसा 'चेम्मनय चाको' जांचे हास्य अपहासाचे शैलीक आयचे घटकेक तुळा ना म्हय्यार जाता. समाज, राजकारण आदींतली जीर्ण वेवस्थिती, दांभिकपण हांची खर टिका करून उजवाडायल्यात. चालंत भास आनी सरळ छंद हाताळचो चाको अठराव्या शतकाच्या कुंजन नंबियारालो एक अंशावतार म्हूण लेगित सांगू येता!

बकच्छायो करप म्हळ्यार कवीलें एक आयुध! कार्टूनिस्ट आपलें ब्रष जे कशी, ज्या खातीर वारता, तेच वरी आनी तेंच कितें सादपाक म्हूण कवींनी एकेकदां लिखणी चलयल्या. ह्या शतकांतल्या आधुनिकतेचो मुखेली म्हूण मानचे दो. आयप्पा पणिक्करानूय हाचो आधार घेतला. 'वीडियो मरणम्' 'रामन वाणालुम रावणान वाणालुम' आदी खूब कवितांनी तिखट हास विणला तरीय तांणी भावात्मक कविताय रचल्यात.

रूख एक कातरतना, रेंवट एक जन्मता-
रूख एक कातरतना, भाट एक मरता-

अशी रूख कातरतना कितें कितें जाता, वजन आमच्या काळजार चडोवन दवरिल्ले वरी अंतरंग घुसमटता.



दो. पणिक्कर इतर साहित्य क्षेत्रांनीय खूब वावुरला. निबंदकार, संपादक आदी रूपानय तांची बरी ख्याती आसा. प्रा. सच्चिदानन्दन हांचीय ख्याती आसा. प्रा. सच्चिदानन्दन हांचीय ख्याती आनी प्रतिभा खूब व्याप्तीची. देश विदेशांतलें साबार काव्य तांणी मलयाळमांत हाडल्यां. कांय वर्षांक केन्द्रीय साहित्य अकादमीचे कार्यदर्शी जावन आशिल्ले.

नवकवितेचे अनुययींच्या कवितांनी सुलभ दिकूयेता म्हळ्यार एक अंतरमुखता. बालचंद्रन चुळ्ळिक्काड हांचे मदीं प्रमुख आशिल्ले तरीय हालीं तांची लिखणीच मोनी कशी जाल्या म्हूण अजाप दिसता.

हे मदींय कविता माधुरीच्यो कृती आनी ते कवि सृजनांत एकनिष्ट जावन दिष्टी पडताय. हांचें मदीं चिरप्रतिष्ठित जावन आसा ***ओ. एन. वी. कुरुप्प***, आनी सुगतकुमारी. हांच्या कवितां वरी जीवितांनीय थोड्यो समानतायो दिसतात. दोगांय अध्यापनांत आशिल्लीं. समाजोध्दारण, परिस्थिति संरक्षण आदींनी दोगांय कर्म निरत. हांच्यो लिखण्यो कवितेकच म्हूण ओंपिल्यो, ज्यो फाटल्या पंचचाळीसांवयर वर्सांनी सातत्यान चलत रावल्यात. ओ. एन. वी. कुरुप्प हे गीतकार म्हणूय खूब लब्धप्रतिष्ट. हांचेच पंथाचो नवो कवि आसा 'नाराणत्त भ्रांदन' हे प्रथम झेल्यानच नांवाक पाविल्लो वी. मधुसूदनन नायर. कविता वाचन लेगीत एक कला म्हूण हांणे प्रत्यक्ष दाखोवन दिलां!

आतां उत्तराधुनिकतेचो काल पावला. थोड्यांनी छंद, प्रास, लय, सगल्यांचो पूर्णतया त्याग केला. गद्यकविता म्हूण लेगित सांगू येता तश्यो कविता प्रचारार आयल्या. पुण त्यो सगल्यो अर्थशून्य तर न्हयच!

अशी (शतकांचें कित्या-) दशका दशकांनी पळयल्यार लेगित काव्यकैरळीचे शंबर अवतार! अदीक वयाचे 'अक्कित्तम' 'कावालम' हांचे बरोबर अती तरीण 'शांती जयकुमार, एस. मनुप्रसाद, ई. पी. अब्दुल असीस सारक्या विद्याथ्यांली कविता पर्यंत रसिक दोनीय हांतांनी कशी स्वीकारतात. हें काव्यकैरळीचें एक वरदान म्हळ्यार जाता. जातपात धनसंपत्ती कसल्यांचें आडावण आतां काव्यकैरळीक ना-आदीय नाशिल्लें. जायत्यांनी इतर जातींतल्यां विशीं भोव आपलेपणान बरयल्यां. निर्धनांनी जशी हिची सेवा केली ते वरी राजा महाराजांनीय केल्या.

कोडुंगल्लूर कुंजिकुट्टन तंपुरान हांचें महाभारत (भाषांतर) आतांय आवृत्तीन उजवाडा येता. तशेंच चेम्मनम हांचीं हास्यकवनांय खपतात खंडकाव्यांनी आतां दुशेर रंगप्रवेश केला, जांचे कवि म्हळ्यार ओ. एन. वी. कुरुप्प (उज्जयिनी, स्नेहिच्चु तीरात्तवर) आनी सुगतकुमारी (राधयेविडे) जायत्यो कविता आलापन करून ओडियो वीडियो कॅसेट, सीडी आदी मेळतात. तरातरांच्यो कविता आलपनाच्या सर्तीनी प्रस्तुत जातात.

'सुक्कें एक गीत कळना तसलें गाढव लेगित आसत व्हय?' ही मलयाळमांतली एक प्रसिध्द म्हणी. हांतूं दिसता तें वास्तव काव्यकैरळीची बरी वळख दिता! मलयाळम कवितेक कवींनी जी देणगी दिली, ते वरी वा म्हणूया, ताचेय उपरी देणगी कविता आस्वादकांनी दिल्या, आनी दीत आसात म्हळ्यार अतिताय जावंची ना!

❋❋❋

– शरतचंद्र शेणै
कोची

दियाबेत

दियाबेत आशिल्ल्या मनशाच्या रक्तांतलें ग्लुकोझचें प्रमाण सकयल - वयर (कमी-चड) जायत आसता-

I. रक्तांत ग्लुकोझचें प्रमाण जर खूप वाडलें जाल्यार -

i. मनशाक चड प्रमाणांत मुतूंक जाता जेणे करून कुडींतले द्रव्य पदार्थ (Fluid & electrolytes) मुतांतल्यान भायर वता आनी मनशाक अशक्तताय येता.

ii. कुडींत जर इन्सुलीनचें प्रमाण कमी जालें, जाल्यार ग्लुकोझ वाडटा आनी आंगातलें फॅट (fat cells) 'किटोन बॉडीज' येतात - आता मनशाक ओकारो येता, पोटांत दुखता हाका 'डायबेटीक किटोॲसीडोसीस' जाल्या अशें म्हणटात. हे परिस्थितींत जर मनीस चड वेळ उरलो जाल्यार तो कोमात (Coma) वचूं शकता. पूण जर हाचेर ताका योग्य वेळार सारको उपचार मेळलो जाल्यार तो रोकडोच बरो जाता.

II. रक्तांत ग्लुकोझचें प्रमाण जर कमी जालें जाल्यार मनशाक थरथरो सुटता, घुंवळ येता, घुस्पल्ले भशेन जाता, अशक्त जाता. अशे परिस्थितींत जर तो चड वेळ उरलो जाल्यार बेशुध्द जांव येता आनी कोमांत (Coma) वचूं शकता.

दियाबेत जावन खूप तेपान हळू-हळू मनशाच्या कुडिच्या दुसऱ्या इंद्रीयांचेर वायट परिणाम जांव येता. दियाबेत आशिल्ल्या मनशांच्या बारीक रक्तवाहिनींचेर वायट परिणाम जाता आनी हाका लागून दोळ्यांचेर, मुत्रपींड, नेर्वां आनी काळीज हांकां बाधा जाता.

दियाबेत आशिल्ल्या प्रत्येक मनशान आपल्या रक्तांतल्या ग्लुकोझाचें प्रमाण नियंत्रणात दवरप सामकें गरजेचें. अशें केल्यार दियाबेतीक लागून जावपी वायट परिणाम कमी जातात. तशेंच मनशाची कूड बरी उरता, आरोग्य बरें उरता आनी आयुश्य वाडटा.

दियाबेत कशी नियंत्रणान दवरची?

i. आहारांतल्यान
ii. व्यायाम
iii. वखदां / इन्सुलीन

i. दियाबेत आशिल्ल्या मनशान आपल्या वजनाचेर ताबो दवरपाक जाय. लठ्ठ आसल्यार वजन कमी करपाचो प्रयत्न करूंक जाय आनी जर वजन सारकें आसलें जाल्यार तें वाडपाक दिवंक फावना.

ii. आहारांत गोड पदार्थ खावपाचें बंद वा कमी करूंक जाय.

iii. तेलाचे/तळिल्ले पदार्थ खावपाचें कमी करूंक जाय कारण ह्या पदार्थानीं वजन वाडटा.

iv. भरपूर भाज्यो, पाले भाजयो, फळां खावपाचीं.

v. उदक भरपूर पियेवपाचें

vi. तांदूळ-तांदळाचे पदार्थ कमी खावपाचे.

vii. रिफाइन्ड कारबोहायड्रेट्स कमी खावपाचे.

viii. मनशान ३५-४० मिनटां चलपाचें.

ix. योगा, मेडिटेशन आनी अन्य कसलेय व्यायम करता जाल्यार ते नियमीत तशेंच चालू दवरचे.

x. आपली रक्त तपासणी करून घेवची आनी जर तर रक्तांतलें ग्लुकोझचें प्रमाण चड आसा जाल्यार दोतोराच्या सल्ल्या प्रमाणे वखदां घेवचीं. आतां दियाबेतीचेर खुपशीं वखदां आसात. फक्त तीं सारकीं आनी वेळार घेवप गरजेचें.

- डॉ. वंदना धुमे
९८२२५८५२८५

स्वलाचे जाणवायेन वखदां घेवप धोकेदायक थारु येता. तुमकां बरोवन दिल्ल्या वखदाविशीं (रशेद) जर कितेंय चवकशी करपाची आसत जाल्यार आमच्या फार्मासिस्टाकडेन उलयात.

हिन्दु फार्मासी
पणजी
फोन : २२२३११७३

फेब्रुवारी २००८ चें राशी भविश्य

– ज्योतिषाचार्य राजाबापू बर्वे

हो म्हयनो मेष राशी खातीर एकदम नेटान सरतलो. वेवसाय, नोकरेंत एकदम बरो योग आसा. राजकारणात आपल्या इच्छे प्रमाण म्हत्वाचें पद मेळटलें. धन लाभाचो योग आपूण जावन चलून येतलो. आर्थिक स्थिती एकदम बरी जाल्ल्यान घरांत सुख समाधान नदतलें.

आदीं सावन थारायल्ल्या कांय कार्यावळींत अकस्मात बदल करचो पडिल्ल्यान मन विरूस जावन थोडी धांदळ जातली. वेव्हारांतलें शाणेंपण म्हूण हें एक पावल फाटीं घेवप समा जातलें. गुरू-शुक्राच्या सहकार्याक लागून अकस्मात व्हडलें धनलाभ सभवतात. मौज-मजा करतना अतिरेक जावक दिवचो न्हय.

राशीचेर मंगळ आनी आठवो रवि आशिल्ल्यान भलायकेची काळजी घेवप गरजेची. कोर्टकचेरी, सरकारी कामांत मनासारकें यश. तरी जाका काडीचें म्हत्व ना अशे विरोधक थोडो बोवाळ घालतले. दुर्लक्ष करचें. मन थीर दवरून मुखार वचप गरजेचें.

गुरू-मंगळाचो सम-सप्तम योग आर्थिक वेव्हारांत कळाव निर्माण करतलो. ते पासत शक्ती परस युक्ती व्हड हें धोरण आपणावन मुखार वचचें. पोटाचो विकार तकली वयर काडपाची शक्यताय आसा. बळावचे आदींच नियंत्रणा खाला हाडप शाणेपणाचें थारतलें.

नवीन उपक्रम हातांत घेवंक हरकत ना. ते मोठ्या प्रमाणात यशस्वी जातले. सरकारी कामांत यश सभवता. नोकरीत वरिश्टाचो आशिर्वाद आसतलो. जमीन खरेदी-विक्रींत मोठ्या प्रमाणात लाब. साडेसाती अजून सोपूक नाशिल्ल्यान नाका ते आळ येवपाची शक्यताय आसा.

शुक्र, बुध हे आपूण जावन सहकार्य करूंक मुखार सरिल्लेवरी मुखार आसात. मोठ्या प्रमाणात धनलाभ आसात. देवाची कृपा आशिल्ल्यान मनात जी इत्सा हाडीत ती पुराय जावपाचो हो काळ. म्हत्वाच्यो येवजण्यो चालीक लागतल्यो. कोर्ट कचेरीचे निकाल हे राशी वाटेनूच लागतले. पूण चुकून कोणाचो अपमान जावपाचो ना हाचीं काळजी घेवची.

आस्वासनां भरपूर दिवप पूण त्या प्रमाण कांयच घडप ना हो आयज समाजाचो एक म्हत्वाचो विचार जाल्ल्यान कोणाच्या आश्वासनाचेर विसंबून रावप समा जावपाचें ना. रवि, शनि हांचे अशुभ योग आशिल्ल्यान तुमचेविशीं गैरसमज पातळटलो. कोणाचेर चड भरवसून रावचें न्हय. मनोरंजन, मौज-मजेचे बरेच योग आसात. मानसिक समाधानात वावुरतले.

धनस्थानात गुरू आनी शुक्र आशिल्ल्यान मोठ्या प्रमाणात धनलाभ आसात. ज्या वेवसायाक हात घालतले तातूंत निच्छित भांगर हाताक लागतलें. पूण ह्या बोवाळांत भलायकेकडेन आड नदर करची न्हय. चड ढगढग जातली अशें काम करचें न्हय. नोकरी धंद्यात म्हत्वाच्यो येवजण्यो तडीक लागतल्यो.

मानसिक तणाव खूप प्रमाणात कमी जातलो. कुबेर, सरस्वती आनी दत्तमहाराज ह्या तिगांयची कृपा समप्रमाणात आशिल्ल्यान मन सामकें थीर आसतलें. बऱ्या विचाराचो प्रभाव मनाचेर उरतलो. मनासारकें यश प्राप्त जातलें.

भलायके कडेन लक्ष दवरूनूच तुमच्या कामाची गती वाडोवप गरजेचें आसा. तुमी म्हळ्यार 'पचक' अशी जी तुमच्या सहकाऱ्यां मदीं भावना आसा ती तुमच्या कर्तुत्वाक लागून पयस जावक पावतली. नाका जाल्लो व्यांप माथ्यार घेवपाचे भानगडींत पडचें न्हय. तुमच्या बरेपणाचो गैर फायदो कोण घेवपाचो ना हाचेर शितीद दवरचें.

८० टक्के ग्रहमान तुमच्या फायद्याचें आसा. ताका लागून ह्या म्हयन्यांत वेव्हारांत भरपूर प्रमाणात यश सभवता. शनिचो अशुभ योग कुटुंबीक प्रस्न निर्माण करतलो. पूण तातुतल्यान मन थंड दवरून मार्ग काडप शाणेपणाचें थारतलें. दुसरो आपल्याक समजून घेना हाचे परस आपणेंच दुसऱ्याक समजून घेवप चड फायद्याचें आसता. तेंच तुमी करप चड गरजेचें. घरखर्चांत वाढ सभवता.

विरोधक लिपून तुमचेर हल्लो करपाक तयार आसात. ताचे बुरखे तुमी पिंजून उडोवपाक यशस्वी जातले. गुरू राजयोगांत आशिल्ल्यान हात घालता त्या कामांत यश प्राप्त जातलें. आर्थिक येणावळ मोठ्या प्रमाणात जातली. रासवळ वावरांत वाटेकार जावचें पडटलें. मान-सन्मान पदरांत पडटलें.

लग्नाचे म्हूर्त : १(९.५६, १२.४७), १०(९.२०, १४.४८), ११(९.१६, १२.४८, १८.२६), १२(९.१२, १८.२६), १६(१२.४८, २०.५७), २१(१०.५९, १२.४८), २३(१०.५३, १२.४७), २४(१२.४७, २३.१७), २५(१२.४७, २०.५२), २६(१०.३०, १२.४७, २०.१८), २८(८.०९, १२.४७,२३.३०), २९ (८.०५)

‘ गोंय घटकराज्य आनी कोंकणीक घटनेच्या आठवे वळेरेंत घालपा खातीर लोकसभेंत जर कोणे वावर केला आसत तर तो फक्त हावें. ह्या दोनय गजालींचें श्रेय हांव दुसऱ्यांकडेन वाटपाक तयार आसां.’

केरळांतल्या एर्नाकुलॉम हांगा जावपी अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेच्या २६व्या अधिवेशनाचे येवकार अध्यक्ष राज्यसभेचे वांगडी खासदार शांताराम नायक हांची सुशांत कुंकळकार हाणीं घेतिल्ली ही मुलाखत.

शांतारामबाब नमस्कार, कोंकणी परिषदेचे तुमी आतां अध्यक्ष जाल्यात. ते खातीर तुमकां परबीं. तुमी कोंकणीकडेन कशे पावले ते आमकां सांगश्यात?

तशी म्हजी घरची पार्श्वभुमी कोंकणीची न्हय. म्हजो बापूय लक्ष्मण नायक हो तसो मराठीवादीच. भोवतणचें वातावरणय तशें मराठीकच पोशक. मात म्हाका दिसता म्हजो आदींसावन कोंकणीकडेन आशिल्लो ओढो निसर्गिकूच जावंक जाय. म्हाका याद जाता त्या वेळार आमगेर एक मराठी दिसाळें येतालें. त्या दिसाळ्यांतल्यान मराठिचो पुरस्कार मोठ्या प्रमाणात जातालो. त्या वेळार हांवें आमगेर पेपर घालपी मनशाक हांवें भायल्या भायर गाठून ‘राष्ट्रमत’ सुरू करपाक लायलो. त्या वेळार राष्ट्रमत कोंकणी वाद्यांचो पेपर म्हणून वळखताले. म्हज्या बापायक तें आवडूंक ना. पूण उपरांत ताचीय हांवें समजूत घाली.

उपरांत हांव काँग्रेस पक्षाकडेन वळ्ळों. काँग्रेस पक्ष कोंकणीचें समर्थन करपी पक्ष. म्हजी कोंकणी कडली नाळ अधीकच जुळली. म्हजें बरोवपय कोंकणीत आसतालें. अशे तरेन हांव कोंकणीकडेन आयलों म्हणपाक हरकत ना.

कला अकादमी संकूल, पणजी हांगा भरिल्ल्या अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेच्या रुप्या उत्सवी अधिवेशनाचे येवकार अध्यक्ष राज्यसभा वांगडी शांताराम नायक मुखेलमंत्री प्रतापसिंग राणे हांकां येवकार दितना.

शांतारामबाब तुमच्या गांवांतलें वातावरण पळेल्यार तुमी कोंकणीकडेन येवप जितली अजापाची गजाल तितलीच तुमी काँग्रेसीतय येवप हीय. ह्या पक्षाकडेन तुमी कशे आयले?

हांव जेन्ना कायद्याचें शिक्षण घेवपाक मुंबय गेल्लों तेन्नाच हांव काँग्रेस पक्षाकडेन आकर्शीत जाल्लों. हाचें कारण म्हणजे तेन्नाच्यो प्रधानमंत्री सर्गेस्त इंदिरा गांधी. इंदिरा गांधींच्या विचारांनीं तशेंच तांचे धडाडेन हांव प्रभावीत जावन गेल्लों. म्हजें शिक्षण सोंपोवन हांव गोंयां आयलों तेन्ना हांवें गोंयांत फकत वकिलीचेर केंद्रीत जावप हें थारायल्लें. पूण जेन्ना गोंयां हांव पावलों तेन्नाच हांगा विधानसभेच्यो वेंचणुको जाहीर जाल्ल्यो. म्हाकांय दिसलें हांवें राजकारणा कडेन येवंक जाय. काँग्रेस पक्षाचें म्हाका आकर्शण आशिल्लेंच. हांवें म्हज्या इश्टाक ती खबर सांगली. ताणें म्हाका रोखडोच मडगांवां त्या वेळार काँग्रेस तिकिटिचेर राविल्ले उमेदवार मधुबाब तिंबलो हांच्या कार्यालयांत व्हेलो. आनी त्या दिसा सावन हांव काँग्रेसीच्या प्रचाराचो 'ओपनिंग बॅट्समॅन' थारलों. काँग्रेसीचे प्रत्येक सभेंत म्हजें भाशण पयलें आसतालें. कोंकणी हो तातुंतलो मुखेल मुद्दो आसतालो. अशे तरेन काँग्रेसीचो प्रचारक म्हूण राजकारणात भितर आयिल्लों हांव एक उत्तर गोंयचो खासदार म्हूण लोकसभेंत पावलों.

लोकसभेंत तुमी कोंकणीखातीर कितें केलें?

गोंय घटकराज्य आनी कोंकणीक घटनेच्या आठवे वळेरेंत घालपा खातीर लोकसभेंत जर कोणे वावर केला आसत तर तो फक्त हावें. ह्या दोनय गजालींचें श्रेय हांव दुसऱ्यांकडेन वाटपाक तयार आसां. मात ह्या गजालींचें श्रेय कोणेंय म्हजेकडल्यान हिरावन घेवपाचो प्रयत्न केलो जाल्यार मात हांव कसोच ओगी रावपाचो ना.

कशीं हातासलीं तुमीं हीं दोनूय उद्दिश्ठां?

हांव खासदार जालों तेन्ना हे दोनूय प्रस्न हांव धसाक लायतलों

हें हांवें थारायिल्लें. ह्या दोनूय प्रस्नां खातीर हांव तेन्नाचे प्रधानमंत्री सर्गेस्त राजीव गांधी हांचेकडेन लॉबिंग केल्लें. हे खातीर उपरांत हांवें म्हजे दुसरे सांगाती एदुआर्द फालेरो हांचोय तेको घेतलो. कोंकणी आठवे वळेरेंत पावची हे खातीर हांवें लोकसभेंत भाशण करपाची एकूय संद सोडली ना. अशें म्हणटात कीं हावें लोकसभेंत कोंकणी भाशेंत भाशण केलें म्हणूनच हांव दुसरे खेपो पडलों. कारण एक खासदार म्हूण तेन्ना म्हजो परफोर्मन्स वायट नासलो. विरोधी महाराष्ट्रवादी गोमंतक पक्ष लेगीत म्हाका ताचें श्रेय दिवंक तयार आसले. मात हांवें लोकसभेंत कोंकणीत भाशण केलें तें तांचें उस्तुरें गेलें. उत्तर गोंयच्या मतदारांनीं म्हाका तेच खातीर उडयलो. पूण म्हाका ताचो खेद ना. लोकसभेंत कोंकणींतल्यान उलोवप करपी हांव पयलो खासदार. उपरांत आतां राज्यसभेंतय हांवेंच कोंकणीत भाशण केलां.

त्या वेळार म्हजो लोकसभेंत कोंकणीक आठवे वळेरेंत सुवात मेळोवन दिवपा खातीर एकूच मुद्दो आसतालो. हांव म्हण्टालों, तुमी आमच्या मनशांक आपणायले. आमची भूंय आपणायली. आमचें उदक, न्हंयो आपणायल्यो. पूण आमची कोंकणी भास जिका घटणेंत आसपावन घेवंक जाय आसली ती मात आपणावंक ना. कोंकणी आठवे वळेरेंत येवची हे खातीर हांवें खाजगी विधेयक लेगीत हाडलें.

आनी घटकराज्याचें सपन कशें पुराय केलें?

हें सपन पुराय जालें राजीव गांधी खातीर. हांव खासदार आसतना हांव Public grevence कमिटीचो वांगडी आसलों. राजीव गांधी ते समितीचे अध्यक्ष आसले. ते खातीर म्हाका तांचेकडेन उलोवपाची संद मेळटाली. हांव वेळ मेळटा तेन्ना घटकराज्य आनी कोंकणीचो मुद्दो तांचेसरी काडटालों. एक दीस तांचीच संमती घेवन घटकराज्याचो मुद्दो हांवें झिरो अवराक काडलो आनी राजीव गांधीन थंयचे थंय ह्या मुद्याक आपली सहमती दाखयली. गोंयकारांचें एक सपन पुराय जालें.

आनी कोंकणी आठवे वळेरेंत घालपाविशीं?

हांव खासदार आसतना हांवें खाजगी विधेयक हाडिल्लें हें तुका सांगलांच. उपरांत म्हजो टर्म -सोंपलो. पूण हांव गोंयां प्रदेश कॉंग्रेस समितीचो अध्यक्ष जालों. त्या वेळार रवी नायक गोंयचे मुखेलमंत्री आसले. तेन्ना अखिल भारतीय कॉंग्रेस समितिचें तिरूपती अधिवेशन आसलें. प्रदेश समितिचे अध्यक्ष ह्या नात्यान म्हाका तशेंच मुख्यमंत्री ह्या नात्यान रवी नायक हांकां त्या वेळार स्टेजीचेर बसपाचो योग आयलो. त्या वेळार योगायोगान प्रधानमंत्री नरसिंह राव हांच्या दावे आनी उजवे वटेच्यान आमकां दोगांकय बसपाची संद मेळ्ळी. आमी हीच संद सादून कोंकणीचे प्रश्न तांच्या कानार घालो. तांणी तेन्नाचे मृहमंत्री शंकरराव चव्हाण हांकां वचून मेळपाक सांगलें. आमी शंकररावाकडेन चर्चा केली. तेच चर्चेत आमकां पांचवो सिग्नल मेळ्ळो. तिनूच म्हयन्यांनी संसदेत आठवे वळेरेंत दुरूस्ती मांडपाचें विधेयक आयलें कोंकणीचो घटणेच्या आठवे वळेरेंत आस्पाव जालो. कोंकणी मातगाचे दुसरें सपन पुराय जालें.

बिम्ब परिवाराक हार्दीक शुभेच्छा

विनोद कामत

सिव्हील कॉन्ट्रेक्टर

मांडूर, नेवरा - गोंय.

चेअरमॅन

आझमाने अर्बन को-ओप. क्रेडीट सोसायटी

मस्त्या नुस्त्याची क्राणी

एक दीस सकाळफुडें सिमंतिनीन म्हजे मुखार एक कागद धल्लो. सिमंतिनी म्हजी धूव. ताका चित्रां काडपाचो, गावपाचो, कविता करपाचो छंद आसा. हांवें म्हटलें, आतां कितें कितें करपाचें? मागीर तिणें म्हजेकडें एक पेन दिलें. आनी म्हणपाक लागलें, ''अब आप जो चाहिए बनाइए.'' म्हाकां कांयच येवज नासलें. पेपर धवोफुल्ल आसलो. त्या धव्याफुल्ल कागदांतल्यान म्हाकां आपोवणें येवपाक लागलें. पेन काळ्या जॅलचें आसलें : आपोवणें आसलें. काळ्या धव्याच्या संयोगाचें. कागदाक पळयतां पळयतां म्हाकां अचानक भरती येता शें दिसपाक लागलें. काळ्या शाईच्यो ओळी म्हजे मुखार नाचपाक लागल्यो. वेगवेगळे आकार घेवपाक लागल्यो. मनार आयल्ली भरती हातांत केन्ना देंवली कळ्ळेंच ना. पेन ल्हवूच म्हज्या हातांत आयलें, काय म्हज्या हातानीं पेन आपल्यांत घेतलें म्हाकां कांयच कळ्ळें ना. कितें तरी उत्स्फूर्त घडटालें. पेना वयलें बक्कल आपशींच गळून पडलें. पेन म्हणपाक लागलें, आतां आपूण नागडें जालें. आतां कितेंय घडूं येता. पेनान काय मनान काय हातान आपली करामत कागदार सुरू केल्ली. एकेका रेशेच्या आदारान एक विसवणावरीं नुस्तें त्या रेशांतल्यान उबें रावलें.

सिमंतिनी तशें तेन्ना ल्हानूच आसलें. नुस्त्याक पळोवन पळोवन तें नाचपाक लागलें. हांवें म्हटलें, 'कित्याक नाचता गो?' आपले मोठ्ठे दोळे नाचयत ताणें त्या नुस्त्याच्या दोळ्यांत आपले दोळे रोमले आनी म्हणपाक लागलें, 'पापा, मछली की आँखें कितनी सुंदर है ना?' हांवें म्हटलें, 'तुवें ह्या दोळ्यांक पळयलां काय तुका ते दिसल्यात?' 'अरे पापा दिखाई तो सब देता है. मैं ने उसकी आँखों में झाँका.' 'अच्छा, म्हणून तुका ताचे दोळे सुंदर आसा शे दिसले आनी त्या दोळ्यांत आनी कितें दिसलें?'

'पापाजी उस की आँखों में मैं ने पानी देखा।'

'आपने पानी देखा या सागर देखा?'

ताच्या दोनूय गालांर उमेदिचो दर्या दिसलो. ताच्या दोनूय दोळ्यांतल्यान महासागरांच्या उन्मत्त उत्तमतायेचीं ल्हारां घोगेवंक लागलीं. 'समझ गई हूं, पापा। पानी ही था। पर सागर का पानी।'

'आगो पूण हांवें तर फकत नुस्तें काडलां ह्या कागदार.'

'हां पापा। आँखों का पानी अपने आप आया। और इस मछली के आगे पीछे, ईर्द गिर्द जो पानी आया वह अपने आप आया। पापा, आप कितने अच्छे ढंग से दिखा देते है।'

'आगो हांव कितें दाखयतां?'

'वहीं जो दिखाई नहीं देता है, पापा.. आपने.. ह्या कागदार तुवें फकत नुस्तें काडलें आनी त्या पाणयाचो महासागर आपूण जावन थंय आयलो अशेंच तुका म्हणपाचें आसा न्हय. हांव जाणा पापा, हें पाणी पयलीं म्हाका दिसलेंच ना. पूण तूं उलयतां उलयतां तें म्हज्या लक्षांत येवपाक लागलें आनी आतां तर तें म्हाका दिसपाकूय लागलें. जें दिसनासलें तें दिसपाक लागलें. म्हणून म्हण्टां पापा, जें दिसनासलें तें म्हाका तुवें पळोवपाक शिकयलें. पापा, आतां म्हाका सांग, आमकां हें नुस्तें बरें दिसता. सुंदर दिसता. पूण पापा, ह्या नुस्त्याक कितें दिसता?' हांवें म्हटलें ,

'आगो तुकां ताचें मनूय दिसता काय कितें गो? हय तुजेंच खरें. जाका इतले सुंदर दोळे आसा ताका एक सुंदर मन आसुंकच जाय. आनी म्हणून तुकां ताचें मनूय दिसता आसतलें. पूण ताका कितें दिसता तें मात म्हाका खबर ना. सांग न्हय पापा?'

'बाय गो नुस्तें निर्माण केलें. आतां ताजेर म्हजो कसलोच अधिकार उरूंक ना. ताच्या सांगाताक दर्या आपूण जावन आयला. आतां ताच्यान जा जाल्यार हो पुराय म्हासागर हुपून दुस म्हासागरांत वचूं येता. ह्या असंख्य ल्हारां जाय तशें पेवूं येता. दर्या तडी लागीं ये आमकां पळोवन वचूं येता. दोळे वयर कर पुराय मळब आपल्या दोळ्यांत खेळोंव ये रात जातकूच सगळी नक्षत्र नगरी ह्या महासागराच्या पाणयांत भिजोवन उडोंव येता आनी दीस उजवाडटकूच अचळय भायर काडून वताक सुकोवन नाच्च करूं येता आनी मागीर रात जातकूच दुसरी नक्षत्र नगरी सकल खेळूंक हाडूं येता. म्हणून म्हणटां.... ताका कितें दिसता हाचे विशीं म्हज्यान कांयच सांगूंक जावचें ना.

मागीर आनी एक दीस तें म्हाका आनी एक धवो कागद दिवन म्हणपाक लागलें... 'पापा'

'हां, सांग कितें करूं?'

'पापा आयज न्हय.'

'सांग'

'आयज न्हय एक माणकुलें नुस्तें काड.'

बरें म्हणत हांवें काळ्या जेलान एक माणकुलें नुस्तें काडलें. फकत दोन चार ओळी. आनी ताचें जालें एक सुंदर नुस्तें.

'पापा, आतां सांग पळोवया, हें नुस्तें, माणकुलें नुस्तें, मस्तें काय शाणे?' आनी हांव थटाकलों. आमी भुरग्यांक मस्तीं कित्याक म्हणटा काय? सिमंतिनी म्हज्या वेंगेंत येवन म्हज्या गालांक आपले गाल घाशीत हो प्रस्न परत विचारपाक लागलें. जाण्ट्यांनीं भुरग्यां बाबतींत हो कसलो नाका जाल्लो घोळ घालून दवरला पळयात. माणकुल्या मनाचेर आघात करपी जाण्टे, हे जाण्टे तरी कशे म्हणप?



तें नेण्टेंपण. नेणारपण. आनी तें ल्हान भुरगें म्हाका विचारता, पापा, हें नुस्तें मस्तें? ह्या नेणट्यांत म्हाका नेणटेपण दिसना. दिसता तें जाण्टेंपण. आनी तें जाण्टेंपण सगळ्या जाण्ट्यांक लजेंत घालता. हांवें ताका म्हटलें , बाय गो हांवें तर हाका आत्तां पळयलां, तें कशें तें म्हाका खबर ना. आनी तें मस्तें आसचें ना अशें म्हाका दिसता. पूण हांव हासतां आनी ओग्गी रावतां. तें म्हणटा, 'सांग न्हय पापा.' आनी हांव म्हणटां, 'ना ना, तें मस्तें आसुंकच शकना. तें मस्तें कित्याक म्हण जातलें? तें सामकें शाणें. तुजे भशेन' आनी अकस्माय सिमंतिनी आड्डलें, 'बाब पळय तें माणकुलें नुस्तें पेंवत पेंवत कितले पयस पावलें! पापा कांय भुरगीं सांगिनासतनाच खंय खंय वयतात न्हय रे आपल्या घरच्यांक बी? आनी जाण्ट्यांक सांगल्यार तरी खंय कळटा. केन्ना केन्ना? मागीर तीं वगीच तापय काडीत रावतात. आपल्याक न कळपाची तापय.' आनी कितें सांगूं आमी खूब्ब फाटीं उरल्यां शें दिसलें कारण तें माणकुलें नुस्तें पेंवत पेंवत खुब्ब पयस पावल्लें.

आमी माणकुल्या भुरग्यांचेर, चलयांचेर कितलो अन्याय करतात? ताणें हेंच करूंक जायना, तेंच करूंक जायना, अशेंच करूंक जाय, तशेंच करूंक जाय. हें दिसल्यार उबें रावूंक जाय, तो दिसल्यार उबें रावूंक जाय ना. अशें उलोवंक जाय ना, अशें हासूंक जाय ना. अशें पळोवंक जाय ना. अशें उबें रावंक जाय, अशें उलोवंक जाय, अशें हासूंक जाय सामकें सोपे भाशेन सांगचें जाल्यार आमी सांगता तशें करूंक जाय आनी करूंक नाका म्हणटा तशेंच करूंक जाय. मागीर तीं शाणीं. मागीर तीं हुशार. ना जाल्यार तीं मस्तीं. तीं पिशीं. हें सगळें चितून येवन म्हजी तकली भेर्रार जावपाक पावली. ह्या चितनाचो प्रभाव कांय दीस उरलो त्या दिसांनी कांयच बरोवन जालें ना. मनार एक ...चो पेज भरून उरलेलो. आनी एक दीस अकस्मात म्हाका भुरग्यां खातीर काव्य वाचन करपाक एके शाळेंत वचपाचें आसलें ताची याद जाली. कार्यक्रम गोंयांत आसलो. हो कार्यक्रम गोवा कोंकणी अकादेमीच्या बरेपणान जातालो. म्हाका कांय नव्यो कविता ते खातीर जाय आसल्यो. आनी हांव रायबरेली आसलों. म्हजे मुखार सगळीं शाळांतलीं माणकुलीं भुरगीं उबीं रावलीं. आनी हांव तांचे खातीर कविता म्हणत गेलों :

हांव मस्तें
एक नुस्तें
उदकांत खेळटा
खेळ नसते
उदकांत हांव
टिटिट्टां
शेळो खावन
मिटमिट्टां
म्हणूंक नाका
म्हाका मस्तें
तोंड हांसतें
हांव नुस्तें

कविता कशी येवन गेली म्हाका कळ्ळेंच ना. नुस्तें आयलें, उदक आयलें, खेळ आयलो. टिट्टिटप आयलें, शेळो खावप आयलें, मिटमिटप आयलें. मस्तें म्हणटल्याक मस्तें म्हणू नाका म्हण आग्रह आयलो. हासपांतल्या उक्तेपणाचो प्रत्यय आयलो. शायेच्या आदारान हांवें फकत उतरां बरोवन काडपाचें काम केलें. नुस्त्याचें मन, नुस्तें उलोवंक लागलें. ताणें आपल्याक जाय तें बरोवन घेतलें. आपलें मन मनशांच्या उतरांच्या माध्यमांतल्यान उक्तें केलें. ही मनशांची सामुहीक भास. हो कोणाच एकल्या मनशाचो फात न्हय. मनशांनी हे भाशेचो अर्थूय सामुहीक समजांतल्यान थारावन उडयला. आयज मेरेनच्या काळा पर्यंत वापरांत येत गेल्ल्या ह्या उतरांतल्यान आपसूक व्यक्त जावन आयल्लो टिट्टीटप हें उतर समाज मनान जाण्ट्यांनी भुरग्यां खातीर वापरपाक तयार केलां, हाची जाणीव म्हाकां बरयले उपरांत जाली. तशें मस्तें हें उतरूय अशेंच समाजमनान जाण्ट्यांनी भुरग्यां खातीरूच वापरपा खातीर तयार केलां. आनी एक गजाल म्हाका ह्या उतरांतल्यान जाणवपाक लागली. नुस्तें उदकांत आसा आनी कवितेंत माणकुल्या नुस्त्याचें मन उलयता. पळयतल्याक जें पळोवंक मेळटा आनी समजून येता तें सामान्य चित्र काय उदकाच्या माध्यमाक लागून जाल्लें डिफेक्टेड चित्र आनी आपली डिफेक्टेच प्रतिमा अशी दिसतली हाची जाणीव आसा काय त्या नुस्त्याक? ना तरी कित्याक म्हणप? जे फिशालकायेन ह्या कवितेचें शिल्प घडलां वा घडयलां तें पळयल्यार ताका ताची जाणीव आसाच अशें म्हणचें पडटलें. जशें धव्या फूल्ल कागदार नुस्तें येनाफुडें थंय आपशींच दर्या येता, उदक येता तशेंच काव्यशिल्पांतलें दरएक उतर येनाफुडें त्या त्या उतराच्या वा उतरांतले प्रतिमे वांगडा आसतलें ताच्या वाठाराचें अस्तित्व आपशींच येवन उबें जाता हें सगळें पळोवन म्हजें लजेन उदक जावंक लागलें. हांव हें करतां, तें करतां हो म्हजो भ्रम आपाप देंवलो. हांव बरयतां हो म्हजो भ्रम. हें सगळें कशें आपाप बरोवंक जाता. म्हाका याद जाली. म्हज्या बापायन म्हजे कडल्यान आपल्या हातांनीं श्री बरोवन घेतलेल्याचो खीण. हें सगळें करतना हांव कित्यांत ना म्हणपाची खात्री जाली आनी म्हजो जीव सूऽऽ जालो.

❀❀❀



रमेश भगवंत वेळुस्कार
पाळें, शिरदोन गोंय.
फोन - ९४२०६८८४६१

Golden Goal

Packaged Drinking Water

Prachi Aqua Mineral Pvt. Ltd.
Plot No. 42, Kundaim Industrial Estate,
Kundaim - Goa 403 115 Tel: 2395518, 2395644.

जोर रडटा पेजेक....!

'जो'र रडटा पेजेक'... हांवें जायते लोकांच्या तोंडांतल्यान ही ओपार आयकल्या. म्हजी आवय्य केन्ना म्हणटना हांवें आयकलें. आतां आमी लोकवेढाचेर खबरी करतना, गजाली मारतना बी तशी केन्नाय याद येता ते ओपारीची! ना तर आतां पेजूय ना, जोरूय ना आनी कांय ना. ह्यो सगळ्यो गजाली जावन पडल्यात पुराणांतलीं वायंगीं! आतां कोणाकूच जोर येना. येता तो फिवर. तो आयलो म्हणटकच रोखडीच क्रॉसिन गुळी येता. हाता कडेन नासली जाल्यार मोबायलाचेर एस एम एस् धाडल्यार पुरो.. पिज्जा आनी क्रॉसिन एकाच वेळार हजर. पूण पेज..! नो-चान्स! पेज मेळूंक जोरान रडचें पडटा. फिवर येवन उपेग ना....

आज जोर नासत... आवय नासत... वो ह्या ओपारींची याद करपीय लोक दिसान दीस उणे जायत वतात आसत पूण म्हाका भात याद जाता हे ओपारीची... म्हजे आवयचे तोंडांतली ओपार... जोर रडटा पेजेक...

कित्याक आयली आसतली ओपार आमचे समाजजिणेंत? घरांत खोटलोभर लोक आनी तांच्या ताळ्यार पोटभर अन्न पडप ना असले गरिबीक लागुनूच मू?

गोंयांत रासभर भुरगीं.. गोंयच्या खंयच्याय गांवचीं घरां आसूं... आतांची गजाल न्हय ही... हांवेंच पळयल्ली तीस–चाळीस वर्सां पयलींची गजाल. गोंयच्या हिन्दू जावं क्रिस्तांव... कोणाल्याय घरांत सर्रासपणान नदरेक पडपी गजाल ती! बुडकुलो रांदनीर शिजता. तातूंत तांदूळ उकडात. शीत रांदपाची व्हडली शी ऐपत ना. रांदल्यार त्या तांदळांचें शीत कितल्या लोकांक पावतलें? मागीर पेज्जेंतलीं कुंयां पोटांत उडोवप आनी ताचेवेल्यान घटाघट निवळ पियेले म्हणटकच भूक भागली. बरें, ही पेजूय तरी मनसोक्त पोटभर मेळटलीच अशें कितें आसा?

मागीर हे पेजेकूय प्राधान्य आसतालें. घरांत उपासमार. तातूंत कोणाकूय जोर आयलो जाल्यार त्या जोराच्या निमतान ताचे खातीर तांदूळ नासले तरी जोर आयला म्हूण शेजराक हाताचे शिरे इतले तांदूळ कोणूय लज–भीड बाळगिनासतना मागूंक शकताले. आनी दितल्यांकूय तें रीण दिसनाशिल्लें. ती आसताली भजत जोर आयिल्ल्यांक... जोर रडटा पेजेक....

मागीर घरांत पेज शिजताली.... पेजेचेरूच अधिकार फकत जोर आयला ताचोच. ताकाच तर ती खास रांदिल्ली आसताली.

काळूच तसो तो तेन्नाचो... शीत खंयचें? पेज मेळपाची मारामार... ते उपासमारीत निदान पेज मेळची म्हूण घरांतलो कोणूय मागीर जोर आयिल्ल्याचें सवंग घेतालो.... जोर आयला म्हण परवतालो... रडटालो... हें ताचें जोराचें रडप... जोर रडटा पेजेक....

भुरगेपणार खुपदां अडेचें रडप जातालें... भूक लागल्या म्हूण जोर येतालो. शाळेंत वचपाचें नासल्यार जोर येतालो आनी मागीर आवयकूय तें खबर आसतालें, जोर रडटा पेजेक म्हूण..

तेन्ना कोणाक जोर आयला म्हूण सांगपाची गरजूय नासताली... सगळ्यांचें बसप, उठप, न्हिदप लागीं लागींच आसतालें. न्हिदपूय एकठांयूच. आतां सारखी प्रत्येकाची वेगळी खाट वेगळी कूड नासताली... आसताली आवयची नासली तरी भावा–भयणींची कूस.... एकटे आवयची कूस कितले जाणांक पावतली? ती तर अधिकारान सगळ्यांत धाकट्याची. तरी मागीर न्हिदचे आदीं आवयचो हात लांब जावन निमण्या भुरग्या मेरेन पावतालो... पिलांक आपल्या पारवाट्यां पोंढा वेवस्तीत सामावन घेवपी, आतांच रवाणेंतल्यान उठिल्ले कोंबये वरीं... त्या हाताकूच कळटालें कोणाक जोर आसा, कोणाक थंडी भारकूण जाल्या आनी कोणाक हय न्हय सो ताप आसा...

आतां जण एकल्याच्यो कुडी वेगळ्यो. कोणाक फिवर आयला ताचे खातीर क्रॉसिन तेच कुडींत ढवरिल्ली आसता... ते कुडींत येवपाचो अधिकार आवयक नासता... प्रायवसी... आतां भुरगीं व्हडलीं जाल्यांत... पूण जोर...?

आवयच्या वेंगेंतल्यान केन्ना हांव कुशीक सरलों आनी म्हजी वेगळी अशी कूड केन्ना जाली हाची म्हाका कल्पनाच आयली ना. वेगळी कूड जेन्ना नाशिल्ली तेन्ना आवयचे वेंगेंत जुनेराच्या त्या वासांत पडिल्ली ती सुरत न्हीद आनी आवयलें तें सासपप कोणाक जोर आसा आनी कोणाक थंडी आसा ताची चाचपणी करूंक.

मागीर कुडी वेगळ्यो जाल्यो तरी हांव म्हजे कुडींत वेगळे खाटीर केन्ना केन्नाय उसरां मेरेन लोळत पडटां... आवयचीय वेगळी कूड आतां... म्हजीय वेगळी कूड... स्वतंत्र कुडी... पूण मनां एकेच कुडींत... एकेच खाटीर... हांव जाणटो जालों वो तसो हट्ट करून येतला देखून म्हजें मन आवयचे कुडींत वचना जायत. पूण आवयचें मन म्हजे कुडींत नक्कीच येता म्हाका वेंगेंत घेवंक.

सकाळीं हांवें उठपाक कळाव केलो जाल्यार... तिजे कुडींतल्यान आवाज.. बाबा, कित्याक न्हिदला रे? सकाळफुडें उठून चलपाक वचपी... उसरां मेरेन कित्याक न्हिदून आसा? बरें बी ना काय? तिजेंय म्हूण एक ऑबजर्वेशन आसता.. आयतार जावं सुटी आसल्यार लोळत पडला आसतलो अशें तिका दिसता. पूण कामाच्या दिसानीय लोळत रावप म्हळ्यार नक्कीच कितेंय घडलां... जोर बी आयला जायत...

म्हजो आवाज ना म्हूण मागीर तिजें उठप... ती म्हजे कुडींत येता हें तिच्या पांय ओडीत चलपा वेल्यान म्हाका कळटा... आतां ती भितर येतली... म्हज्या कपलार हात ढवरून, गळ्याकडेन हात ढवरून म्हाका ताप आसा काय म्हण पळयतली. हात लावचे पयलीं म्हणटली... धेंगसो घातल्यार उपकारता म्हजेर... बाबा, आंग बी तापलां रे?... अशें म्हणत तिणें हात कपलार, गळ्यार भोंवडावप... म्हाका जोर आसा काय कितें पळोवपा खातीर...

ती तशें करता म्हूण हांव केन्ना केन्ना तिचेर धेंगसो घालतालों. रागान न्हय... पूण तिका जाणविकाय करून दिवपाक... आतां असली काळजी करप तुका

उपकारना.... आतां आमी व्हडले जाल्यात.... आमी तुजी काळजी करपाची... तुवें सुसेगाद पडून रावपाचें आनी तुका कितें बरें वायट जालां तें आमी पळोवपाचें... पूण तूं अजून आमची काळजी घेता... हुसको करता... आमकां आवडना तें...!

पूण खरेंच आवडना काय आमकां तें? मागीर मातशें बरें दिसना आसल्यार हांव कित्याक लोळत रावतालों हांतुणार? कोणाची वाट पळयत? आवय पांय ओडीत म्हजे कुडी कडेन, म्हजे खाटीकडेन पाव भेरेन हांव कित्याक लोळत रावतालों? तिजो हात म्हज्या कपलाक तेक भेरेन कित्याक पडून रावप हावें? ती कुडींत येवचे आदींच हांव उठून कित्याक वाटेक लागनाशिल्लों? कित्याक पिडटा गे तूं? अशें वयलेचाराक म्हणटनाच तिजो हात म्हज्या कपलार, गळ्यार हांव कित्याक लावन येतालों?.. तो लागचो म्हूण हांव हांतुणार लोळत कित्याक पडटालों? जोर रडटा पेजेक...

आतां तें कांयच ना. येदें व्हडलें घर आसा.. घरांत हांव एकटोच.. आतां जोर येवन कांयच फायदो ना कित्याक तो पेजेक रडवोना. पेजूय म्हाकाच करूंक जाय म्हणटकच जोर न येवपूच बरें... आयलोय जाल्यार तो आयला म्हूण कोणाक सांगप?

जोर आयला जावं आपूण बरो ना हाका व्हडलो सो अर्थ नासता. तो अर्थ येता जेन्ना ती गजाल दुसऱ्याक कळटा तेन्ना. जर ती गजाल कळपा खातीर कोणूच वांगडा नासता तेन्ना तूं कितलोय रडलो वा कितलींय सवंगां केलीं तरी त्या जोराक जोर येना. जोराक जोर येता जेन्ना तो जोर पेजेक रडटा तेन्ना...

हालींच हांव बरो ना जालों. बरो ना जावप ही संकल्पनाच म्हजे खातीर एक न समजावंक येवपा सारकी. अनुत्तरीत कशी... जाका जोर रडटा पेजेक... अशें म्हणूं येता अशी...

मनशाक वो हे सृष्टींतले सजीव गजालीक दुयेंस हो प्रकार तसो नासताच. ह्या पुराय ब्रह्मांडांत जितलीं स्थित्यंतरा जायत आसात तातुंतलेंच एक स्थित्यंतर म्हळ्यार हें दुयेंस... सृष्टींतलें असंतुलन वो पेलना असलें कितें तरी... तें पेलना म्हणटकच आमी ताचे पासून सुटका मेळोवंक सोडतात. तें मागीर थारता दुयेंस...

तें कितें हें म्हाका सारकें स्पष्ट करूंक येना. खुपश्यो गजाली ज्यो म्हाका समजतात त्यो केन्ना म्हाका हेरां मुखार मांडप जमल्योच ना. कित्याक म्हाका जें समजता तें हेरांक समजावन लेगीत समजावप म्हाका शक्य ना. ते पासत तें समजपूच तितलें तांकीचें आसूंक जाय...

आतां हेंच पळयात.. हांव बरो ना जालों... म्हणचे कितें जालें? म्हजे भितर एक स्थित्यंतर घडून आयलें.. जें म्हाका म्हजे सद्चे जिणेंत आडमेलें हाडूंक लागलें...

आतां दुयेंस म्हणटात तें मनशाक आसता हें हांव मानूंक तयार ना. तें मनशा भितरलें मानसिक, शारीक असंतुलन... दर एक मनीस वो सजीव हो आपल्या शरिरा पुरतोच मर्यादीत नासता. ताका फकत हो परिसरूच न्हय तर पुराय ब्रह्मांड संचारणा खातीर जापसालदार आसता. फकत विचारांच्याच संचरणात बाधा आयल्यार भलायकी असंतुलीत जाता अशें न्हय तर ब्रह्मांडांतल्या संचरणांत खंयतरी असंतुलन, बाधा आयली जाल्यार ताचो परिणाम मानसिकतेचेर, जाता... मागीर तें दुयेंस थारता...

आमच्या शरिरात खिणाखिणात जें असंतुलन निर्माण जाता तें परत जाग्यार हाडपाचें... ताचें संतुलन राखपाचें काम शरिरातलें रसायन करता. हें काम अविरत चलत आसता. हें रसायन त्या त्या प्रमाणात इनटॅक्ट दवरपाचें काम आमी जें कितें खातात, जो कितें विचार करतात, वो ब्रह्मांडांत जें कितें बदल जायत आसात ताचेर निंबून आसता. असंतुलनाचो हो बदल आमच्या संवेदनाक जाणवता आनी मागीर आमी बरे बी ना जातात. कॅन्सर बी असलीं जीं भिरांकूळ दुयेंसां आमी मानतात तीं आमच्या विचार प्रक्रियेच्या प्रवाहाक खंयतरी आयिल्ली बाधा जी आमच्या शरिराच्या खंयच्या तरी भागांत शिरकता. ही बाधा जनुकीय पद्धतीनूच अयिल्लीं आसता जी नव्याच जल्माक आयिल्ल्या भुरग्यांमदींय दिश्टी पडटा आनी आमी आदल्या जल्माच्या पापाची कल्पना करतात.

हांवें म्हजें विश्व, म्हजो संवसार हो म्हजे पुरतोच मर्यादीत मानूंक ना. हांव ह्या ब्रह्मांडाचो घटक. ह्या ब्रह्मांडांत खिणाखिणात जे कितें बदल जातात तेच बदल म्हजे भितर घडत आसतात आसूंक जाय. त्या ब्रह्मांडाचोच हांव एक व्हान सो प्रतिनिधी. हांवें म्हज्या विचारांची कक्षा आदीं पासून विस्तृत दवरिल्ली. हांव जी विश्वकुटुंब संकल्पना बाळगितां ताचें फाटलें कारण हेंच आसा.

म्हाका व्हानशा प्लॅटांत संवसार करपाची कल्पनाच केन्ना स्पर्शून गेली ना. हें आपलें, हो संवसार आपलो. अशें मर्यादीत जीवन म्हाका पटलेंच ना. देखुनूच म्हाका सर्वसामान्य लोक जाका संवसार करतात म्हणटात तो जमलोच ना. पटलोच ना. म्हजो संवसार अमर्याद. जातूंत सगळो लोक म्हजो.. आयच्या वेव्हारी जगातम्हजे विचार कोणाक पटनांत. हांवें म्हजें व्हडलें घर बांदूंक घेतलें तेन्नाय हें येदें व्हडलें आडंबर कोणा खातीर असो प्रश्न खूब जाणांक पडला.

म्हज्या ऐसपैस घरांत जें खरें म्हळ्यार म्हजें न्हयच त्या घरांत एक आनंद नगरी वसची... कसलेच हेवेदावे, आपल्या–पेल्याचो दुस्वास नासचो, एके सुंदर बागेत पासय मारूंक आयिल्लेवरी जणएकल्यान पासय मारून वचचें. आपलेंच घर मानचें अशी मानसिकता म्हजे भितर तयार करून वावुरपी हांव.... हांव तेच पासत सगळें साम्राज्य उबारतां.. मागीर एकदीस आवय वता.... तेन्ना जाणिव जाता ती एकटेपणाची.... एक रितेंपण...

ह्याच रितेंपणांतल्यान म्हजे भितर एक तातुरतो व्हॅक्यूम – पोकळी तयार जाली.... तेंच एक दुयेंस थारलें... म्हज्या इश्टांक फोन मारलो. धर्मानंदाक दिसलें म्हाका ॲटक बी आयला... सोरो पितां, सिगरेटी ओडटां... ॲटक येना जाल्यार कितें जातलें... ताणें सतीशाक फोन केलो... सतीशान मिनाक्षीक आनी सुबोधाक. थोड्या वेळा भितर म्हाका सगळ्यांनी उबारून चंद्रशेखराकडे व्हेलो.. चंद्रशेखर म्हणूंक लागलो... कांय ना... सायनस... म्हजे भितरल्या पोकळींचें तें रिफ्लेक्शन... म्हजें एकटेपण...

जोर रडटा पेजेक... तातुंतलोच प्रकार होय...

❀❀❀

– दिलीप बोरकार


पणजे शार
आमचं शार
ही भावना बळावया
आमचं शार
प्लास्टीक मुक्त दवरूया
ओलो कचरो, सुको कचरो
वेगळावया
मिशन चकाचक
यशस्वी करूया...
कार्पोरेशन ऑफ सीटी ऑफ पणजी
नितळसाण विभाग, पणजी - गांय
Ph. 2223339, 9422443184, 9422063194
E-mail: commissioner@panjim.org
Website : www.panaji.org

POSTAL LICENSE NO: GR/RNP/GOA/01/2006-08 FEBRUARY : 2008

Blessed by nature's beauty and abundance.
Fueled by festivity and fun.

Come, experience the beauty of Goa, where the fun never sets and the sun is worshiped all day long. The festivals are a riot of colours, and music and dance are as important as air and water. Where healthy living and good food habits come naturally. Illness and stress is banished with natural therapies like Ayurveda and Naturopathy. Where time stands still and happiness is a state of mind. Come to Goa to rejuvenate your mind and body.

. Adventure Tourism . Beach Tourism
. Medical Tourism . MICE Tourism . Wildlife Tourism...
Goa offers it all

GO GOA
A perfect holiday destination

DEPARTMENT OF TOURISM
GOVERNMENT OF GOA, Patto, Panaji, Goa 403 001, India. Email: goatourism@dataone.in
www.goatourism.org

Published & Printed by Dilip Borkar Owner of Bimb Monthly, GSB-3, Housing Board Colony, Porvorim-Goa & Printed at Sahyadri Offset Systems, Khorlim, Goa. Editor : Dilip Borkar, Ph.: 2411594, E-mail: bimbkonkani@yahoo.com.in